




तियात्र

• म्हांवाळ विख
• समाज सेवा



नोमाझीन कार्दोज





Gokuldas

6.3.94

तियात्र

म्होंवाळ विख



समाज सेवा



तोमाझीन कार्दोज



१९९२

अमर प्रकाशन कांदोळी, गोंय - १७

उज्वाडावपी :

अमर प्रकाशन

ओर्डा, कांदोळी, गोंय.



छापपी :

प्रभाकर तेंडुलकार

दलेश प्रिंटर्स,

अल्साभाट, म्हापसें, गोंय.



मुखावयलें चित्र :

दिगंबर सिंगबाळ

पणजी, गोंय.



मोल : रु. २५/-

तियात्राचीं शंबर वर्सां

(१८९२ – १९९२)

हांच्या उगडासाक

पडटलें. तियात्रांतल्या नाटकाचो दर्जो वाडोवप, ताचीं हेर आंगां सुदारप, येसायो घेवन तियात्र बसोवप आनी अशे बरे तरेन बसयल्ले खेळ सादर करप हो तांणी नेम केला अशें म्हळ्यार जाता. म्हजे नदरेन, हो वावर गरजेचो आनी तियात्र अदीक परिणामकारी करपाचे नदरेन म्हत्वाचो. तियात्राची मूळ फास्की मोडिनासताना ताचें दर आंग—म्हणचे, नाटक, संगीत, नेपथ्य, उजवाडा–येवजण, आवाजा–येवजण, मांडणी, दिग्दर्शन—अदीक बरें करुंक वावरप हो तांचो वावर जाला आनी तांच्या ह्या वावरांतल्यान तरनाटचा बरोवप्यांनी, दिग्दर्शकांनी आनी कलाकारांनी देख घेवन तो वावर चालू दवरला. थोडयाच उतरांनी सांगचें जाल्यार, श्री. कार्दोज हांणी परंपरागत तियात्र आधुनीक नाटकाचे दिशेन व्हरपाक आनी आधुनीक तंत्राचो ताका लाब दिवपाक मोलादिक यत्न केल्यात.

तियात्रांतल्यान खेळ–तियात्र आनी खेळ–तियात्रांतल्यान आधुनीक तियात्र असो बदल घडिल्लो दिसता. हो जो खेळ–तियात्रांतल्यान आधुनीक तियात्राचे दिशेन वचपाचो पांवडो आसा त्या पांवडयार पयलें नांव श्री. तोमाझीन्य कार्दोज हांचेंच घेवचें पडटलें. ह्या वावरांतूय तांणी आपणाल्या आंगांतल्या कितलेशाच गुणांचें दर्शन घडयलां. बरोवपी, दिग्दर्शक, कलाकार आनी संघटक ह्या चारुय नात्यांनी तांणी तीं जापसालदारकी उखल्ल्या. हे चारुय गूण एकाच मनशाच्या आंगांत मेळप ही सामान्य गजाल न्हय; पूण ते गूण एकठांय जाल्यान तांच्या एकवटीत परिणामांतल्यान तियात्राचो लाब जाला. ह्या गुणांक आनीक एका आदाराची जोड मेळळ्या : तोमाझीन्य बाबाची घरकान्न बाय इरेन कार्दोज हांच्या गुणेस्त सहकाराची. त्या सहकारांतल्यान तियात्राचे माचयेर जें नवें आनी बरें पळोवंक मेळळां ताची नोंद तियात्राच्या इतिहासाक करचीच पडटली.

साहित्याच्या मळार श्री. कार्दोज हांणी कविता, लेख ह्यो तराय हाताळळ्यात. पूण तियात्र बरोवप हो तांचो पयलो मोग म्हणचो पडटलो. बरो तियात्र कसो बरोवचो हाची देख तांणी फुडल्या पिळग्यांक घालून दिल्या. नाटकाच्या संवेदान, नाटककारान बरयल्ल्या संवादांचें म्हत्व

ताणी आपणायलां आनी परंपरेन तियात्रांत चलत आयिल्ली त्या संबंदान मेकळीक घेवपाची चाल मोडल्या. हें एक फुडें पडिल्लें पावल. श्री. कार्दोज हांच्या बरोवपांतलें दुसरें खाशेलेपण म्हणचे समाजीक जाणविकाय. फकत मनोरंजन हो ताचो हावेस न्हय. समाजांतल्या वायट चालींचेर आनी फाल्स रितींचेर उजवाड घालून उजू वाटेकडेन बोट दाखवपाचो तांचो यत्न आसता. हांवें आदीं म्हळां ते भाशेन, समाजसेवेच्या अणभवांतल्यान जे विचार लोका मुखार मांडपाची उमळशीक तांकां लागता त्या विचारांचें पडबींब तांच्या तियात्रांनी दिसता. बरोवपी आनी कलाकार म्हूण वावुरतनाय तांचें समाजीक वावुरपी हें नातें कुशीक उरना.

श्री. कार्दोज हांणी खूबशे तियात्र बरयल्यात. तांतले फकत दोन ह्या पुस्तकांत वाचूंक मेळटात. दोनूय तियात्रांनी तांची समाजीक जाणविकाय उकेता. "म्हौंवाळ विख" ह्या तियात्रांत तांणी पर्यटन--उद्देगाच्या कांय वायट परिणामांचेर उजवाड घाला आनी मनशाचो सुवार्थ थंय कसो ओडटा हें दाखयलां. आयच्या गोंयांतले समाजीक परिस्थितीचें एक आंग आमकां ह्या तियात्रांत दिसता. बरोवपी केन्ना चिमटे काडून तर केन्ना खातकुतल्यो करुन ताचें दर्शन आमकां घडयता. "समाज सेवा" हो दुसरो तियात्र म्हणचे आयचें आमचे राजकी जिणेवयली टिका. तांतून मांडलां तें सत्य न्हय अशें कोण म्हणटलो ! राजकारण म्हणचे सुवार्था खातीर चलयल्लें फटकिरेपण अशी समजणी कांय जाण करुन घेतात आनी तशे वागतात. थोडो काळ तें पचता; पूण जाप दिवपाचो दीस केन्नाय तरी उदेता हें बरोवपी परिणामकारी रितीन दाखोवन दिता.

दोन तियात्रांचें हें गांठवल देवनागरी लिपींत उजवाडा येता हाका एक खाशेलो अर्थ आसा. तियात्र रोमी लिपींत बरयतात आनी तो पळोवपी चडशे क्रिस्तांव आसतात. नाटक हें देवनागरी लिपींत बरयतात आनी तें पळोवपी चडशे हिंदू आसतात. एकूच कोंकणी भास आनी एकूच कोंकणी माची. पूण ते माचयली ही कला अशी समांतर चलता. इतिहासाच्या ज्या आघातांतल्यान आमी गेल्यात तांचे हे

परिणाम. पूण त्या अपघातांतल्यान घडून आयिल्लें अंतर आमीच ना करुंक जाय. ते नदरेन तियात्राची सारकी वळख कोंकणी समाजाक मेळपाच्या विशयांत हें पुस्तक हो एक गरजेचो आनी मोलाचो यत्न जावन आसा. शुद्धलेखनाचेर आनीक इल्ली नदर दवरुंक जाय आशिल्ली; पूण नागरी लिपींत संवादांची रुच इल्लीय उणी जावंक दिवंक ना हें म्हत्वाचें.

कोंकणी भास उलोवपी समाजाची 'एक कोंकणी माची' घडोवन हाडपाचो मोटो वावर आमचे मुखार आसा. ते पासत, जे आडे आज आमचे मदीं उबे आसात ते मोडून अंतरां आनी वेगळेचार ना करप हो पयलो पांवडो. कोंकणी मनीस — खंयच्याय धर्माचो आनी खंयच्याय प्रदेशांतलो — तियात्र वा नाटय आवडीन पळोवंक येतलो, तें समजूंक पावतलो आनी तांतल्यान कलेची गोडी घेवंक पावतलो अशी कोंकणी माची आमी घडोवंक जाय. ह्या वावरांत जे गूण जाय ते श्री. तोमाझीन्य कार्दोज हांच्या आंगांत आसात. हें पुस्तक ही ताचीच गवाय. जें बरें साहित्य हेर लिपींत उजवाडा येता तें नागरींत हाडप हिवूय आयची एक गरज आनी ते नदरेनूय ह्या पुस्तकाचें म्हत्व समजून घेवंक जाय. श्री. कार्दोज हांचे हस्तुकीं कोंकणी साहित्याची आनी कलेची अशीच बरी सेवा आनिकूय घडूं आनी सगल्यांची 'एक कोंकणी माची' घडून येवपाचो दीस लागीं येवं अशें मागणें.

मडगांव, गोंय.
६ डिसेंबर १९९२

उदय भेंब्रे

दिसवास

तियात्र सदांच रोमी लिपीत बरयतात आनी छापतात. पुण आयज, पयलेच फावट तियात्र देवनागरी लिपींत प्रसिद्ध करुंक म्हाका भाग्य मेळटा त्या खातीर हांव खोशी जातां.

तियात्र, कोंकणी माचयचें एक वेगळेंच रुप जावन आसा. तियात्र नाटक न्हय. तियात्र संगीत नाटकूय न्हय. इतलेंय आसून तियात्रांत नाटक आसा आनी संगीतूय आसा. ह्याच खातीर तियात्र एक वेगळेंच रुप.

तियात्र पांच, स वा सात भागांनी वा देखाव्यांनी वांटल्लो आसता. एका भागाक पडदो म्हणटात. म्हणचे एक तियात्र पांच, स वा सात पडद्यांनी वांटल्लो आसता. हे पडदे म्हणल्यार तियात्राची काणी, तांतून सुख-दुख, हांसप-रडप आदी जें दुसऱ्या नाटकांनीं आसता तितलेंय तियात्रानूय मेळटा.

एका-एका पडद्या फाटल्यान दोन वा तीन गितां आसतात, जांकां कांतारां म्हणटात. एक कांतार एकल्यान, दोगांनीं, तेगांनीं वा चड जाणांनी गावक जाता. एकलो/एकलें गायतात त्या कांताराक "सोलो" म्हणटात, दोगांनीं गायल्यार "दुवा" वा "दुयेट" म्हणटात. तेगांनीं गायल्यार "त्रियो" आनी चौगांनी गायल्यार "क्वार्टेट" म्हणटात आदी. ह्या कांतारांक आनी तियात्राचे काणीयेक कमलोच संबंद आसना. एक-एक कांतार म्हणल्यार एक-एक वेग-वेगळो विशय.

ह्याच खातीर तियात्राक नाटक म्हणूंक जायना, न्हय म्हण संगीत-नाटकूय म्हणूंक जायना. असो वेगळेच तरेचो हो तियात्र शंभर वर्सां पाटीं जल्माक आयलो. तियात्राचो जल्म एप्रिलाचे १६ तारकेर १८९२ वर्सा, मुंबय शारांत जालो. न्यु आल्फ्रेड थियेटर हांतूंत त्या दीसा पयलो तियात्र माचयेर आयलो. हो तियात्र लुकाझिन रिबेरो हाणें बरयल्लो आनी त्या तियात्राचें नांव आशिल्लें "इटालियन भुरगो".

तियात्र खूब नांव-लौकीक जावंक लागलो आनी जुआंव आगोस्तीन फेर्नांनदीस ह्या महान कलाकारान तियात्राक अुंच दर्जार हाडलो. त्या काळार ताणें तियात्र पुस्तक रुपान प्रसिद्ध केलें. प्रजेन ताका "तियात्रांचो पाय" म्हण पाचारलो.

अशे परीं तियात्र जायत्या संकटांक फुडो करून फुडें चलत गेलो. आयज तर तियात्र खूब नांव-लौकीक जाल्लो आसा. तियात्र माची आयज खूब फुडें पावल्या. अेका-अेका तियात्राचे शेंबर-दोनशीं पर्यांत प्रयोग करतात. जाल्लो तियात्र "हांवज-फूल" जाता. हें सगळें तियात्राची लोकप्रियता दाखल करता.

पुण अेक दुखाची घडणी म्हणल्यार, तियात्र पळोवपी फक्त क्रिस्ती लोक आसतात. दुसऱ्या लोकांक आजून तियात्राची आड लागूक ना. कांय तियात्र-स्पर्धांनी हिंदू भावांनीं तियात्राची अुदरगत करूंक हातभार लायललो आसा. पुण आजून पर्यांत, तियात्र जितलो हिंदू, मुसलमान आदी भावांमदीं पावंक जाय आसलो तितलो पावंक ना म्हण दुख भोगता.

हेंच विचार मनान धरून देवनागरी लिपींत हें म्हजें दोन तियात्र प्रसिद्ध करूंक हांवें येवजिलें. हिंदू भावांनी हे तियात्र वाचूंचे, तांका तियात्राची रुच लागची आनी ताणीं तियात्राचे अुदरगतीक आपलो तेंको दिवंचो म्हण आस्त बाळगितां.

ह्या पुस्तकाची प्रस्तावना बाब उदय भेंब्रे हाणीं बरयल्या म्हण हांव तांका काळजान मानून दिनवासतां. तेच परी दलेश [illegible] [illegible] धनी बाब प्रभाकर तेंडुलकार हाणीं तकोस घेवन हें पुस्तक [illegible] म्हण हांव तांचो आभारी. तसोच बाब दिगंबर सिंगबाळ हाणीं मुखायलें चित्र चित्रायलें देवन हांव तांच्या उपकारांत [illegible] आस्पतक. तुमी हें पुस्तक हातान घेवन वाचतात म्हण तुमकां हांव दिनवासतां.

ह्या पुस्तका वरवीं तियात्र मोगींयांची आनी नाटक प्रेमींचा अेकवटाची गाठ अखंड जावपाक सुरवात जातली म्हण [illegible]. आस्त बाळगितां.

बरें मागून,

कांदोळी, गोंय, ११/१२/९२. तोमाझीन कार्दोज

बरोवप्याची वळख

गोंयकारांच्या संवसारांत बाब नोमाझीन कार्दोजाक वळखना असो कोणूच आसचोना. जांव शिक्षणीक मळार, कोंकणी साहित्याच्या मळार, संस्कृतीच्या मळार, कलेच्या मळार, समाजीक वावराच्या मळार वा खेळांच्या मळार, तो सगळयांच्या वळखीचो आनी सगळयांचोच एक बरो इश्ट. शिक्षणीक मळार ताणें यम्. अे., बी यस्सी., बी. एड्. शिक्षण घेतलेलें आसा. सद्या तो मयडेंच्या सेंट झेवियर हायस्कूलाचो हेडमास्तर; तसोच गोंयच्या "हेडमास्टर्स एसोसियेशन"-चो अध्यक्ष; गोंयच्या शिक्षण खात्याच्या कोंकणी अभ्यास मंडळाचो वांगडी; गोंयच्या शिक्षण मंडळाचो एकमतान निवडून आयलोलो वांगडी.

कोंकणी साहित्याच्या मळारय ताणें जायतो मोलादिक वावर केल्लो आसा. गोंयची राजभास कोंकणी करपाक आनी ती घटनेच्या आठव्या वळेरीत पावपाक ताणें जायतो सहकार दिल्लो आसा. दिल्लीच्या साहित्य अकादमीच्या कोंकणी सल्लागार मंडळाचो तो वांगडी. कोंकणी भाशा मंडळ (गोंय) चो आदलो सरचिटणीस. दाल्गाद कोंकणी अकादमीचो आनी कोंकणी केंद्र (गोंय)चो सरचिटणीस. ताणें कोंकणींत १६ पुस्तकां बरोवन प्रसिद्ध केल्यांत, तांतलीं १० पुस्तकां तियात्रांचीच आसात. तांतल्या कांय पुस्तकांक वेगवेगळ्या कोंकणी साहित्यिक संस्थांचे पुरस्कार मेळ्ल्यात. तियात्राच्या सुदारणे पासत ताणें व्हड मोलाचो वावर केला आनी करीत आसा.

समाजीक मळार ताणें गोंयची खरेली संस्कृती दाखोवन, बरे देखावेंन तियात्र बरोवन आनी ते दिग्दर्शीत करून माचयेर दाखयल्यात. गोंयच्या कला अकादमीच्या तियात्र-महोत्सवांत वर्साच्या-वर्सा बरे आनी सुदारीत नवे तियात्र दाखोवन एकमारके पयले इनाम जोडल्लें आसात. ताचे तियात्र सदांच सुदारणेचे नदरेन फुडलें पावल मारपी आसतात. गोंयचे आकाशवाणीचेर ताणें आपले तियात्र, गितां आदी वितरायल्यात.

गोंय दुरदर्शनाचेर आनी दिल्ली दुरदर्शनाचेर आमच्या गीत-गितांच्यो ताच्यो कार्यावळी विनरायल्यात. गोंयच्या मांडो महोत्सवांत ताणं व्हड नामना जोडल्ली आसा आनी पुरस्कारूय मेळयल्यात.

समाजीक मळार तो कांदोळी गांवचो सरपंच. जो एकसारको चार फावट सरपंच म्हूण निवडून आयला आनी एकसारकीं १६ वर्सां तो कांदोळी गांवचो सरपंच आसून, गांवची सगळ्या वाटांनी बरी उदरगत करूंक वावुरता. पंचायती राज अखंड करूंक तो झगडत आसा. गांवच्या लोकांचो ताचेर विस्वास आनी मायपास मजबूत आसा. गोंयच्या पंचायत परिशदेचो तो सचीव. बारदेश गट सल्लागार मंडळाचो तो अध्यक्ष. पश्चिम विभागीय संस्कृतीक केंद्र, उदयपुर-चो वांगडी. गोंयांत खेळा-मळारूय ताणें जायतो मोलादीक वावर केल्लो आसा. सुरवातेक तो एक बरो खेळगडी. गांवांतल्या जायत्या खेळां क्लबांचो तो अध्यक्ष आनी सचिव आसलो.

असल्या ह्या सर्व गुणांनी गिरेस्त मनशान, हे आपल्या दोन नियात्रांचें पुस्तक, नागरी कोंकणींत पयलेंच प्रसिद्ध केलां ताका खेरीत अर्थ आसा. आखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिशद आयज कितलींच वर्सां आमकां सांगत आसा की रोमी कोंकणींतलीं बरीं पुस्तकां आमी नागरी कोंकणींत प्रसिद्ध करतलीं म्हूण, पूण आजून एक पासून रोमी कोंकणींतलें पुस्तक नागरी कोंकणींत प्रसिद्ध करूंक तिचेकडें घडूंक ना. हें काम बाब तोमाझीन कार्दोजान खुद आपले दुडू खर्चून केलां. दुबाव ना. ह्या पुस्तका वरवीं नागरी कोंकणींतल्या वाचप्यांक कळत जातलें का रोमी कोंकणींत कितले बरे बरोवपी आनी पुस्तकां आसात. ह्या ताच्या सगळ्या मळावेल्या बऱ्या वावरा पासत हांव ताका उलासांकी दिता आनी ताच्या वावराक येश आंवडेतां.

म्हापशें, ८/१२/९२. प्रभाकर तेंडलकार

म्हौवाळ विश्व

म्होंवाळ विख

पयलो भाग

(वेळेचो देखावो. वेळेर घर. फाटल्यान अेक खोंप. मांय मागदू वार्कानावेर बसून तांदूळ वेंचता. धुव लिंदा आरशामुखार रावन "मेक – अप" करता. पूत जेरी आपलें कॅम्प सारकें करीत–करीत भायर येता, घरांत सगळ्याक आपली नदर भोंवडायता.)

जेरी : मांय...

मागदू : कितें बाबा ?

लिंदा : आतां आमचें घर अेकदम मोर्बान जालें. आतां ह्या घरांत रावोंक कशें दिसता.

मागदू : आरे पुता, कितले दुडू मोडल्यात ते नकळो तूं ?

लिंदा : मांय, कितले दुडू लागले गे हें घर सारकें करूंक ?

मागदू : तीस-पसतीस हजार जाले. आतां म्हारगाय खंय पावल्या ?

लिंदा : मांय, दुडू मोडले म्हटल्यार फळ मेळटें ना ? जाणाय मांय, म्हजो "रुम" अेकदम बरो जाला.

जेरी : अगो, तू तुजो "रुम" बरो जालो म्हण नाचताय. तुवें म्हजो "रुम" पळेलाय ?

लिंदा : ना.

जेरी : पळय वचून. म्हजो "रुम" सारको "फाय स्टार रुम" जाला.

लिंदा : खरेंच ?

जेरी : मांय, अेक सांगत हां, पाय गांवा येतोच, घराक पळोवन सामको खोशी जातलो.

मागदू : आगे, तुज्या पायचें भगलें सदांच व्हडलें ! हांगां फळांतल पांय मांडक जाय म्हण नकळो. अखलों जांव लायली ताळनांत असलीच तुज्या पायची गत.

लिंदा : मांय, तूं पायक अशें किज्याक म्हणताय ? भग जाकें कर म्हण सांगलें तें किलें दायट जालें ?

मागदू : वायट कांयच [illegible] ना. पूण गांठांत किलें सांभाळलेलें ते होगडायलें मुगो ?

जेरी : आगे तू किज्याक भियेताय ? हुड मगे ? पाय धांवल्ला.

लिंदा : आगे जेरी, आमची मांय मगे तशीच. वेगटीच भियेता. मांय, तें भिगेवपानें मातसें गोड आनी मात्शी हांगा यो पळेवया ?

मागदू : खंय यो म्हणनाय गो तूं म्हाका ?

लिंदा : जेरी, तंवय यो पळेतां.

जेरी : हो पळय आयलों (लिंदाक लागीं येता.)

लिंदा : आगें मांय (मांय लागी वचून तीच्या हातान धरून तीका घेवन येता.)

मागदू : आगो, तुका जाल्ला पुण किलें ?

लिंदा : मांय, हि–ती खोंपटी पळयल्याय तुवें ?

मागदू : पळयल्या तर. खोंपटेक किलें जाल्लां गो ?

लिंदा : खोंपटेक कांय जावंक ना गे. पूण ती खोंपटी सारकी आमच्या घरा फुडल्यान आसा आनी आमच्या दरानी मांय [illegible] मगे ?

जेरी : आगो हय मगो. आतां आमी आमचें घर एतले गांवांत किल्ला आनी ती खोंपटी आमच्या दारानामतार ! छी. छी. छी..

लिंदा : त्याच खातीर हांव म्हणटाली, ती खोंपटी थयची काडून उडयलेली जाल्यार बरें जांवचें नासलें ?

मागदू : आगे म्हजे मांय ! खोंपटी काडून उडोवपा ?

जेरी : हय मांय, ती खोंपटी काडपाचीच.

मागदू : नागो बाये. खोंपटेक हात लावप ना. अगो, हें घर सारकें करता म्हटल्यार भाटकारान कितले त्रास दिले ते नकळो तूं ? कुमाचाक "फोस" घाल्ता म्हणमर भाटकारान आमका शिको काडूंक लायल्यो ताचो तुका अगडाग ना ? आगो, अेक फावट आमी खोंपटी काडली जाल्यार तो भाटकार आमकां परतून घालूंक दितलो ? नाका-नाका, ती खोंपटी थंयच आसूंदी.

लिंदा : [illegible] ती खोंपटी आमकां जाय पुण कित्याक ?

जेरी : हय गे, आगच्या कामच्या घराची मोबीताय पिड्डयार जाता मगे ?

मागदू : जेरी, तूं कांयच नकळो. तूं वगीच राव. आरे आमच्या बऱ्या नशीबान आमचें घर अेके वेळेर आसा. वेळेर इंचभर जमनीक पर्नास हजार रुपयांचो वालोर आसा. आनीक थोडयाच काळान हिच खोंपटी आमकां खूप फायद्याक पडटली. तुमी मरेगान रावात. ही खोंपटी हांव काडीना म्हणचे काडीना. (दाराची कांपीण वाजता). लिंदा भायर कोण आयला पळय.

लिंदा . वरें मांय. (भायर वेता).

मागदू : जेरी, बरें करून आयक. तुमी फक्त तुमच्या शिकपाचें पळेयात. अुरलेलें सगळें हांव पळेतां. समजलय ?

जेरी : वरें मांय. (लिंदा मोठे अुमेदीन धांवत येता)

लिंदा : मांय, मांय, पायची चीट आयल्या.

जेरी पायची चीट आयल्या ? (धांवत लिंदाफुडयान वेता).

मागदू : जांव सायबा, हे फावट पुण चीट वेगीं आयली. वाचून सांगात पळोवया पायन कसलो सेरमांव बरयला तो ?

जेरी : दि गो ती चीट. (लिंदाच्या हातांतली चीट घेवन) माय, चीट वाचतां ती आयक हां ? (चीट अुघडटा आनी वाचता).

लिंदा : (रागान) तूंच वाचूंक जाणाय मिस्ता ?

जेरी : आगो तुंयय जाणाय गो. फाटले फावटी तुवें वाचूंक नासली ?

मागदू : तुमच्यो हुज्जती बंद करात पळयतां जेरी, तुं चीट सडसडीत वाच पळेतां. हांव जर दोन घोंटां शिकलेली जाल्यार...

जेरी : तें पळय. (चीट वाचता) म्हज्या मोगाच्या मागद्रीना तशेंच तू आनी भुरगीं बरीं आसात म्हण. हांव हांगासर बरो आसा. तुजी चीट वाचून हांव अेकदम खोशी जालों. जेरी आनी लिंदा परिक्षा पास जालीं म्हण कळनांच हांव अर्तीक खोशी जालों.

लिंदा : हांव जाणाव आसलीं पाय खोशी जातलोच म्हण

जेरी : तें आनीक सांगूंक जाय ? आगो पास खोशी जातना जाल्यार कोण जातलो ?

मागद्रू : आरे तूं ती वाचताय वा...

जेरी : वाचतां मांय (वाचता). जेरीक सांग की तो परिक्षा पास जाल्या देखून, हांव ताका आनीक थोड्यान दिसांनी स्कूटर घेतलो म्हण.

मागद्रू : कितें म्हटलेंय ?

जेरी : (खोशी जावन) मांय, पापान बरयलां ता म्हाका थोड्यान दिसांनी स्कूटर घेतां म्हण. हुर्रे... हुर्रे... हांव जाणाच आसलों पाय म्हाका स्कूटर घेतलोच म्हण.

लिंदा : तें बरें आसा रे. फुडें वाच पळवया ?

जेरी : आगो लिंदा, जाणाय मगो स्कूटर म्हणचें कितें तें ?

लिंदा : आरे जाणा रे. स्कूटर घेवन नाचता. (ताच्या हातांतली चीट घेवन आपूण वाचता). जेरीक सांग की तो परिक्षा पास जालो म्हण हांव ताका थोड्या दिसांनी अेक स्कूटर घेतलो म्हण.

मागद्रू : आगो कितले फावट तेंच वाचताय गो ?

लिंदा : फुडें वाचतां मांय. (वाचता) आनी लिंदाक सांग की ताच्या जल्मदिसाक हांव ताका भांगाराचो अेक नेकलेस हाडटा म्हण

जेरी : तुकाय नेकलेस हाडटा खंय ?

लिंदा : गामेल मरे ? आरे जेरी जाणाय मरे भांगाराच्या नेकलेसाक कितले दुडू पडटात ते ?

मागद्दू : (रागान) बंद करात तुमचीं शापोतां. हांव वाचूंक-बरोवंक जाणा आसली जाल्यार आयज हें भागूंक पावचीं नासलीं.

जेरी : आगो मायक राग आयलो. दी पळेनां ती चीट. (चीट घेता) मांय हांव चीट रोकडीच वाचतां हां. (चीट वाचता) म्हजो इष्ट वाल्की काल्च गोयां सावन आयला आनी तो म्हाका मेळ्ळोलं..

मागद्दू : तो बांदावेलो जाकी रे.

जेरी : (चीट वाचता). तो म्हाका सांगतालो की आमचें घर सारकें करुन अेकदम बरें दिसता म्हण. हांव खोशी तुवें घर नेटयलेंय म्हण.

मागद्दू : ताका थंय खोशी जावंक कितें तर? घर सारकें करपाक उठावशी काडच्या त्या हांवें. बरें आसा. फुडें वाच.

जेरी : (वाचता). भुरग्यांक कितेंच अुणें करीनाकाय आनी तुज्याय जीवाक कितें जाय पळे तें कर.

लिंदा : आंयकलांय मगे मांय, पायन कितें बरयलां तें?

मागद्दू : आयकलां. सगळें आयकलां. जेरी तूं फुडें वाच.

जेरी : (वाचता). लिंदाच्या जल्मदिसाक हांव गोयां येवंक येवजितां.

लिंदा : पापा म्हज्या जल्मदिसाक येता खंय. आनीक कितें बरयलां रे जेरी?

जेरी : (वाचता). येवाद म्हजो तुका, लिंदाक, जेरीक आनी शेजाऱ्यांक तुजो मोगाळ पती फ्रांसिस.

मागद्दू : जाणात मगो, तुमच्या पायक ना रीत. हाडली पड खाल्ली पड, असली गत तुमच्या पायची.

लिंदा : मांय, तूं अशें कित्याक म्हणताय?

जेरी : मांय तूं पायक बेस्टेंच कित्याचें-कितें म्हणो नाकाय हां?

मागद्दू : तुमी वेस्टीं चली स्कूटर आनी भांगाराचो नेकलेस हांचे भानगडींत पडोनाकात. दुडू झाडाक पिकतात रे? चलात कॉलेजीक

वचात सडमडीत.

लिंदा : पुण मांय......

मागदू : पुण आनी वाण काय ना. हांव सांगतां तें तुमी आयकूंक पडटलें.

जेरी : पुण मांय, पता नासतां [illegible] दिता आस्पार नवें...

मागदू : (रागान) तुमी म्हज्या उतरा वयर चलूंक सोदतात? (लिंदा आनी जेरी आपलीं पुस्तकां घेवन कालेजींत वचपाक वैतात. मागदू तांकां निडकीन पळेता. काळोख जाता. सर्गान वाजता. पर्शून उजवाड जाता. मागदू आनी टुरीजम आसतात).

मागदू : आरे, तूं कितें म्हणटाय तें म्हाका मातूय समजना. तुजें नांव कितें म्हणलेंय?

टुरीजम : म्हजें सारकें नांव तुरीजम सेरगुल्यांव, पुण सगळे म्हाका टुरीजम म्हटल्यार वळखता.

मागदू : टुरीजम म्हणल्यार वळखता? हें आनी कसलें नांव रे बाबा?

टुरीजम : जाणाय सगो, हांव वयर थंय टुरीजमा वयर 'अड्वर्टायज' करतां. टुरीजमाच्या वेगवेगळ्या सरकारांच्यो ज्यो नवलायो आसात, त्यो लोकांक हांव उकलावन सांगता. आनी तुमच्या असल्या लोकांक तुमच्या घरांनी टुरीस्ट हाडपाक आदार दिता. हांव दीस-रात टुरीजमा वयर उलयता म्हण, लोकांनी आतां म्हाकाच टुरीजम म्हण नांव दिलां.

मागदू : म्हणटच तूं आतां आमगेर कित्याक आयलाय?

टुरीजम : पळे, तुजें घर सारकें ठीक आसा. तुज्या घरांत रावतां आस्पाक वेळ दिसता. आख्खो दर्यो दिसता. भायल्या देशांतले टुरीस्ट असल्या घरांनी रावपाक आशेतात. शेंकड्यांनी आनी हजारांनी पर्यांत दुडू फारीक करूंक ते फाटीं सरोनात.

मागदू : कितें म्हणलेंय? हजारांनी दुडू...?

टुरीजम : आगो, इतलेंच न्हय. टुरीस्टांक लागान जर तूं तुजें घर दुरूस्त करतलो जाल्यार, सरकार तुमकां ५० हजार रुपयांचें [illegible]

दिला. तुर गोरवन घेतां. आनी इतल्यानूच सोंपोंक ना...

मागडू : आनीकूय आसा ?

टुरीज्म : आसा तर ! तेलेफोन जाय, तेलेफोन दिता.

मागडू : हां ! तें "हॅलो–हॅलो" करता तें ?

टुरीज्म : उदक जाय. गोकडेंच दुसरे दिसा घमघरांनी उदक दिता.

मागडू : आनी म्हजे मांय...

टुरीज्म : घरांत लायट ना ? फटांयच करुन लायट दिता.

मागडू : खरेंच रे टुरीजम ?

टुरीज्म : ऐकलेंय आसून, जेन्ना पळे तुमी टुरीस्टांक घरांत दवरतात, तेन्ना ते टुरीस्ट घरांत रावपाक दिसाक शेंबर वा दोनशें रुपया भाडें दितांत.

मागडू : किते म्हणलेंय ? शेंबर–दोनशे रुपया दिसाक भाडें ? आरे टुरीजम, मान्सां हांगा यो. बस आनी फुडलें कितें आसा तें सांग पळोवया ? (तीं बसतात).

टुरीज्म : आगो, इतल्यानूच सोंपोंक ना. पळे, घरांत रावना त्या टुरीस्टांक जेवण दिशी जाल्यार आनीकूय फायदो मुगो. फायदोच फायदो. दुडूच दुडू. आगो मागडू, हें म्हांव अेकदां सोडशी जाल्यार, आनीक केन्नाच मेळचें ना.

मागडू : हय गो. हांव तर घरांत वेस्टी आसां, म्हज्यान टुरीस्टांक घरांत दवरून, तूं सांगताय ते परीं हजारांनी दुडू करू येता.

टुरीज्म : हजारांनींच न्हय, लाखानीं...

मागडू : तशें जाल्यार धोंवाची जोड त्या अर्दान, आनी म्हजी जोड ह्या अर्दान. अेकदम बरें जालें. टुरीजम, तशें जाल्यार पळय रे कोण टुरीस्ट आसा जाल्यार. हांव अेक रुम तांकां भाड्याक दिता पुण अेक, दिसाक देडशें रुपया पुण भाडें येवपाकूच जाय.

टुरीज्म : देडशेंच पुरा ? कांयच पर्वा ना. देडशें तुजे, वयले म्हजे. ओ के. ? हांव आतांच वचोन टुरुस्टांक घेवन येतां. (वेता).

मागदू : जांव सायबा, टुरीजम जेन आज-फाटलो रुमो आमगेर आयलो दिसाक देडशें रुपया म्हणल्यार म्हयन्याक तीन हजार आनी देड हजार, सगळे मेळोन साडेच्यार हजार रुपया. साडेच्यार हजार रुपया अेका रुमाक ! (थोडी जावन) म्हणचे हांव दोन रुम भाड्याक दिल्यार म्हयन्याक णव हजार रुपया... णव हजार... तीन रुम भाड्याक दिल्यार म्हयन्याक साडेतेरा हजार रुपया... म्हणचे उप्रांत सगळे दुडूच दुडू, दुडूच दुडू... (दाराची कांपीण वाजता). टुरीजम आयलो दिसता. येयात भितर येयात. (टुरीजम आनी दोन हिप्पी, अेक चेडू आनी अेक चेडो भितर सरतात).

टुरीजम : कम इन... कम इन... (दोगांय टुरीस्टां विहल आनी जिने घर बारीकसाणेन पळेतात).

विहल : नाइस् हाउज, इटस् सुपर्ब.

जिने : आय लायक इट, बिवटीफुल प्लेस्. आय लायक इट.

मागदू : आरे टुरीजम, तीं कितें म्हटात रे ?

टुरीजम : आगो तुजें घर तांकां मानलें अशें दिसता. बिवटीफुल, बिवटीफुल म्हणटात तें आयकोंक ना तुवें ?

मागदू : आरे टुरीजम, बिवटीफुल म्हणटात तें घर मानलें ?

विहल : मिस्टर टुरीजम वॉटस् द रेट ?

टुरीजम : हँ... ?

जिने : रेट... मनी... हॉव मच् ?

टुरीजम : हां... समजलों. आता मागदू तीं विचारतात भाडें कितलें काय म्हण.

मागदू : आरे हांव सांगलां मरे तुका. दिसाक देडशें रुपया.

टुरीजम : हॅलो, हॅलो... शी सेईंग वनफिफ्टी रुपीस ट हंड्रेड पर डे. पर रुम.

जिने : नो प्रॉब्लेम; नो प्रॉब्लेम वॉटअबाउटर हुज फुड मस्ट हियर ?

टुरीज्म : व्हॉट ? व्हॉट ? व्हॉट ? व्हॉट ?

जिन : इज फुड सर्व्ह हियर ?

व्हिल : इटिंग फुड, इज इट सर्व्ह हियर ?

टुरीज्म : अन्डर स्टूड. आगो मागदू, तीं विचारतात हांगा जेवण दितात काय म्हण.

मागदू : आगे टुरीजम, जेवणाचे दुडू मेपारात मुरे ? जाल्लें, हांव दितां तांका जेवण रांदून.

व्हिल : टुरीज्म, व्हॉट इज शी से ?

टुरीज्म : शी सेईंग, फुड सरविंग, रेट व्हेरी चीप, फुड व्हेरी गुड. लेस मनी, गुड सर्विस.

जिन : व्हेरी गुड, इटस् एक्सलेंट. कॅन व्ही सी द रुम ?

टुरीज्म : व्हॉट सेईंग यू ?

व्हिल : व्ही व्हॉन्ट टू सी द रुम.

टुरीज्म : ओ. के., ओ. के. आगो मागदू, तीं रुम दाखय म्हणटात.

मागदू : रुम दाखय म्हणटात ? टुरीजम, हांव अशें करतां, जेरीच्या रुमान हांकां दवरतां. जेरीक लिंदाच्या रुमांत रावांदी आनी हांव आनी लिंदा अेका रुमात रावतात. तुका कशें दिसता ?

टुरीज्म : आगो तूं किनेंय कर, पुण ताकां मात्सो रुम दाखय पळोवया ?

मागदू : हॅलो, हॅलो. येयात तुमकां रुम दाखयतां.

जिन : हेय टुरीज्म, व्हॉट इज शी सेईंग ?

टुरीज्म : शी सेईंग शो रुम. यू गो रुम (तीं रुमांत वेतात). आगो मागदू, आतां मुगो सगळे दुडूच दुडू. उप्रांत म्हाका विसरशी.

मागदू : आगे टुरीजम, तें सगळें बरें आसा रे. पुण तीं फक्त इंग्लेज अुलयतात मरे ? हांव ताचेकडें कसल्ी म्हण भास अुलंव ?

टुरीज्म : आगो, तूं त्या पासत भियेनाका. तूं मुगो फक्त "येस्",

“नो”, “व्हॉट”, “नॉट” हाचेर मुख्य. तूं आपलीच इंग्लीश कुरतीद जातलें. (व्हिल आनी जिन भायर येतात).

व्हिल : मॅडम् व्ही लाइक द रूम व्हेरी मच्. इटम् व्हेरी गुड.

मागद् : येस्, येस्, येस्...

जिन : मॅडम्, टेक थीस टु थाउझन्ड रुपीस फॉर टेन डेयस्. ओ. के. ?

मागद् : आरे टूरीजम...

टुरीजम : मागो, तुका तीं दोन हजार रुपया दितात. धा दिसांचें भाडें खंय. घे तूं, वेळ करीनाका. (मागद् जिनकडल्यान पैसे घेता). मागद्, ह्या दुडवांनी दिसा फाटल्यान म्हजे पन्नास रुपया आसात म्हण जाणाय तूं ?

मागद् : आरे तें कोंत मागीर करचें. हॅलो, हॅलो, त्या रुमांत म्हज्या पुताच्यो वस्तू आसात त्यो भायर काडटां. ओ. के. ? (मागद् रुमांत वेता).

व्हिल : हेय टुरीजम, व्हॉट इज शी सेईंग ?

टुरीजम : शी वांट रूम टु टेकींग आवट थिंगस् ऑफ सन, हर सन लिव्हींग हेर नो ? थिंगस् ऑफ सन शी टेक आवट, यू सी डन. (मागद् आपल्या पुताचें सामान घेवन भायर येता).

मागद् : हॅलो, हॅलो,. नाऊ यू चल भितर इन रूम.

जिन : व्हॉट, मॅडम् व्हॉट डू यू से ?

टुरीजम : शी सेईंग, यू गो रूम. (तीं रुमांत वचपाक करतात. तेन्नान जेरी आनी लिंडा भितर सरतात आनी तांका पळेवन अजाप आनी रागार जातात).

जेरी : मांय ही मना आनी आमगेर खंयची आयल्यात गे ?

टुरीजम : आरे, आरे, तूं कितें म्हणटाय रे पापया ?

जेरी : हांव विचारतां ही मनां आमगेर खयची आयल्यांत काय म्हण.

जिन : टुरीजम, व्हॉट इज ही सेईंग ?

टुरीजम : ही सेईंग, यू लुक लायक अंजल्स्. ही आस्कींग यू व्हेर

फ्रोम करींग.

जिन : ओ दॅटस् द क्वॅस्चन. व्ही आर कम फ्रोम जर्मनी.

टुरीज्म : आरे, तीं जर्मनी म्हणटात पळे थंयसून आयल्यांत म्हंय.

लिंदा : (रागान) मांय ही दळींरी पीडा आमगेर कित्याक आयल्या गे ?

मागद् : लिंदा, तूं अंगी राव पळेतां.

लिंदा : पुण मांय, ही पीडा आमगेर कित्याक आयल्या गे ?

व्हिल : हेय, लिटल् गर्ल, व्हॉट हॅपन ?

टुरीज्म : मिस्टर व्हिल, शी सेईंग वेल्कम टू यू. वेल्कम टू यू.

व्हिल : यू आर नाइस् पिपल, रिअली नाइस् पिपल.

जिन : कम्-ओन डार्लींग, लेटस् ॲन्जोय अवर स्टेय. (तीं एकमेकाक वेंगेंत धरतात आनी कीस घेतात. मागद्, लिंदा, जेरी आनी टूरीजम तांकांच पळेत उरता. काळोख जाता).

दुसरो भाग

(आदलोच देखावो. मागदू हातान ट्रेय घेवन भायर येता आनी लिदाक उलो करता).

मागदू : लिदा हो लिदा...

लिदा : कितें मांय ?

मागदू : लिदा, ही कॉफी आनी ह्यो दोन आमलेटी व्हरून त्या टुरिस्टांक मानसें दी. हांव दुसरो वावर करतां.

लिदा : बरें मांय (लिदा ती ट्रेय घेता आनी टुरिस्टांच्या रुमांत वेता. मागदू भितर वेता. लिदा घाबरून धांवत भायर येता). मांय, हो मांय... (मागदू भायर येता).

मागदू : आगो लिदा, कितें जालां ? अशें घाबरल्याशें ? (तें अंगांत रावता). आगो कितें जालां गो ?

लिदा : मांय, हांव त्या टुरीस्टांच्या रुमांत वचोंना.

मागदू : वचोंना ? कित्याक ?

लिदा : ना मांय. हांव त्या टुरिस्टांच्या रुमांत वचोंना म्हणजे वचोंना. घे ही ट्रेय. (जेरी भायर येता).

जेरी : आगे मांय कित्याक व्हडलो बोवाळ गे ? कितें जालां ?

मागदू : आरे जेरी, हांवें ह्या चेडवाक सांगलें त्या टुरिस्टांक हो नास्तो व्हरून तांच्या रुमांत दी म्हूण. हें कितें काय म्हणल्यार त्यांच्या रुमांत गेलां आनी रोकडेंच मारके आकांतान जावन धांवत भायर आयलां.

जेरी : आगो लिदा जालां पुण कितें ?

लिदा : आरे बाबा. हांव तांच्या रुमांत आनीक वचोंना.

मागद्रू : हांव ताच्या रुमांत वचोना ? पुण कित्याक ?

लिंदा : सांगले म्हय हांवें ? हांव वचोना म्हणजे वचोना.

जेरी : आगे मांय, ते वचोना म्हणटा, ताका वचों. दी ती ट्रेय म्हजेकडे. हांव तो नास्तो तांकां व्हरोन दितां.

मागद्रू : जांव रे बाबा. चल वच आनी तांकां नास्तो दी. आनी अेक कर. तांकां विचार दनपरां जेवण कितें जाय काय म्हण (जेरी ट्रेय घेता).

जेरी : बरें मांय, तूं त्या पागन वयर-वाल्या जायनाका. हांव तांचें सगळें पळेतां (तो ट्रेय घेवन टुरिस्टांच्या रुमांत वेता).

लिंदा : मांय तूं आतां गम्मत पळे.

मागद्रू : कसली गम्मत गो ?

लिंदा : म्हजे भशेन जेरी धांवत-धांवत भायर येतोलो. मात्शी राव.

मागद्रू : जेरी धांवत-धांवत भायर येतोलो ? (संगीत वाजता. मागद्रू आनी लिंदा जेरी धांवत येतोलो म्हण रावता, पुण जेरी येना). आगो लिंदा तूं कितें सांगताले गो जेरी धांवत भायर येतोलो म्हण ? आगो चल भितर आनी तुजें काम कर. हांव म्हजें काम करतां.

लिंदा : मांय, जाणाय तूं, हांव कित्याक धांवत भायर आयल्लीं तीं ?

मागद्रू : हांव कशें जाणा जातलीं तर ?

लिंदा : आगे मांय, तीं दोगांय टुरिस्टां थंय विगळीं आसात मगे. शी, कसली म्हण हळशीक तुवे आमच्या घरांत हाडली गे मांय ?

मागद्रू : कितें म्हणल्यय ? तीं दोगांय विगळीं आसात ? आनी आमचो जेरी रुमांत केन्ना गेल्लो तो आजुनूय भायर येवंक ना ? आगे म्हजे मांय ! (मागद्रू दाराकडें वेता) जेरी, ओ जेरी, मात्सो भायर यो रे. (जाप ना). जेरी, हो जेरी, कितलो वेळ रे तुका ? रोकडो भायर यो.

जेरी : (दारांतल्यान नकलीं भायर काडून) मांय वच तूं तुजें काम कर. हांव मात्सो रावोन येतां.

मागदू : आगे तुका कॉलेजीक वचोंक जाय मगे ? लडनडीन भायर यो.

जेरी : आगे मांय, तूं कित्याक म्हण म्हाका वेजार करताय गे ? हांव आयज कॉलेजीक वचोंना. तं मागीर वच पळेतां.

मागदू : (रागान) कॉलेजीक वचोंना ? जेरी तूं भायर येतास वा ना ?

जेरी : (दारांतल्यान नकलीं भायर काडून) हांव भायर येना म्हणचे येना. (नकलीं भितर काडून दार बंद करून).

मागदू : अच्चा ! (लिंडकीन भितर वेता आनी जेरीच्या कानाक धरून ओडीत – ओडीत भायर हाडटा). आगे तूं इतलो वेळ त्या रुमांत कितें करतालो ?

जेरी : कांय ना... कांय ना मांय...

मागदू : कांय ना ? आगे तुका कितले अंके मारले आनी तूं...

जेरी : ना मांय. हांव चं...

लिंदा : मांय, म्हाका जाल्यार दिसता कीं हें आमकां केन्नाच पडल्लें. मांय, त्या टुरिस्टाचे दुडू परत दी आनी आयजच तांकां आमच्या घरांतलीं भायर काड.

जेरी : आगो तुका कितें पिशें लागलां ? मांय, तं लिंडाक आयकोनाका हां ? आमूंदी तांकां आमच्या घरांत.

मागदू : बरें आसा. तें सगळें हांव पळेतां. तुमकां आनीक तांच्या रुमांत वचपाचें ना. समजल्यात ?

दोगांय : बरें मांय.

मागदू : आतां वचात, तुमी कॉलेजीक वचात, आनीक वेळ करुं-नाकात.

लिंदा : बरें मांय, आमी वेतात. चल रे जेरी आमी या. (वेताना जेरी टुरीस्टांच्या रुमाच्या दाराशीं वेता).

मागदू : जेरी...

[illegible] : ला, ला, ला, ला, ला... (कांनार कशें किर्ते म्हणत भायर वेता. लिदाय भायर वेता. मागदू चितूक पडटा).

मागदू : कांयच समजना किर्ते करचें पळे तें... (भितरल्यान एक व्हड हांशाचो खळखळ जाता. मागदू घाबरता. भितरल्यान कोणाचो आवाज आयकूंक येता).

पयलो आ. : मागदू, आतां किते चितनाय? त्या टुरिस्टांक घरांत दवरून तुवें निगतीच काडी पेटयल्या. तो अजो आतां व्हड जातलो आनी तुका, तुज्या भुरग्यांक आनी तुजे फामिलीक लागून अडयतलो.

दुसरो आ. : मागदू, भियेनाका. काळजाक धीर घे. दुडू आसल्यार केदोय अजो पाळोंव येता. टुरीस्टांक घरांत दवर आनी दुडू जोड, दुडू...

पयलो आ : मागदू, आयजूच पळे किते जालें तें. तुजो एकल्यान पुत दिसकावलेलो आसा. तुवें जायते दुडू कमायले आनी भुरग्यांचो फुडार पिडेर जालो जाल्यार कसलो फायदो? त्या खातीर त्या टुरीस्टांक आयजूच भायर काड.

दुसरो आ. : मागदू, तू फटोवनाकें. टुरीस्टांचे आयज दुडू मेळटा ते पाल्यां मेळचे नात. एकाल रुपयांक कित्याक, दुसऱ्याय रुपयांनी टुरीस्टांक दवर आनी हजारांनी, लाखांनी दुडू जोड. दुडवांनी हो संवसार जोडू येता, तू जोडून दाखय. आयज समाजाक जाय दुडू, फक्त दुडू...

मागदू : हय, हांव तशेंच करतलों. हय, हांव तशेंच करतलों. हांव म्हज्या भुरग्यांक तांच्या फुडयांत धाडचीना, पुण टुरीस्टांक घरांत दवरून जायते दुडू जोडटलों. (दाराची कांपीण वाजता).
– कोण रे? (लोरसू, जाका एण्टी–टुरीजम म्हण पाचारतात, तो भितर सरता). कोण लोरसू? यो, यो भितर यो. आरे लोरसू कसो आसाय रे तूं?

एण्टी टु. : आगा मागदू, आतां मगो म्हाका कोणूच लोरसू म्हणून हटकीना.

मागदू : लोग्गू म्हणून हटकीना ? कित्याक ?

एण्टी टु. : आगो आता म्हाका सगळो लोक एन्टी-टुरीजम म्हण हटकीतात.

मागदू : एन्टी-टुरीजम ? हें आनीक कितें म्हणटाय रे लोग्गू तू ?

एन्टी टु. : आगो मागदू, तुवें तें टुरीजम, टुरीजम म्हण आयकलां मगो ?

मागदू : हय रे आयकलां. ताका कितें जालां तर ?

एण्टी टु. : आगो, हांव त्या टुरीजमाचेर सारको कांत्र. हांव त्या टुरीस्टांचेरुय कांत्र. हांव कित्याक ? त्या टुरीजमाक लागून आमचे भुरगे पिडेर जातात. आमचें बरे कुटूब वायट दशेर पावतात. आमचें सुंदर गांव त्या टुरीजमाक लागून बिगडटा. हांव दिस-रात टुरीजमा आड झुजता म्हणून आतां म्हाकाच लोक एन्टी टुरीजम म्हण पाचारतात. (दारार्ची कांपाण वाजता).

मागदू : कोण रे बाबा ? यो, भितर यो. (टुरीजम भितर सरता. एन्टी टुरीजमाक पळेवन तोंड वांकडे करता). आरे एण्टी टुरीजम, तू ह्या (टुरीजमाक बोट दाखयत) टुरीजमाक केन्ना पुण मेळ्ळाय ?

एण्टी टु. : थूत् ताचे जातीक ! (टुरीजमाक फाट करता).

टुरीजम : थूत् म्हजे जातीक ? वळखता ? थूत् तुजे जातीक !

मागदू : आग लागों हांकां हे झगडींक लागले...

एण्टी टु. : आगो मागदू, हो सगो टुरीजमाचो केमटो गांवचे पाट घालूंक भोंवता.

टुरीजम : आगो मागदू, हो सगो ? हो भामटो. गांवचें सुधारण आडावंक सोदता.

एण्टी टु. : आरे केमट्या, ते टुरीस्ट गांवात येतात तेन्ना ड्रग्स घेवन येतात मरे ?

टुरीजम : फट. मारकी फट.

एण्टी टु. : हाडटाना ? गांवात टुरीस्ट ड्रग्स हाडटात ?

टुरीजम : आरे ते कस्टम ऑफिसर आसात मरे ? तांकां ते ड्रग्स दिसाना

तर? ते कस्टमवाले ड्रगस् कशें सोडटात काय म्हणटां.

एण्टी टु. : अरे सगळे चोर. कस्टमवाल्यांच्या हाताक चिरीमिरी काबल्या पुरो, मागीर चरस्, गांजा सगळें भितर.

टुरीज्म : आतां तू मारकें अकलय. म्हणटच हो गुन्याव त्या टुरीस्टांचो न्हय. हो गुन्याव कस्टमवाल्यांचो.

एण्टी टु. : बरें, बरें, तें सोड. टुरीस्ट ड्रगस् हाडटात आनी ते ड्रगस् आमच्या तरनाटयांक दिवन तांची फुडार पिडेर करतात मरे?

मागदू : हय रे बाबा, आमच्या भुरग्यांचो फुडार पिडेर जाता न्हय?

टुरीज्म : हिवूय असतल फट. कितेंय जाल्यार टुरीस्टांचेर घालप. आरे अेक सांग, तुमच्या कुजनांत चुल आसा मरे?

एण्टी टु. : हय तर. चुल नास्ताना घर आसा?

मागदू : आरे टुरीज्म, कुजनांतले चुलीक आनी टुरीस्टांक किते संबंद आसा रे?

टुरीज्म : उतल्यान जायक ना. तुमच्या घरांत चुल आसा तांतून अजो आसा मरे?

मागदू : आरे अजो नास्ताना चुल आसा? हें रे बाबा कितें?

टुरीज्म : तशें जाल्यार, तुमचीं ल्हान ल्हान भुरगीं त्या चुलींतल्या अज्यान कित्याक हुलपना?

मागदू : आरे टुरीज्म, हें रे तू कितें उलयता? आवय-बापूय आमच्या भुरग्यांक अज्या फुडच्यान वचपाचीं आडायता न्हय रे?

एण्टी टु. : आगो मागदू, सांग गो त्या गद्याक.

टुरीज्म : आडायता मरे? आपल्या भुरग्यांक अज्या फुडच्यान वचपाचीं आडायता मरे? तशें जाल्यार आपल्या भुरग्यांक त्या टुरीस्टां फुडच्यान वचपाचीं कित्याक आडायना काय म्हणटां.

मागदू : आरे एण्टी टुरीज्म, हय मरे. टुरीज्म सांगता तेंवूय खरें मरे.

टुरीज्म : खरें मुगो? म्हणटच भुरगीं टुरीस्टां बरोबर वचोन पिडेर जाता जाल्यार, तो गुन्याव टुरीस्टांचो न्हय.

एण्टी टु. : टुरीस्टांचो न्हय ? कोणाचो तर ?

टुरीज्म : आवय-बापायचो.

एण्टी टु. : पुरो, पुरो; बंद कर तुजीं शापोतां. आवय-बापायचो गुन्याव खय. अेक सांग, ते तुजे टुरीस्ट आमच्या प्रायांचेर येतात, मारकी विगळी भोंवतात. आमच्या भुरग्यांक वायट देख दितात. आता सांग, हो गुन्याव कोणाचो ?

मागदू : हय रे बाबा. एण्टी टुरीज्म सांगता तें खरें आगा.

टुरीज्म : हो तुजो प्रश्न मात मारको म्हत्वाचो. भोंवोंदी रे तांका विगळीच. आरे आमच्या मरकाराकूच जाय ती विगळीच भोंवल्लेली.

मागदू : कित्ें ? सरकाराका जाय तीं विगळी भोंवल्लेलीं ?

टुरीज्म : ना जाल्यार, पंजाबांतले, केरळांतले, गुजरातांतले आदी टुरीस्ट पळे गोंयां येतात, ते कशे येतले ?

मागदू : म्हळ्ळे, हे पंजाबांतले केरळांतले टुरीस्ट गोंया येतात, ते ह्या टुरीस्टांक ळागांत येतात ? आमच्या सोबीत गोयांक ळागान येतात ?

एण्टी टु. : आगो, हे आमचे सिगटाकार ह्या येरोपांतल्या आल्मयांक पळोंक जाय म्हण येतात. (कापीण वाजता).

मागदू : कोण थंय ? या, भितर या. (पुत्तुस्वामी भितर येता. पुत्तुस्वामी मद्रासी, तो लुंगी नेसल्लोला आनी बगलेंत घातल्लोलो आसता).

पुत्तू : गुडू मोरणींगू. नमस्कारम्.

टुरीज्म : गुड मोर्नींग. कम् इन, कम् इन.

पुत्तू : हमे एक रूम चाहिए. सम् बाडी टोल्ड् मी गुड् रूम हियर.

टुरीज्म : (खाशेन) आगो मागदू, ताका रूम जाय खय

मागदू : रूम जाय खंय ? दिवया. हांव तो दुसरो रूम खाली करतां.

एण्टी टु. : (अज्याप जावन) आगो मागदू, तू टुरीस्टाक घरांत दवरताय ?

मागदू : आगो तू मास्सो ओगी राव. हांव तुका सगळें मार्गार सांगतां.

टुरीज्म : (पुत्तूस्वामी फुडयान वचून) हे देखो, तुमारा नाम क्या है ?

पुत्तू : हमारा नाम पुत्तूस्वामी.

टुरीज्म : पुत्तूस्वामी ? अच्छा नाम. ओक गांग न, खंय गावन आयलाय ?

पुत्तू : क्या कहा तुमने ?

टुरीज्म : हे, देखो. तुम कहांसे आया ?

पुत्तू : समज गया, समज गया. हम मद्रास से आया.

मागदू : आरे टुरीज्म, तो कितें म्हणटा ?

टुरीज्म : आगो. ताचें नाव पुत्तूस्वामी खंय, मद्रासाक सावन आयला. आगो बरो दुडवांकारनो दिसता. ताका अेक रुम जाय. लाय कातोर.

मागदू : (पुत्तूस्वामीक) हॅलो, हॅलो, रुमाचें भाडें दोनशें रुपया दिसाक.

पुत्तू : क्या कहा रे तुमने ?

टुरीज्म : अेक रुम को अेक दिन को दो सो रुपया.

पुत्तू : अय्यो-यो... दो सो रुपया ? टू मच, टू मच.

टुरीज्म : आगो मागदू, हो भिगटांकार. दुडू मोडपाक चामटो. तो गेल्यार बरो.

मागदू : हय, आमगेर रुम ना. तुम जाव. गो, यू गो.

पुत्तू : नहीं, नहीं. हे देखो, हम दो सो रुपया देंगे, कोही बात नहीं. हमको रुम तो चाहिये. हे लो पुरे दो सो रुपया. (मागदू दोनशें रुपया मेजून घेता).

एण्टी टु. : आगो मागदू, ह्या घरांत चल्लां पुण कितें ?

पुत्तू : हे मिस्टर, क्या कहा तुमने ?

एण्टी टु. : तुजें मडें.

पुत्तू : मडें ? (टुरीज्मा फुडयान वचून) हे मिस्टर, मडें-का मतलब क्या है ?

टुरीजम : (हिराक पडटा) मडे, मडें. मडें... हां, देखो, मडें-वा माजिक तुम आदमी बहुत अच्छा है.

पुत्तू : शुक्रीया, शुक्रीया. हमारा रुम किदर है ?

मागद्रू : अेक मिनीट थाब. रुम साफ करता है. (मागद्रू दुसऱ्या रुमांत भितर वेता).

पुत्तू : (टुरीजमा फुडयान वचून) हे मिस्टर, यहां सबकुछ मिलता है रे ?

टुरीजम : यस्, यस्. यहां सबकुछ मिलता है. जेवण मिलता है, दारु मिलता है, सबकुछ मिलता है.

पुत्तू : (फाटल्यान फुडल्यान पळेवन ल्हवान विचारता) हे देखो, यहां हो बी मिलता है रे ?
वो बी मिलता है ? अरे वो बी क्या है ?

पुत्तू : (आपल्या नाकाक बोट लावन) यहां अच्छा-अच्छा वो बी मिलता है रे ?

टुरीजम : (आपल्या नाकाक बोट लावन) हे नाक है...

पुत्तू : तुम आदमी बुद्दू है (एण्टी टुरीजमा फुडयान वचून) हे मिस्टर हे देखो, यहां सबकुछ मिलता है ? मतलब लडकीयां मिलता है ?

एण्टी टु. : बहुत लडकीयां मिलता है.

पुत्तू : कॉलेज गर्ल्स् मिलता है ?

एण्टी टु. : कॉलेज गर्ल्स ? बहुत मिलता है. मदर, बिवटीफुल मिलता है

पुत्तू : (मनगतीन) तुम आज रातको अरेंजमेंट करेगा ?

एण्टी टु. : क्य नहीं ? जरुर अरेंजमेंट करेगा. (दुसऱ्या अदीन पळेवन) हाचें खळें करुन सोडटां.

पुत्तू : क्या कहा रे तुमने ?

एण्टी टु. : अरेंजमेंट जरुर करेगा. जरुर करेगा. मगर कुछ पैसा लगेगा.

पुत्तू : हे देखो. पैसोंका तो प्रोब्लेम नहीं है. कितना पैसा चाहिये

तो दुंगा. मगर लडकी अच्छी होना चाहिये, ब्युटीफुल, सोला–सतरा बरसकी... समज गया ना ?

समज गया. (मागदू भायर येता).

मागदू : हे मिस्टर, हे तुमारा रुम है. (रुम दाखयता).

पुत्तू : हमारा रुम ? जाता हूं. (आपली सूटकेस घेवन रुमांत वचूक करता. दाराकडे पावून, पर्तून धांवून एण्टी टुरीजमा फुडयान येता) हे मिस्टर, आज रात को अरेंजमेंट करना, भुलना नहीं... (काळोख जाता).

तिसरो भाग

(आदलोच देखावो. संगीत वाजता. जेरी लिपचोरयां दाराचे सालांतल्यान टुरिस्टांच्या रुमांत कितें चल्लां तें पळेता आनी सगळोच सुस्कट्टा. भायल्यांतल्यान पुत्तुस्वामी येता आनी जेरीक पळेवन अजाप जाता. आपुणय तशेंच लिपचोरयां पळेवंक प्रयत्न करता. आपल्याक दिसना म्हण, भायर वचून एक बांकीन हाडटा आनी ताचेर उबो रावून आपुणय पळेता आनी सुस्कट्टा. लिंदा भायर येता. जेरीक आनी पुत्तुस्वामीक पळेवन आपुणय रुमांत पळेवंक प्रयत्न करता. आपल्याक सायब दिसना म्हण, खार्गीची कदेल ओडटा आनी ताचेर उबें रावन पळेता. मागद भायर येता. सगळ्यांक अशीं पळेवन थटाकता).

मागदू : अगो लिंदा, हांगा कितें चल्लां ?

लिंदा : (ओंठार बोट दवरून) श... मांय. न आवाज नाय. (परतून रुमांत पळेता).

मागदू : अशें ! सायब आसांत गाय ? (मागदू आपुणय पळेवंक प्रयत्न करता, पुण दिसना). लिंदा, तूं कदेलीवेलें सकल देंव पळेनां.

लिंदा : हांव सकल देवों ? ना गे मांय...

मागदू : अशें ? (लिंदाक आदेन सकल देंवयता आनी आपुण कदेलीर उबी रावन रुमांत पळेता). शी, शी, शी, शी... (सकल देंवता) अरे, तुमी हांगा कित्याक रावल्यात रे ? जेरी, रे तुमी किते पळेतात रे ? (मागदू जेरीक कानाक धरून ओडटा. पुत्तुस्वामी घाबरून बांकीनावेल्यान सकल पडटा.

जेरी : (सगळोच घाबरून) मांय, तू हांगा ?

मागदू : हांगा कित्याक म्हण विचारतात ? रे किते पळेताय रे बाबा

तुमचें ? लज आसा रे तुका ?

जेरी : कांय ना मांय, पळेयता... कांय ना...

लिंदा : आरे जेरी तूं सगळो घाबरलाय मरे.

पुत्तू : क्या हुवा ? व्हॉय गेटींग अँगरी ?

मागदू : लिंदा, हो आनी कितें म्हण्टा गो ?

लिंदा : मांय, तो म्हण्टा तुका कितें जाला काय म्हण.

मागदू : सांग ताका, ताचें मडें जालां म्हण.

पुत्तू : मडें ? शुक्रिया, शुक्रिया. मडें का मतलब, मैं अच्छा आदमी हुं. गुडू मॅन. थँक् यू.

जेरी : मांय, तूं वेस्टीन आमचेर तापों नाका आं ? आरे पुत्तूस्वामी तुम चुप रावो. (विहल आनी जिन भायर येतात).

विहल : गुड मोर्नींग.

जिन : गुड मोर्नींग एवरीबोडी.

पुत्तू : गुडू मोरनींगू.

जिन : हेय जेरी, वन मिनीट प्लीज.

जेरी : (जिनकडे वचून) यस्, व्हॉट हॅपन ?

जिन : व्ही आर गोईंग टु द बीच. प्लीज कम् विथ अज.

जेरी : ओ. के., विथ प्लेजर. (मागदू जेरीक जिन फुडच्यांनला ओडून व्हरता).

मागदू : जेरी, तूं तांच्या फुडयान वचो नाका. आनां तुका तें कितें सांगतालें ?

जेरी : मांय, तें म्हणटा की ताच्या जीवाक बरें दिसांना. ताका दोतोरागेर वचांक जाय खंय. तें म्हाका सांगता की आपन्या बरोबर यो म्हण, दोतोराचें घर दाखोवंक.

लिंदा : मांय, तो तुका फ... (जेरी ताच्या तोंडाक घट धरता आनी ताका ओडून भितर व्हरता. मागदू तांकां पळेवकूच

पुसता. पुत्तुस्वामी जिन फुडल्यान येता आनी ताका वयर–सकल पळेता).

पुत्तू : बहुत अच्छा, बहुत सुंदर... तुम कहांसे आयाजी ? (जिन जबाब दिना, देखून व्हील फुडल्यान वचून) हे मिस्टर, तुम कहांसे आया ?

व्हिल : मडम्, व्ही कॅन नोट फॅलो ही व्हॉट इज ही सेईंग ?

पुत्तू : क्या तुम लोग कुछ नहीं समजता ?

जिन : (मागदू फुडल्यान येता आनी हात लावन विचारता) मडम्, व्हॉट इज ही सेईंग ?

मागदू : हाय मायवा. हें म्हजें नशीब. (कालीग बाजता). कोण (टुरीजम भितर येता) टुरीजम ? जांव मायवा, हो बऱ्या वेळार पावलो. यो रे बाबा मात्सो.

टुरीजम : आगो कितें जालां ?

मागदू : आरे टुरीजम, पळय रे मानशें, हीं किते म्हणटात तीं ?

टुरीजम : (जिन आनी व्हिलकडी वचून) हॅलो, हॅलो; व्हॉट हॅपन ? (पुत्तुस्वामीकडी वचून) पुत्तुस्वामी क्या हुवा रे ?

पुत्तू : हे देखो, हम इनको पूछा, तुम लोग कहांसे आया ? जबाब नहीं देता.

व्हिल : हॅय, मिस्टर टुरीजम, व्ही आर हियर, व्हॉट ही इज सेईंग ? शी इज नॉट रिप्लाय ॲट ऑल.

टुरीजम : समज गया अंडरस्टुड. हॅलो, ही आसकीग फ्रॉम व्हॅर आर यू ?

जिन : ओ दॅटस द क्वेश्चन ? टेल हीम दॅट व्ही आर कम फ्राम जर्मनी

टुरीजम : हे देखो, ये लोग जर्मनीसे आया है.

पुत्तू : जर्मनी ? मै जरूर एक दिन जर्मनी जाऊंगा. (व्हिल आनी जेरी गजाल करीत भायर येतात).

जेरी : समजलेंय मुगो ?

लिंदा : बरें. त्या खातीर तूं कांयच भियेनाका.

जिन : जेरी, यू आर कमींग नो ?

जेरी : शुअर...

मागदू : आगो लिंदा, जेरी आनी ते टुरिस्ट किते म्हणटात गो ?

लिंदा : मांय, ते टुरिस्ट म्हजे गाऊर्डीन बरें ना. त्या खातीर जेरीक आपल्या बरोबर आपयना दोतोराचें घर दाखय म्हण. मांय वचोंदी गे ताका ताच्या बरोबर.

मागदू : नाका. टुरीज्म, तू तांचे बरोबर वच आनी तांका दोतोराचें घर दाखय.

टुरीज्म : तें म्हजें कामूच. हांव तांकां आतांच दोतोरागेर व्हरतां. कमोन लेट अज् गो टु द डॉक्टर.

जिन : हेय टुरीज्म, व्ही डोंट वॉन्ट यू. व्ही शाल गो विद्थ जेरी.

टुरीज्म : आगो मागदू, तांकां तूं नाका खंय. तांकां जेरीच जाय खंय.

जेरी : हय मांय, ती म्हाकाच बरोबर या म्हणटात. हांव वेतां.

मागदू : आरे जेरी, तू तांचे बरोबर वेचोना म्हणचे वेचोना.

लिंदा : आगे मांय, वचोंदि गे ताका. तू बेस्टीच अचांबळ जायनाका. जेरी चल रे तूं वच.

जेरी : जिन, व्हिल कमोन लेटस् गो. (जेरी, जिन आनी व्हिल वेतात. मागदू तांकांच पळेवंक उरता).

मागदू : अब्बा ! जेरी म्हजें आयकोनास्ताना तांचे बरोबर गेलो ?

लिंदा : आगे मांय, वचोंदी गे ताका.

मागदू : (रागान) तू चूप राव. तू भितर वच आनी तुजे काम कर.

लिंदा : बरें मांय, (भितर वेता).

मागडू : जाले टुरीजम, तांव मागीर म्हजें रांदप करतां. आयज रातीक तांकां बरें जेवण जाय म्हण तांणीं ऑडर दिल्या रे.

टुरीजम : बरें गो मागडू, तू तुजें काम कर. (मागडू भितर वेता).

पुत्तू : हे मिस्टर, वो दूसरा आदमी किदर गया ? वापस नहीं आया. तुम उसको बोलायगा ?

टुरीजम : किसको बोलाना ? वो आदमीको या ओर किसीको ?

पुत्तू : मतलब ? तुम लडकीको ला सकता है ?

टुरीजम : ऑफ्-कोर्स ! क्याय नॉट ? मगर पैसा देना पडेगा.

पुत्तू : कितना पैसा चाहिये ? बोलो. पैसोंका तो प्रॉब्लेम नहीं है. मगर लडकी बिवटीफूल होना चाहिये. (मुरगटून) सोला–सतरा बरसकी चाहिये.

टुरीजम : हे देखो, लडकीका फी तीनसो रुपया. हमारा फी एकसो रुपया अलग.

पुत्तू : कोई बात नहीं. ये लो तुमारा एकसो रुपया. मगर काम जरुर होना चाहिये. आज रातको. समज गया ना ?

टुरीजम : समज गया. बिवटीफूल, सोला–सतरा बरसकी, आज रातको. समज गया.

पुत्तू : तुम तो बहुत अच्छा आदमी है. हमारा काम जरुर करना. भूलना नहीं... जाव. (टुरीजम वेता. काळोख जाता. संगीत वाजता. उजवाड जाता आनी पुत्तुस्वामी पासायो मारता).

पुत्तू : कहां गया ये लोग ? अभीतक नहीं आया. वो जरुर आयेगा. उसको भी जरुर लायेगा. आज तो मजा होगा. (कार्पाण वाजता). आया होगा. (आपले केस सारके करता). आईये... आईये... (एण्टी टुरीजम भितर सरता. पुत्तुस्वामी तोंड वांकडें करता).

एण्टी टु. : पुत्तुस्वामी, हमको माफ करो. तुमारा काम नहीं हुवा.

पुत्तू : नहीं हुवा ?

एण्टी टु. : मगर आज जरुर होगा. अभी इसी वक्त होगा.

पुत्तू : क्या, तुमको लडकी मिला? कॉलेज गर्ल मिला?

एण्टी टु.: जरुर. अभी आनेवाली है

पुत्तू : अभी आनेवाली है? (खोशी जावन) अभी आनेवाली है? मगर पैसा कितना पडेगा?

एण्टी टु.: ऐसा देखो: मुझे कमीशन नहीं चाहिये. हमारा सर्विस फ्रि है. मोफत सर्विस करता है. लडकीको देखो और पैसे लडकी के साथ देना. समज गया ना?

पुत्तू : एण्टी टुरीज्म, तुम तो मर्डे है.

एण्टी टु.: मर्डे है?

पुत्तू : हां, मर्डे का मतलब अच्छा आदमी! तुम मर्डे है.

एण्टी टु.: गुड लक्. हम तुमको वापस मिलेगा. अभी जाता है.

पुत्तू : शुक्रिया, शुक्रिया... (एण्टी टुरीज्म वेता. पुत्तूस्वामी आपले केस मारके करता. हारशान पळेवन आपलो झेन करता). अभी तो मजा होगा... मजा होगा... (कापीण वाजता). कौन है? कम इन... कम इन... (फ्रेडा भितर सरता. पुतूस्वामी ताका पळेवंकूच उरता).

फ्रेडा : हॅलो मिस्टर, हांगा कोण आसा?

पुत्तू : समज गया, समज गया. हम पुत्तूस्वामी.

फ्रेडा : हो, यू आर पुत्तूस्वामी?

पुत्तू : यस् माय डार्लींग, आय व्हाज वेटींग फार यू.

फ्रेडा : डार्लींग, वेटींग फोर मी?

पुत्तू : कोई बात नहीं. वो मेरा रूम है. कम इन... कम इन...

फ्रेडा : हे मिस्टर, यू आर ऑल रायट? हें घर मागद्दचें न्हय काय?

पुत्तू : मनी? मनी, नो प्रोब्लेम. यू सो बिवटीफूल. टेक धीस फाइव्ह हण्ड्रेड रुपीस. (फ्रेडाक पांचशें रुपया दिवंक वेता आनी ताच्या हाताक धरता. तें आपलो हात काडून घेता).

फ्रेडा : हें मडें आनी खंयचें काय म्हणटां ?

पुत्तू : मडें ! (मुरगटून) मैं अच्छा आदमी हूं ? मैं मडें, तुम मडें... माय डार्लींग ... (फ्रेडाक वेंगेंत धरूंक वेता, तेन्ना फ्रेडा ताच्या तोंडार नेटान थापट मारता. पुत्तूस्वामी घुंवोन–घुंवोन जमनीर पडटा. हांसत-हांसत एण्टी टुरीजम भितर सरता).

एण्टी टु. : अरे-रे. चुरचुरे तुजे. अरे पुत्तूस्वामी, तुमारा हाल्त क्या हुवा रे ?

पुत्तू : हे, तुमने क्या किया ? व्हाट इज धीस ? (आपलो पोलो पोशेता).

एण्टी टु. : अरे पगला, ये लडकी वो नहीं है. तुम किसीको पकडता है आनी मार खाता है ? कॉलेज गर्ल जाय ?

पुत्तू : क्या कहा रे तुमने ?

एण्टी टु. : अभी तुम अंदर चलो और थोडा आराम करो. (पुत्तूस्वामी भितर वेता आनी मागदू आनी लिंदा भायर येतात मागदू फ्रेडा फुडयान वेता).

मागदू : तं कोण गो ?

फ्रेडा : हांव फ्रेडा. हांव बोंम्बे गावन आयल्यां. म्हाका ऐक रूम जाय रावपाक. म्हाका कोणें पुण सांगलें की तूं रूम भाडयाक दिताय म्हण. ऐका चडया मनशाक ऐक फॅमिलीन पेइंग गेस्ट करों रावपाक अदीक बरें म्हण हांव तुमगेर आयलें. पुण भितर सरतानाच हो ना कोण देवचार म्हाका मेळ्ळा.

मागदू : तूं कांयच भियेनाका. हांव तुका रूम दितां, पुण भाडें दिसाक दोनशें रुपया.

लिंदा : पुण माय, आमचो ऐकूच रूम आमी तोवय भाडयाक दिताय ? आनी आमी खंय रावचीं तर ?

मागदू : आगो न मात्सें आगो राव पळेनां. आमी तेगांय वचान ते खोंपटेन रावचीं.

लिंदा : माय, हे तूं कितें म्हणटाय गे ? आमी खोंपटेन रावोंया ?

मागदू : लिंदा, तूं [illegible] भाव आनी हांव मागतां तों तर. (लिंदा तोंड काळें करता).

फ्रेडा : घे हे अेक हजार रुपया, हांव पांच दिस पुण रावतलींच. (मागदूक अेक हजार रुपया दिता. एण्टी टूरीजम पळेतूच रावता).

एण्टी टु. : आगो मागदू, अेकमणींच कित्याक म्हण तुका इतली दुडवांची जाग जाली ना? (जिन, व्हिल आनी जेरी येतात).

व्हिल : गुड इव्हनींग एव्वरी बोडी.

जिन : गुड इव्हनींग टु यू ऑल.

जेरी . मांय, हें कोण गे?

मागदू : बाबा, ताकाय अेक रूम जाय खंय. हांवें ताका दितां म्हण सांगलां.

जेरी : आनी आमी खंय रावपाचीं तर ?

लिंदा : आरे आमी आयच्यान खोंपटेंन रावपाचें खंय.

जेरी : अेकदम बरें जालें. ना प्रोब्लेम. म्हाका खंयचरुय अुपकारता.

एन्टी टु. : आगो मागदू, हें घर तुवें हजारांनी रुपया मोडून मारकें केल्लें तें कित्याक गो? तुमी खोंपटेंन रावचे खातीर ?

मागदू : आरे तुजें तोंड मातशें बंद कर सायबा. यो फ्रेंडावाय, हो तुजो रुम. (मागदू फ्रेडाक रुमाच्या दाराशीं व्हरता. व्हिल आनी जिन आपल्या रुमांत वचूंक करता. लिंदा आनी जेरी अेकामेकाच्या तोंडाक पळेतात. काळोख जाता).

चौथो भाग

(आदल्लोच देखावो. उजवाड फकत खोंपटेचेर पडटा. मागदू, लिंदा आनी जेरी खोंपटेंत बसून आसतात. मागदू तांदूळ वेंचता. लिंदा आनी जेरी मॅगझिनस् वाचतात).

मागदू : आरे जेरी, आतां तुजें तें वाचप मात्शें बंद कर रे. तीं टुरीस्टां नामत्याक रावतलीं मरे?

जेरी : हांव जाणा गे तें. पुण हांव हागा किते म्हूण करूं? हे खोंपटेंत सुवात आसा? रांदप हांगाच, जेवप हांगाच आनी न्हिदप हांगाच. तें आसू, मांय असें करात, तुमी नाम्तो तयार करात. आनी तो व्हरोन दिवपाचें काम म्हजेर पावलें.

लिंदा : न मरे. दुसरो टुरीस्ट जाल्लाय. तूंच नाम्तो व्हरोन ताकां कित्याक दितल्लय? म्हज्यान दिवंक जायना किते?

जेरी : तूंय नाम्तो व्हरोन दितल्लय?

मागदू : तुजी मात्शी अक्ल गावान पडेना. नाम्तो सगळ्यांनी व्हरोन दिवंक जाता तें हांव जाणा. पुण तुमी त्या जिन आनी बिल्लच्या रुमांत आनीक पावल दवरचीनात म्हणचे दवरचीनात.

जेरी : आगे मांय असें म्हणनाकाय गे. सदांच दिस सारके आसतात गे?

लिंदा : मांय, जेरी सांगता तें सारकें आसा. सदांच दिस नवेच उगतात, बदलतात. जाणाय मरे मांय, म्हाकाय आतां त्या जिन आनी बिल्ल, दोगायची सारकी संवय जाल्या.

मागदू : (अजाप जावन) किते म्हणटेय? तुकाय तांची संवय जाल्या? आगो, न ताका सारकें विटेनाल्लय मगो? तांका घरांत दवर-च्यान म्हूण म्हजेकडे झगडीं करतालय मगो? आनी आतां

तांची संवय जाल्या म्हणटाय ?

लिंदा : तशें म्हाका सुरवातेच्या दिसानी दिसतालें गे. पुण आतां ? चंट् !

जेरी : आयकलें मरे मांय ? आतां लिंदा सारकें सुधारलें. ती मनशा अेकदम बरी. तो पुत्तूस्वामी ताच्यापरस बरो. पुण तें फ्रेंडा मात मात्शें दुसरे भाशेन.

लिंदा : जाणाय मगे मांय, तें फ्रेंडा चड उलयना, पुण चड आयकता. आनी रातचें मगे तें कितें बरयता... बरयता...

मागदू : जांव सायबा, ह्या म्हजा भुरग्यांच्या मनांनी बदल जालो तितलोच पुरो. ना जाल्यार तांच्या पायचें सोंसपाचें आसलें ?

जेरी : मांय, तू पाय खातीर कांयच वयर-सकल जायनाका. आमकां टुरिस्टाक घरांत दवरुन बरें दिसला. कितें म्हणटाय गो लिंदा ?

लिंदा : हय तर !

मागदू : तुमकां जर टुरिस्टानें कांयच वायट दिसना, जाल्यार म्हाका कित्याक दिसतलें ? हें सगळें देवानूच केलां. (पुत्तूस्वामी आपल्या रुमांत सावन जेरीक व्हडल्यान उलो मारता).

पुत्तू : जेरी, हो जेरी ! कहां गया हो जेरी ?

मागदू : आरे जेरी, तो पुत्तूस्वामी तुका उलो करता मरे. चल वच आनी पळे. तो सकाळी फुडेंच कित्याक बोवाट मारता तो.

जेरी : बरें मांय (बसल्ल्या आसना तो उठून भितर वता. खोंप-टेबलो अजवाड वेता आनी आदल्याच देखाव्याचेर अजवाड येता. पुत्तूस्वामी जेरीक उलो करीत पासोयो मारता).

पुत्तू : क्या हुवा इस जेरीको ? गुड बॉय, बट नॉट इन टॉइम.

जेरी : (पुत्तूस्वामी फुडयान येवन) क्या हुवा जी ?

पुत्तू : हमारा ब्रेकफास्ट रेडी हो गया ?

जेरी : तुमारा ब्रेकफास्ट अंदर रेडी हो जाता है.

पुत्तू : बहुत अच्छा... बहुत अच्छा. जेरी यहां आवो. (जेरीक लेके कुशीक व्हरता आनी जेरीच्या कानाक तोंड लेंकोवन सांगता) काल तुमे हमारा वो छोटासा बेग उस आदमीको अंजुनामें दिया है ना ?

जेरी : दिया-दिया. तुजें तें बेग हांवें व्हरून सारकें त्याच मनशाक दिलें.

पुत्तू : क्या कहा रे तुमने ?

जेरी : वो तुमारा बेग है ना...

पुत्तू : अरे जेरी आस्ते-आस्ते बोलना. बोलो, उस बेगको क्या हुवा ?

जेरी : वो मैंने त्याच आदमीको दिया.

पुत्तू : व्हेरी गुड्. ये पांचसो रुपया तुमारे लिये. मज्जा करो.

जेरी : पांचशीं रुपया ? (पैंसे घेता).

पुत्तू : ये ना कुछ नहीं. तुम हमारा बेग ऐसो अंजनामें देना. हम तुमको अेक हजार, दो हजार रुपया देगा. समज गया ?

जेरी : अेक हजार, दो हजार...

पुत्तू : चलो, चलो. हमारा ब्रेकफास्ट लाव.

जेरी : अभी लाता हूं. (भितर वेता).

पुत्तू : थांक बाय द एरेंजमेंट. यहां हमारा काम आसानिसे हो जाता है. जेरी तो वंडरफुल है. हमारा सारा काम जेरी जरूर करेगा... (जेरी नास्तो घेवन येता आनी नास्तो मेजार दवरता. पुत्तुस्वामी बसता आनी नास्तो खावंक सुरु करता). जेरी आव, यहां बैठो. सिट् डावन हियर.

जेरी : क्या हुवा ? (ताचे कुशीक कदेलार बसता).

पुत्तू : अभी तुमने एक छोटासा काम करना पडेगा.

जेरी : कैसा काम ? बोलोना. फटाफट करता हूं.

पुत्तू : (सगळेवटेनी नदर मारता आनी ल्हवान सांगता) हे देखो

हे एक छोटासा पॉकीट है. हे पॉकीट तुमने अंजुनाभे जाकर वो सेम आदमीको देना है. हे काम तुम करेगा ?

जेरी : नो प्रोब्लेम. व्हेरी सिंपल वर्क. गिव्ह मी द पॉकीट... (पुत्तूस्वामी ताच्या तोंडार हात दवरता).

पुत्तू : आरे जेरी, जोरसे नहीं बोलना.

जेरी : (ल्हान अल्यना) समज गया... समज गया... (सरभोंवतणी पळेता). वो पॉकीट देना. मै अभी जाता हूं. (पुत्तूस्वामी लिपचोरयां नें पॉकीट जेरीच्या बोल्सांत घाल्ता).

पुत्तू : हे देखो, हे काम सांभाल्के करना. सांभालके जाना और जल्दी वापस आना. मै तुमको एक हजार रुपया दुंगा. वन थाउझन्ड रुपीस.

जेरी : थंक् यु, व्हेरी मच्. थंक् यु, व्हेरी मच्. (खोशी जावन) वन थाउझन्ड रुपीस ! (फ्रेडा भायर येता). पुत्तुस्वामी ताका पळेवन आपलें तोंड दुसऱ्या अर्दान करता).

फ्रेडा : गुड मोर्नींग जेरी.

जेरी : गुड मोर्नींग.

फ्रेडा : जेरी, म्हाका अेक आमलेट, अेक पांव आनी अेक कॉफी हाड पळेतां.

जेरी : ओ. के. मडम्. (भितर वेता. पुत्तूस्वामी फ्रेडाक लिपचोरयां पळेता, तेन्ना दोगांयची नदर अेक जाता आनी पुत्तुस्वामी घाबरता).

फ्रेडा : गुड मोर्नींग मिस्टर पुत्तूस्वामी.

पुत्तू : (घाबरुन) हँ ?

फ्रेडा : गुड मोर्नींग.

पुत्तू : (भितरल्या ताळयान) गुड मोर्नींग. थंक् यू. मै अंदर जाके मेरा ब्रेकफास्ट करना हू. (उठून आनी आपली बशी आनी चावेचें कोप घेवन भितर वचूक करता. फ्रेडा ताका घट

भरता आनी वसूंक लायता. पुत्तूस्वामी घाबरता). ये तुम क्या करना है ? (जेरी फ्रेडाक नास्तो घेवन येता आनी मेजार दवरता).

जेरी : मडम्, ही मुजी कॉफी आनी आमलेट.

फ्रेडा : थँक् यू.

जेरी : पुत्तूस्वामीजी, मैं अंजुना जाके जल्दी आता हूं.

पुत्तू : सांभालके. जेरी सांभालके जाना. (जेरी वेता).

फ्रेडा : मिस्टर पुत्तूस्वामी. इज जेरी गोन टु अंजुना ?

पुत्तू : येस्.

फ्रेडा : वट व्हॉय ?

पुत्तू : देखो, वहा मेरा एक दोस्त है. उसको मिलने के लिये. (फ्रेडा नास्तो खातानां पुत्तूस्वामीक नेंहन वेता तितलो पुत्तूस्वामी पैस वेता).

फ्रेडा : पुत्तूस्वामीजी, व्हेर आर यू कम फ्रोम ?

पुत्तू : (घाबरुन) मद्रास.

फ्रेडा : व्हाय हॅव यू कम टु गोवा ?

पुत्तू : गोवा देखनेके लिये. गोवा बहुत सुंदर है, इसलिये.

फ्रेडा : गोवामे तुमने क्या क्या देखा ?

पुत्तू : बहुत देखा. अंजुना देखा, कळंगुट देखा, वागातोर देखा, कालवा देखा, आगोंद देखा, सबकुछ देखा.

फ्रेडा : तुमने सबकुछ देखा नहीं. सिर्फ बिचीस देखा. तुमने चर्चीस नहीं देखा. टेंपलस् नहीं देखा...

पुत्तू : वो क्या होना है की हमको बिचीस बहुत अच्छा लगता है. (टुरीजम भितर सरता).

टुरीज्म : गुड मोर्नींग एवरी बोडी.

पुत्तू : टुरीजमजी, आवो, आवो. बैठो, यहां बैठो (पुत्तूस्वामी टुरीजमाक

ओडून हाडटा आनी आपले आनी फ्रेडाचे मदीं बसयता). अच्छा हुवा, तुम इस वक्तपर आया. (टुरीज्म फ्रेडाक पळेवंक अुरता).

फ्रेडा : तुजें नाव कितें ?

टुरीज्म : टुरीज्म (फ्रेडा हांसता).

फ्रेडा : टुरीजम ? व्हेरी इण्टरस्टींग. आरे टुरीजम म्हण नांव आसता रे ?

टुरीज्म : आसोना. पुण आयक, म्हजें सारकें नांव कुरसीन मेरगुल्यांव, पुण म्हाका कोणच कुरसीन म्हणना, पुण टुरीजम म्हणटल्यार आख्खें गांव आनी त्या भायर जर्मनी, लंडन, ऑस्ट्रेलीया आनी जंय जंय टुरीस्ट आसतात तितलेंय गांव वळखतात.

फ्रेडा : पुण टुरीज्म कित्याक ?

टुरीज्म : (हांसता). हांव टुरीजमाच्या फायद्यावर आसां, बचत थंय हांव टुरीजमा वयर बरें अुलयतां. हांव सरकाराच्या टुरीज्म डिपार्टमेंटाचो इन्फर्मेशन कांउन्टर करतो. ह्याच खातीर म्हाका सगळो लोक टुरीज्म म्हण्टल्यार वळखता.

पुत्तू : हे देखो, हमारा टुरीज्मजी मडें है.

फ्रेडा : मडें ?

पुत्तू : मडें मतलब बहुत अच्छा आदमी है. सबको मदत करता है. (एण्टी टुरीज्म भितर सरता).

एण्टी टु. : गुड मोर्नींग एवरीबोडी.

टुरीज्म : ही पीडा आयली. शेंपडी कशी म्हज्या फाटल्यान आसाच वशाड पडलोली.

फ्रेडा : आरे टुरीजम, हो कोण ? (टुरीज्म ओगीच रावता).

एण्टी टु. : हांव एण्टी टुरीजम.

फ्रेडा : व्हांट ? एण्टी टुरीजम ? तूं एण्टी टुरीजम आनी हो टुरीज्म ? फॅन्टस्टीक. यो बस (एण्टी टुरीज्म बसता).

टुरीज्म : हो दळदीरी मडें पडप म्हणचे वशाड पडलें.

फ्रेडा : आनी तुका एण्टी टुरीजम कित्याक म्हणटात ?

एण्टी टु. : हांव त्या टुरीजमाचेर आड, त्या हिप्पींचेर आड, ह्या भिगटाकागांचेर आड. सरकाराची ही पळे पोलीशी आसा तिचेर तर हांव सारकोच आड. हांव वचन थंय टुरीजमाचेर आड अल्यतां म्हण आतां म्हाकाच सगळो लोक एण्टी टुरीजम म्हण पाचारतात.

टुरीजम : हो सांगता तें आयकोनाकात आं ? हो व्हडलो शिगाडी.

एण्टी टु. : आरे शिगाडी तुजो पाय. (ते दोगय अुबे जातात आनी अुतरांनी झगडटात).

फ्रेडा : आरे तुमी माज्ये झगडीं साकात ; बसात. (बसतात). अेक सांग, मिस्टर एण्टी टुरीजम, तूं टुरीजमाचेर आड कित्याक ?

एण्टी टु. : हे टुरीस्ट पळे गोंयां येतात, ते आमच्या भुरग्यांचें निशण्टण करतात. सगळें पोजडाण पळे गोयांत भितर सरता तें फक्त ह्या टुरीस्टांक लागोन. चरस, गांजा... (पुत्तुस्वामीक अुस्तुरसयां येता आनी सगळो घुस्मट्टा).

फ्रेडा : पुत्तूस्वामीजी, क्या हुवा ?

पुत्तू : कभी कभी ऐसा होता है.

टुरीजम : पुत्तूस्वामी, संभालके खाना.

पुत्तू : अच्छा संभालके खाता हूं.

फ्रेडा : एण्टी टुरीजम, तूं कितें म्हणटालय ?

एण्टी टु. : हांव म्हणटालों कीं हांव टुरीजमाचेर सारको आड म्हण, कित्याक ते चरस, गांजा आनी दुसरीं नश्टां गोयांत हाडून आमच्या सगळ्या भुरग्यांचो नाश करतात. ह्या खातीर हांव ह्या टुरीजमाचेर आड. (मागहू लिंदाक आनी जेरीक अल्ला करीत भायर येता).

फ्रेडा : आण्टी, कित्याक बोबाळ करतास गे ? लिंदा आनी जेरी आसतलीं हांगाच खंय तरी.

मागदू : ऐका कसल्या कामाक जाय जाल्यार हीं भुरगीं मेळोना. आपणाक जाय थंयच भोंवतात.

टुरीज्म : आगो, बेस्टेंच कित्याक आकांतार जाताय ? खंय गेल्यांत आमतलीं, येतलीं तीं.

एन्टी टु. : आगो मागदू, बेस्टीच बोंब मारुन फायदो ना. च्चायेन पळय लिंदा आनी जेरी खंय भोंवतात तीं. (फ्रेडा उठून मागदू फुडयान वेता).

फ्रेडा : आण्टी, कितलो तेंप जालो, तू टुरीस्टांक घरांत दवरताय ?

मागदू : थोडोच तेंप जालो. पुण कित्याक गो बाय ?

फ्रेडा : टुरीस्टांक घरांत दवरुन तुका बऱ्याक पडलां शें दिसना ?

मागदू : तें आनीक विचारुंक जाय गो बाय ? ऐकदम फायद्याक पडलां. म्हजो घांव पळय कुडटाक आग्या वर्साक जोडटा तें हांव हांगा ऐकाच म्हयन्यात जोडटां.

एन्टी टु. : आगो मागदू, तू हांगामर चुकताय. दुडूच जोडले म्हण जायना गो.

टुरीज्म : मर्दीच आपलें पैंपरें वाजयलें.

फ्रेडा : म्हणटत तू टुरीस्टांक घरांत दवरुन ऐकदम खोशी आसा तर ?

मागदू : ऐकदम खोशी आसां. म्हजीं भुरगीं पासून ऐकदम धादोशी जाल्यांत. पुण म्हणटा म्हणून हें लिंदा आनी जेरी गेलीं पुण खंय ? लिंदा, हे लिंदा... जेरी... (तांकां परत–परत अलो करता).

पुत्तू : हे देखो, जेरी अभी आयेगा.

मागदू : हो आनी कितें म्हणटा रे टुरीज्म ?

पुत्तू : आयेगा, अभी आयेगा. एक मिनीटमें आयेगा.

टुरीज्म : आगो, पुत्तूस्वामी सांगता की जेरी रोकडेंच येतलो म्हण. ऐका मिनीटान येतलो म्हणटा.

मागदू : तो जाणा तर जेरी खंय गेला तो ?

टुरिज्म : जाणा आमतलो, देखून सांगता

एस्ट टू. : फाले, मगो मागडू? तुका खबर ना. पुत्ता [illegible] जाणा तुजो पुत खंय गेला तो.

टुरिज्म : आरे पापया, तुजें मान्शे तें तोंड व्हावयनाका (जेरी [illegible] आनी खरशेत-खरशेत भायरसून येता).

मागडू : आरे जेरी, तू खंय आसलो? किते जालां ?

जेरी : कांयच जावंक ना... कांयच जावंक ना. (पुत्तूस्वामी धांवत जेरी फुडयान वेता आनी ताका ल्हवान विचारता).

पुत्तू : जेरी, सगकूच ठीक ना? (जेरी तकली हालोवन हय म्हण सांगता).

मागडू : आनी हे लिंदा खंय गेले तर? लिंदा, वो लिंदा... (लिंदा मान्जें घमेर कशें जावन जिन आनी व्हिल्लच्या कमानके भायर येता)

लिंदा : आगे मांय, तुजो बोवाळ कित्याक गे? (मागडू लिंदा फुडयान वेता आनी लिंदाक बारीक पळेता).

मागडू : लिंदा... लिंदा... आगो तुका किते जालां? (सगळी लिंदाक पळेत उरतात. काळोख जाता).

पांचवो भाग

(आदलोच देखावो विहल, जिन आनी लिंदा अेकमेकाच्या खांदार हात घालून भायर सावन येतात. लिंदा जिनापरी न्हेसललें आसता).

जिन : लिंदा, थँक यू व्हेरी मच् फोर यूवर कंपनी.

लिंदा : यू आर वेलकम.

विहल : यू आर गोइंग टु जॉइन अस इन द रुम नौ ?

लिंदा : डेफीनिटली. आय शाल बी इन युवर रुम विधीन फायव् मिनीट.

विहल : [illegible] (विहल लिंदाचें फाटीर हात मारता) वि लव पिपल लायक यू

जिन : सी यू इन द रुम. (विहल आनी जिन आपल्या रुमांत वचूंक करतात. तेन्नाच टुरीजम धांवत धांवत भायरसून येता).

टुरीजम : आगा लिंदा, त आमले पुण खंय ? तुजी मांय तुका सोदूंक भोंवता मगो.

लिंदा : ते आमचे मांयक आनीक काम ना, रोकडीच आख्या गांवाक भोंवपाक.

टुरीजम : पुण तूं गेल्लेंय पुण खंय ?

लिंदा : आरे हाव, जिन आनी विहल बरोबर भोंवोक गेल्लें मरे.

विहल : टुरीजम, व्हॉट हेपन ? व्हाय आर यू व्होर्री ?

टुरीजम : ना, ना, ना. नॉट व्होर्री. एव्हरीथींग फायन. (टुरीजम लिंदाच्या न्हेसपाक पळेवन, नाकात पळेन उरता).

लिंदा : आरे त किते म्हाकाच गो पळेताय ? किते जालां ?

टुरीजम : आगो तूं मारों तांयेच भायेन न्हेसोंक लागलें मगो ?

लिंदा : आरे न्हेसपाक कितें आसा ? मनांन आयलें न्हेसलीं.

व्हिल : टुरीजम, व्हॉटम् द मेटर ?

टुरीजम : नथींग, नथींग. नो मेटर. शी ड्रेसींग लायक यू. आय सरप्रायज.

व्हिल : ओ. के., लिंदा मी यू इन द रुम. (जिन आनी व्हिल आपल्या रुमांत वेतात).

टुरीजम : आगो लिंदा, करता-करतां तू तांयेच भसेन जालेय मगो ?

लिंदा : आरे तें नवें न्हय. नवें-नवें करुन पळोंक जाय न्हय ?

टुरीजम : हय, तेंवर जाल्यार तुजें मारकें (एण्टी टुरीजम भितर सरता).

एण्टी टु. : आगो लिंदा, तूं हांगा आसाय ?

लिंदा : हय, मागीर कितें जालें तर ?

एण्टी टु. : आगो, तुजी मांय तुका सोदीत-सोदीत बाजारान पावल्या मगो ?

टुरीजम : आरे ते सागद् येरटेंन आकांतान जाता. आल्या गावान मोदूंक भोंवोंक जाय पुण कित्याक ?

लिंदा : आरे ते आमचे मांयक ना काम, ना धंदो. तीं आमा बेकार. त्या खातीर हो सगळो नाका आमल्योलो गडबड. (एण्टी टुरीजम लिंदाच्या न्हेसणाक पळेवन तोंडान पळेंक करता) आरे तुका अवचित कितें जालें ?

एण्टी टु. : आगो लिंदा, विचारता म्हूण रागार जाय नाका हां ?

लिंदा : रागार ? कित्याक रे ? विचार कितें विचारपाचें आसा तें.

एण्टी टु. : आगो, तू हें असलें न्हेसप केन्नाच्यान करपाक लागले ?

लिंदा : आरे, तवय न्हेसपाचें अकळना ? आरे हो मॉडर्न संवसार रे ? आनी मॉडर्न भरणी मॉडर्न न्हेसप करीना जाल्यार [illegible] ? किंते रे लिंदा ते [illegible] (लिंदा नाक

चलून भितर वेता).

एण्टी टु. : मोडर्न मुरगीं, मोडर्न न्हेसप...

टुरीज्म : आरे गद्दचा, तें तुका समजपाचें ना. तं आदल्या शेंकड्यांतलो मनीस मरे ?

एण्टी टु. : हांव आदल्या शेंकड्यांतलो ? हांव आदल्या शेंकड्यांतलो ? आदल्या शेंकड्यांतलो तुजो पाय. आदल्या शेंकड्यातली तुजी मांय. आदल्या शेंकड्यांतलो तू, तुजो भाव, तुजी भयण... (पुत्तूस्वामी आनी जेरी गजाली करीत भितर सरतात).

पुत्तू : जेरी, यू आर अे क्लेव्हर बॉय. व्हेरी क्लेव्हर.

जेरी : थँक् यू पुत्तूस्वामीजी. तुमारा काम तो बहुत आसान है. पॉकेट लेना, अंजुनामे देना आनी वापस आना. धीस वर्क इज व्हेरी इजी.

टुरीज्म : आरे जेरी, तू आमलो पुण खंय ? तुका तुजी मांय मांदूक भोंवता मरे ?

जेरी : आरे सोदूंदी रे तिका. ती आनीक कितें बरें करतली ?

एण्टी टु. : आरे तूं हें कितें उलयता ? तुका रीन आसा रे ?

जेरी : आरे तूं मात्सो आंगी राव पळेतां.

पुत्तू : जेरी, क्या हुवा ? कुछ गडबड तो नहीं है ना ?

एण्टी टु.: पुत्तूस्वामीजी, कुछ हुवा नहीं, मगर गडबड जरुर होगा.

पुत्तू : गडबड जरुर होगा ? (पुत्तूस्वामी एण्टी टुरीज्माक कुशीन व्हरता आनी विचारता) क्या कहना है तूम ? क्या होगा ?

एण्टी टु. : कुछ नहीं होगा.

पुत्तू : मगर तुम कुछ गडबड का बात करता है.

एण्टी टु. : हां, गडबड ? गडबड जरुर होगा.

पुत्तू : जरुर होगा ? गडबड जरुर होगा ?

एण्टी टु. : हां, जरुर होगा.

पुत्तू : हो माय गोड !

जेरी : आरे, तूं ताका वेस्टीच फिल्याक भेंकडायता ? पुत्तूस्वामीजी तुम रेलेक्स करो. हम है तुमारे साथ, डरना नहीं. कुछ गडबड नहीं होगा.

टुरीजम : पुत्तूस्वामीजी देखो, डरो वंदरको डरना नहीं. . य डोंट व्होरी. (मागदू धांवत-धांवत भितर सरता आनी पुत्तूस्वामी आपल्या रुमांत वेता).

मागदू : आरे जेरी, तूं आमल्य पुण खंय ? हांव तुका सोदतां मरे ?

जेरी : आगे मांय, तूं गे वेस्टीच फिल्याक खरशेनाय ? हांव कितें आतां दुदाचो आसां गे ?

एण्टी टु. : आगो मागदू, तूं आनी कितें अच्यपना गो ? तो आता दूद पियेना गो ? आगो तो आतां होट-होट तें पियेता आमतल्लो (सोरो पियेता तशें सवंग करुन दाखयता). हय मरे जेरी ?

जेरी : आरे एण्टी टुरीजम, तूं माल्शें तुजें तोंड सांभाळ हां ?

टुरीजम : आरे एण्टी टुरीजम, तूं मरे दोवलो. गरज नास्ताना खंयच्याय कुंडल्यान पडटा.

मागदू : तें सगळें बरें आसा. पुण एक सांगात, आमचें लिंदा गेल्लां पुण खंय ?

टुरीजम : आगो मागदू, तुमचें लिंदा आतां हांगाच आमलें मगो ? आताच आमचेकडें अल्यताले, भितर गेल्लां आसतले

मागदू : लिंदा आताच हांगा आसले ? जांव सारवा.

एण्टी टु. : आगो मागदू, लिंदा हांगासर आसले खरें, पुण तें म्हाका मदांचे भामेन दिसांक ना.

मागदू मदांचे भामेन दिसांक ना ? कशें दिसल्लां तर ?

एण्टी टु. : आगो ताचें न्हेसप, ताचें वागप... आरे, आरे, आरे...

मागदू : कितें जाल्लां रे म्हज्या धुवेच्या न्हेसपाक आनी वागपाक ?

एण्टी टु. : आगो तें पळयपाक मार्कें येवरोपाचें आल्म कशें दिसता मगो.

मागदू : कितें ? येवरोपाचे आल्म ? लिंदा, वो लिंदा... (मागदू लिंदाक

जुळो करता. काळोख जाता. परत अुजवाड जावन तो टुरीस्टां-च्या रुमांत पडटा आनी थंय जिन, व्हिल आनी लिंदा चरस ओडटा तें दिसता).

जिन : लिंदा, टेक इट, इन्जॉय यूवरसेल्फ.

व्हिल : कमोन लिंदा...

लिंदा : व्हिल, आय व्हॉण्ट टु कम टु जर्मनी, टु यवर फ्लॅट.

जिन : यू आर वेलकम, मोस्ट वेलकम.

लिंदा : रिअली, यू व्हिल टेक मी टु जर्मनी ?

व्हिल : व्हाय नॉट ? यू कम. वुई शाल टेक यू देर, व्हुई शाल शो यू एवरीथींग इन जर्मनी. (व्हिल, जिन आनी लिंदा मात्शीं घूमेर जाल्लीं दिसता. काळोख जाता. परत अुजवाड जाता आनी आदलोच देवाचो दिसता, जंय मागदू, जेरी, टुरीज्म आनी एण्टी टुरीज्म आसता).

मागदू : आतां म्हजो नकली पिंडेर जायन आयली. हें लिंदा गेलें पुण खंय ?

जेरी : आगे मांय, तू बेस्टांच वगर खाल्ला जायनाका. येतलें तें.

मागदू : आगे जेरी तूं म्हजे बरोबर या. आगे टुरीज्म तूं मात्सो फोरमू तीवागेर वच आनी लिंदा थंय पावलां जाल्यार पळय.

टुरीज्म : फोरमू तीवागेर वचोन पळोंव ? आतांच वेतां (वेता आनी पुत्नूस्वामी आपल्या रुमांतलो भायर येता आनी सगळचांक पळेता).

मागदू : आगे एण्टी टुरीज्म, तूं मात्सो जॉकीगेर वच आनी लिंदा थंय आसा जाल्यार पळय.

एण्टी टु. : बरें गो मागदू, हांव जॉकीगेर वेतां आनी खबर घेवन येतां.

पुत्नू : एण्टी टुरीजमजी, यहां क्या हो रहा है ?

एण्टी टु. : पुत्नूस्वामीजी, मैंने कहाता ना, आज जरुर गडबड होगा ? मागदू, हांव रोकडोच वचोन येतां. (वेता).

पुत्तू : गडबड होगा ? गडबड होग ? ये गडबड क्या है ? मुझे मालूम नहीं.

मागदू : जेरी, तं यो म्हजे बरोबर. हें लिंदा खंय गेलां तें पुण पळोंवया. (मागदू जेरीक घेवन भायर वचूंक सोदता).

पुत्तू : जेरी, जेरी... तुम भी जाता है ?

जेरी : पुत्तूस्वामीजी आय शाल कम् बॅक् फास्ट. (मागदू आनी जेरी वेतात).

पुत्तू : (भियांतीन) क्या ? मै यहां अकेला ? और यहां गडबड होनेवाला है ? हे भगवान, मुजे सांभालो ! गॉड प्रोटेक्ट मी... (विहलच्या रुमांतल्यान लिंदा मारकें घुमेर जावन भायर येता आनी पुत्तूस्वामीक अलो मारता).

लिंदा : हेय, पुत्तूस्वामी ?

पुत्तू : कौन ? लिंदाजी ?

लिंदा : हां जी. (लिंदा आनी पुत्तूस्वामी अेकमेकाक पळेत रावतात). पुत्तूस्वामी यहां आव. (पुत्तूस्वामी अदीक घाबरता).

पुत्तू : क्या ? मुजे बुलाता हो ? (अदीक घाबरता).

लिंदा : (लाग मारून) पुत्तूस्वामीजी. कम् क्लोज टू मी (आपल्या हाताच्या बोटांनी पुत्तूस्वामीक सिनाल्लां करता) कम्, कम्; मेरा पुत्तूस्वामीजी कम् (पुत्तूस्वामी मात्सो-मात्सो लिंदाक लागीं येता).

पुत्तू : लिंदाजी, क्या है ?

लिंदा : म्हजो हात तुज्या हातान घट धर.

पुत्तू : क्या कहा तुमने ?

लिंदा : होल्ड माय हॅण्ड. (पुत्तूस्वामी घाबरता). होल्ड नो ? (पुत्तूस्वामी हात घट धरूंक मागना म्हणून लिंदा आपुण ताचो हात घट धरता) होल्ड माय हॅण्ड लायक धीस.

पुत्तू : (रडकुळ्या तोंडान) मगर हो सबकुछ गडबड नहीं होगा ?

लिंदा : गुड् गुवर अदर हॅण्ड लायक् धीस. (पुत्तुस्वामीचो दुसरो हात आपल्या भेंडाक धरूंक लायता. पुत्तुस्वामी भियांनीन कडकडटा) ॲन्ड नाव्ह लेट अज डान्स.

पुत्तू : क्या ?

लिंदा : अभी डान्स करना है. (पुत्तुस्वामीक घेवन डिस्को डान्स नाचूंक सुरू करता. पुत्तुस्वामी तो डान्स नाचूंक नकळा जावन वेस्टोच्च उडणा मारता आनी नाचपाचो बंद जाता).

पुत्तू लिंदाजी, मुजे हे डान्स करना नहीं आता.

लिंदा : हे डान्स करना नहीं आता ? क्या कहाता है तुम ?

पुत्तू : डान्स करना आता है. मगर हे डान्स नहीं आता.

लिंदा : पुत्तूस्वामीजी, व्हीच् डान्स डु यू नो ?

पुत्तू : भारत नाट्यम्.

लिंदा भारत नाट्यम् ?

पुत्तू : हां. धीन ताका धीन, धीन ताका धीन... (नाचून दाखयता)

लिंदा : व्हेरी गुड, व्हेरी गुड. पुत्तुस्वामीजी, तुम भारत नाट्यम् नाचो आनी हांव डिस्को नाचतां.

पुत्तू : भगवान, मुजको सांभालो !

लिंदा : कमोन लेट अज स्टार्ट वन, टू, थ्री... (दोगांय नाचूंक सुरू करता. पुत्तुस्वामी भारत नाट्यम् नाचता जाल्यार लिंदा त्याच कुशीसार डिस्को नाचता. टुरीजम आनी एण्टी टुरीजम भितर सरतात).

टुरीजम : आरे आमी हाका मगळ्याक सोदतात, आनी हें किते काय म्हणल्यार हांगा नाचता.

एण्टी टु. : हय मरे. आमी सोदपाक आनी हीं नाचपाक ? चल, आमीय नाचूंक सुरू करूंया (तिगूय नाचतात. एण्टी टुरीजम भारत

नाचताच नाचता आनी संगीत थिरता नाचता. जेरी आनी मागदू भितर सरता. ताका पळेवन जेरी खोशी जाता आनी आपुणय नाचूंक सोदता. पुण मागदू मोटे दोळे करुन ताका नाचपाची आडायता. पुण रावूंक जायना जावन जेरीय नाचूंक सुरु करता. मागदू अजाप जावन पळेवंकूच उरता. मागदू तोंड रागीश्ट करता).

मागदू : (रागान) जेरी ? ! (संगीत आनी सगळ्यांचें नाचप बंद जाता. काळोख जाता).

सवो भाग

(आदलोच देखावो. माचीयेर कोण आसना. मागदूचो घोव फ्रांसीस हातान दोन सूटकेशी घेवन, मागदूक अुलो करीत भायरसून येता.)

फ्रांसीस: मागदू... वो मागदू... (मागदू भायर येता).

मागदू : (अजाप जावन) कोण फ्रांसीस ? (नाचेशी धांवून वेता आनी अेक सूटकेस आपल्या हातान घेता). किते तुवें अेक टेलिग्राम पासून करुंक ना, आपूण गोंयां येता म्हण.

फ्रांसीस: आगा मागदू, हांवें चिंतल्लें तुमकां सरप्रायज दितलों म्हण.

मागदू : सरप्रायज नकलो वाटप्रायज. अेक टेलिग्राम केल्यार जातालो. आमी कारवरी तुका व्हरपाक स्पेशल टॅक्सी घेवन एयरपोर्टार येवपाचीं.

फ्रांसीस: आगा, हांवें तुमकां बरयल्लें मगा कीं हांव लिंदाच्या जल्म दिसाक घरा येतलों म्हण. आयज लिंदाचो बर्थडे, आनी बरयलेल्या प्रमाण हांव लिंदाच्या बर्थडेक पावलों.

मागदू : आरे हय मरे. आयज ऑगुस्ताची पंदरा तारीख. आयज लिंदाचो बर्थडे. म्हाका मातूय अुगडास ना.

फ्रांसीस: कितें ? तुका सामकें येना आयज बर्थडे म्हणून अुगडास ना ?

मागदू : म्हाका अेक ना ना ना. लिंदान पुण अुगडास करुंक नाका आसलो ?

फ्रांसीस: (अजाप जावन) लिंदाक आपल्या बर्थडेचो अुगडास ना ? पुण अेक सांग, आतां तीं गेल्यांत तरी खंय ?

मागदू : खंय पुण गेल्यांत आसतलीं. येतलीं तीं (फ्रांसीस चितुंक

[illegible] आनी मागदू नाचात पळेता) तुजें आनच्या . घरा वयर कांयच म्हणंक ना ?

फ्रांसीस: (सगळ्याक नदर भोंवडायता) हेर कितेंय जांव, घर मात तुवें अेकदम बरें केल्लांय.

मागदू : हुर्केच न्हय. तांवें आनीकय जायतें बरें केल्लां.

फ्रांसीस: जायतें बरें केल्लां ? कितें तर तें ?

मागदू : असो यो. (ताका कदेलीर बसयता आनी आपुणय ताचे कुशीक कदेलीर बसता). जाणाय फ्रांसीस, हांवें आमच्या घराचे तीनूय रुम भाड्याक दिल्यात.

फ्रांसीस: तीनूय रुम भाड्याक दिल्यात ?

मागदू : हय, तांतून टुरीस्टां रावतात.

फ्रांसीस: तीनूय रुमांनी टुरीस्टां रावतात आनी तुमी खंय रावतात तर ?

मागदू : तू जाणाय अेक रुम टुरीस्टांक दिल्यार कितले दुडू जोडू येतात ते ?

फ्रांसीस: नकळो. कितले दुडू जोडूं येतात तर ?

मागदू : आता. (आपल्या हाताचीं बोटां दाखयता) ह्या रुमाक दिसाक देडशें रुपया मेळटा. ह्या दुसऱ्या रुमाक दोनशें रुपया, आनी त्या तिसऱ्या रुमाक दिसाक दोनशें रुपया.

फ्रांसीस: इतले दुडू ?

मागदू : हय: अशें हांव दिसाक साडेपांचशें रुपया जोडटां. आनी इतलेंच न्हय.

फ्रांसीस: आनीक कितें आसा तर ?

मागदू : हांव ताका जेवणय दिता आनी जेवणाचेर तर आमकां सगळो फायदोच फायदो. (फ्रांसीस चिंतूंक पडटा).

फ्रांसीस : तूं जेवणूय दिताय ?

मागदू : बरें फ्रांसीस. तुका आनीक कुशेटाक बसपाक नाका. हांगाच

रावोन आमच्यान हजारांनी दुडू जोडूंक जाता मगे.

फ्रांसीस: मागदू, हें सत मानूंक म्हाका कठीण लागता.

मागदू : कठीण लागता ? आयक, फाटल्या तीन म्हयन्यांक हांव टुरिस्टांक घरांत दवरतां. जाणाय न ह्या तीनच म्हयन्यांनीं हावें कितले दुडू अेकठायल्या ते ?

फ्रांसीस: कितले ?

मागदू : सुमार पन्नास हजार रुपया.

फ्रांसीस: पन्नास हजार रुपया ? फक्त तीन म्हयन्यानी ?

मागदू : पुण कितें आसा फ्रांसीस, मात्से जीवाक त्रास सोंसचे पडटात. आमकां रावपाक फावो तो जागो मेळोना, न्हिदपाक आडखळ जाता... पुण हजारांनी रुपया मेळटात न्हय ?

फ्रांसीस: तें सगळें बरें आसा. हजारांनी रुपया मेळटात तेव्हय बरे आसात. पुण अेक सांग, तू आनी आमचीं भुरगीं खंय रावतात तर ?

मागदू : आमी सदांच ते खोंपटेन रावतात.

फ्रांसीस: (रागान) येदें घर आसान तुमी खोंपटेन रावतात ? मागदू, हें तूं कितें उलयताय ?

मागदू : आरे फ्रांसीस, तकली थंड कर. अशें सदांच उरचेंना. थोडेच दिस ते. अेक वर्स सोंपता म्हणमर आमचेकडें दोन-तीन लाख रुपया अेकठांय जातले. हांगा यो. (खोंपटी आसा तो जागो फ्रांसीसाक दाखयता). भाटकारागेर वचोंया, हो जागो घेंवया आनी ताचेर अेक व्हडलें बिल्डींग बांदूया. खोंपटेन रावपाचो प्रश्नूच सुटलो.

फ्रांसीस: मागदू, हांव नकळो तूं सांगताय तें कितलें खरें आनी कितली फट ती. तुका जर दिसता कि तुज्या चितना प्रमाण जातलेंशें तर बरें आसा. (फ्रेडा रुमांतलें भायर येता).

फ्रेडा : आण्टी, आनीक अेक गेस्ट आयला कितें ?

मागदू : आगो बाय, तो गेस्ट न्हय, तो म्हजो घोव फ्रांसीस मगो ?

फ्रेडा : तुजा घोव ?

मागदू : हय. तो कुवेटाक आसता. आतांच घरा पावला.

फ्रेडा : अँकल कसो आसाय ?

फ्रांसीस: हांव आसा बरो. मागदू, हें कोण ?

मागदू : ते फ्रेडा. ताणें हो रूम भाडयाक घेतला आनी तांतून तें रावता.

फ्रांसीस: (फ्रेडाशी वचून) आगो बाय, तूंवय दिसाक दोनशें रुपया फारीक करताय ?

फ्रेडा : हय अँकल, गरज म्हणटच करचे पडले ना ?

मागदू : तुमी अळयात हां ? हांव तुमका कॉफी घेवन येतां (भितर वेता).

फ्रांसीस: दिसाक दोनशें रुपया फारीक करून रावपाची तुका गरज पुण कसली ?

फ्रेडा : अँकल, हाव एक जॅर्नलिस्ट, म्हणचे पत्रकार. म्हज्या पत्राच्या एडीटरान म्हाका खास बांवे सावन गोयां धाडलां एक महत्वाची स्टडी करूंक सत किते, फट किते हें म्हज्या खास दोळयांनी पळोवन, ताचो रिपोर्ट आपल्या पत्रार छापचे खातीर ही स्टडी गरजेची म्हणटच दोनशें रुपया दिसाक भाडें फारीक केल्यार लुकसाण ना.

फ्रांसीस: फ्रेडा, तूं हांगा कसली स्टडी करताय तर ?

फ्रेडा पळे अँकल, ह्या गोयांत दिसान दिस टुरीजम वाडत वेता. हॉटेलां चडत वेतात, पूण हॉटेलांनी रावपाक टुरीस्टांक जागो मेळना. हॉटेलांनी जागो ना जातोच टुरीस्ट घरांनी रावतात. लोक टुरीस्टांक घरांनी दवरतात येवरापी टुरीस्ट जांव इंडीयन टुरीस्ट घरांनी आमच्या मदीं रावतात. ह्या टुरीस्टांचो परिणाम आमच्या ल्हान-व्हड भुरग्यांचेर जाता. हें असें

पडटा तें गोंयच्या फुडाराक बऱ्याक पडटलें ? वा वायटाक पडटलें ? हीच स्टडी करपाक म्हण हांव गोंयां आयल्यां.

फ्रांसीस : खरेंच, बरो वावर तुवें हातान घेतला. एक सांग, तुजे स्टडी प्रमाण ह्या विशया वयर तुका कितें मेळ्ळां ?

फ्रेडा : (आपल्या बेगांतलो रिपोर्ट भायर काडून) घे हो म्हजो रिपोर्ट आसा. तू तो वाच आनी तुका म्हजें मत कितें तें कळटलें. म्हाका कितें मेळ्ळां तेंय कळटलें. (रिपोर्ट फ्रांसीसाच्या हातान दिता. तो उक्तो करुन वाचता).

फ्रांसीस: म्होंवाळ विख ? फ्रेडा बाय, हें म्होंवाळ विख म्हणल्यार कितें ? म्हाका समजूंक ना.

फ्रेडा : अँकल, विख म्हणचे कितें तें जाणाय तूं.

फ्रांसीस: हय तर ! विखा सारकी नश्टी वस्त आनीक ना.

फ्रेडा : म्होंव म्हणचें कितें तें नकळो तूं ?

फ्रांसीस: जाणा तर ! म्होंवा परस आनीक गोड कांयच ना.

फ्रेडा : हो म्हजो "म्होंवाळ विख" रिपोर्ट इतलेंच दाखल करता की जें आयज कितें आमच्या गोंयांत टुरीजमाच्या नावान चलता तें आमच्या लोकाक म्होंव कशें दिसता. पुण तें म्होंव न्हय. खरेपणीं तें विख जावन आसा, विख. अँकल, तूं फुडें वाचून पळे. वाचतां--वाचतां तुका सगळें सारकें कळटलें.

फ्रांसीस : बरें बाय, (फुडें वाचता. संगीत वाजता. फ्रांसीस घामेता. मागदू कॉफी घेवन येता).

मागदू : घे, हांवें तुमकां बरी हुनहुन कॉफी आडल्या. (फ्रांसीसाचें मन वाचपाचेरुच आसल्ल्यान, तो मागदू कितें सांगता तें आयकना).

फ्रांसीस : फ्रेडा, हें तुवें कितें बरयलां ?

फ्रेडा : अँकल, हांवे खरें तेंच बरयलां. सत तेंच उजवाडाक हाडपाचो प्रयत्न केला.

फ्रांसीस: (मागदूक पळेवन) मागदू !

मागदू : हाडल्या. हांवें तुमकां गरम-गरम कॉफी हाडल्या.

फ्रांसीस: मागदू, तुजी कॉफी भायर मार. हांव हें कितें आयकतां ?

मागदू : हांव जाणा ना कितें आयकता तें ? आरे तूं वेस्टोच कित्याक अचांबळ जालाय ?

फ्रांसीस: मागदू, म्हजी भुरगीं खंय आसात ? खंय आसात म्हजीं भुरगीं ?

मागदू : आरे तुका जालां पुण कितें ?

फ्रांसीस: मागदू, म्हाका कांयच जावंक ना. पुण म्हज्या भुरग्यांक म्हाका पळोंक जाय. खंय आसा म्हजो पुत जेरी आनी धुव लिंदा ? (पुन्तुस्वामी भायर येता).

पुन्तू : क्या हुआ जी ? क्यूं गड़बड़ चल रहा है ?

फ्रांसीस: मागदू, हो आनीक कोण गो ?

मागदू : हो आनीक एक इंडीयन टुरिस्ट. तो आमगेर रावता. (वाट दाखोवन) ह्या रुमांत रावता.

फ्रांसीस: कितें ? होवूय आमगेर रावता ?

पुन्तू : डोंट गेट एक्साइटेड. रिलेक्स... रिलेक्स करो.

फ्रांसीस: (रागान) शट अप ! (पुन्तुस्वामी भितराच जाता).

मागदू : आरे तुका कितें जालें ? (लिंदा, जिन आनी विल्स हांसत नाचत आनी माडन-मोडन ड्रगस्च्या प्रभावान आसल्लीं लकल-लकल भितर सरतात) ही पळय आयली तुजी धुव लिंदा. लिंदा, हो पळय तुजो पाय आयला.

फ्रांसीस: (लिंदाच्या फुडयान वचून) लिंदा, म्हजे धुवे...

लिंदा : काण ? (डोळे पुसता) पाय ? हा-हा-हा! (हांसता) हॅल्लो डॅड, हॉव डू यू डू ?

फ्रांसीस: लिंदा. हांवें तुका वगावंक नासलें, हांव तुज्या जल्म दिसाक गायां येतलों म्हण ? आनी तुका एक नेकलेस हाडटलों

म्हण. हो पळय हांव तुज्या जल्मदिसाक पावलों. आनी हो पळय हांव तुका भांगाराचो नेकलेस हाडला. (खोल्यांतल्यान नेकलेस काडटा आनी मंगाल तो लिंदाच्या गळ्यांत घालता).
लिंदा म्हजे धुवे, जल्मदिसाची परबीं तुका.

लिंदा : आरे हय मरे! आयज म्हजो बर्थडे. आय कम्प्लीटली फर्गॉट अॅबोट इट.

जिन : व्हॉट डीड यू फर्गॉट.

लिंदा : इटस् माय बर्थडे टुडे, अन्ड आय फर्गॉट अबाउट इट.

व्हिल : व्हॉट? इटस् युवर बर्थडे टुडे? मेनी हॅपी रिटर्न्स ऑफ द डे (लिंदाक किस दिता).

जिन हॅपी बर्थडे लिंदा (लिंदाक वेंग मारता).

लिंदा : डॅड, थँक यू व्हेरी मच्. थँक यू व्हेरी मच्. हेय व्हिल कम् हियर. (व्हिल लिंदाशीं येता).

व्हिल : लिंदा, व्हॉट हेपन ?

लिंदा : टेक धीस नेकलेस. इटस् ऑफ गोल्ड. गो टु द गोल्डस्मिथ. सेल इट अन्ड ब्रिंग सम मोर ड्रग फॉर अज...

फ्रांसीस: लिंदा, हें तूं कितें करताय ?

लिंदा : डॅड, टेक इट इजी. व्हिल टेक धीस नेकलेस. (नेकलेस व्हिलाकडे दिता. जेरीच्या हाताक बेडी घालून पुलीस इन्सपेक्टर जेरीक घेवन भितर सरता)

पुन्तू : कोण, पुलीस इन्सपेक्टर? (वचन मेजापोंदा लिपता)

इन्सपे. : हो जेरी आयज आमकां सारको सांपडला.

फ्रांसीस: सांपडला ? जेरी पुलीसेक सांपडला ?

मागदू : जेरी, तुज्या हाताक बेडी ?

फ्रांसीस: पुता म्हज्या, हें हांव कितें पळयतां ?

इन्सपे. : हो तुमचो पुत, फाटल्ले कितल्लेच म्हयने, अजूना [illegible]

आनी गांजा सप्लाय करीत आसलो कसोच सांपडनासलो. आयज तो सारको चरस आनी गांजा वेवन वेताना सांपडलो. खंय आसा रे तो तुजो पुत्तूस्वामी ?

जेरी : तो ह्याच आमच्या घरांत रावता.

पुत्तू : (मेजापोंदा कडकडटा) मैं इस घर में नहीं हूं.

इन्सपे. : इस घरमे नहीं हूं ? (पुत्तूस्वामीक बोचको मारुन आडून हाडटा) तुमी आमच्या भुरग्यांक वायट रस्तो दाखयतात.

फ्रांसीस: आरे म्हज्या पुता, हे तुवें किते म्हण केल्य रे ? आरे हांवें तुका स्कुटर बुक केल्ली मरे.

जेरी : पाय, तुवें म्हाका स्कुटर बुक केल्ली ?

फ्रांसीस: मागदू, हें तुवें किते केल्य ? (मागदू रडटा. फ्रांसीसाच्या तोंडार राग दिसता). म्हाका म्हजो घरावो सांभाळूंक जाय (ब्रिजल आनी जीनच्या समान वेना आनी तांचें सामान भायर हाडून उडयता). आय से गेट आॅवट आॅफ माय हाॅउस. गेट आॅवट ! (सगळीं भिरांतीन धावूंक करता. मागदू टुरीजम टुरीजमाक घट धरून हाडटा. पुण टुरीजमान तोंड लिपयलेलें आसता).

एण्टी टू. : सायान; लोकाना सवान वचोनाकात. हो पळेयात. हो आसा तो टुरीजमाचो लिमटो आयज ताच्या तोंडाक मासें घातलेलें आसा ते उकतें करता (टुरीजमाच्या तोंडाक मासो घातलेलें आसता. मागदू रडटा; फ्रांसीस रागीश्ट आसता; इन्सपेक्टर जेरीक आनी पुत्तूस्वामीक चापके मारून आसता; जीन आनी ब्रिजल आपलें सामान घेवन वचूंक करतात; एण्टी टुरीजम टुरीजमाचें मासें काडून लिपयलेलें तोंड उकतें करून दाखयता. काळोख जाता)

शेवट

म्हौंवाळ विश्व

तियात्रांतलीं पात्रां

१. मागदू : सुमार ४० वर्सांची शिकप नासलेली बायल.

२. जेरी : १७/१८ वर्सांचो तरनाटो.

३. लिंदा : १५/१६ वर्सांचें तरनाटें.

४. टुरीजम : ३०/४० वर्सांचो, तांबडो इंग्लेज तारपी दादलो.

५. एष्टी टुरीजम : ३०/४० वर्सांचो चड अुल्वपी दादलो.

६. व्हिल : २०/२५ वर्सांचो येवरोपी हिप्पी.

७. जिन : १८/२० वर्सांची येवरोपी हिप्पीण.

८. पुत्तूस्वामी : ३०/३५ वर्सांचो मद्रासी दादलो.

९. फ्रेडा : २०/२२ वर्सांचें पत्रकार तरनाटें.

१०. इन्सपेक्टर : ३०/३५ वर्सांचो मडमडीत पुलीस अधिकारी.

११. फ्रांसिस : सुमार ४५ वर्सांचो समजुतदार दादलो.

म्हौंवाळ विश्व

तियात्राच्या पयल्याच प्रयोगांत भाग घेतलेले कलाकार

१.	मागदू	:	आयरीन कार्दोज.
२.	जेरी	:	अँन्टोनी कारवालो.
३.	लिंदा	:	जुजेफीन कार्दोज.
४.	टुरीज्म	:	जी. आय. कारवालो.
५.	एण्टी टुरीज्म	:	प्रकाश बांदोडकार.
६.	विहल	:	साविया रोड्रीक्स्.
७.	जिन	:	ग्लाडीस रोड्रीक्स्.
८.	पुत्तूस्वामी	:	श्रीधर मांद्रेकार.
९.	फ्रेडा	:	कारमीन बारबोजा.
१०.	इन्सपेक्टर	:	पिटर बारबोजा.
११.	फ्रांसिस	:	मनोहर ग्रेडकार.

माचये मांडावळ	:	तिमोती डायस.
संगीत	:	आग्नेलो डायस.
विजले मांडावळ	:	दिगंबर सिगबाळ.
दिग्दर्शन	:	तोमाझिन कारदोज.

म्हॊंवाळ विख

हो तियात्र पयलेच फावट, कला अकादमीच्या वर्सावळीच्या तियात्र अुत्सवांत आक्टोबर १९८९ वर्सा माचयेर हाडलो. ह्या तियात्राक कला अकादमीच्या तियात्र स्पर्धेत सकयलीं इनामां फावों जाल्यांत.

१. तियात्र दाखवपांत : पयलो इनाम.

२. दिग्दर्शन : पयलो इनाम.

३. तियात्र लेखन : पयलो इनाम.

४. संगीत : पयलो इनाम.

भुमिकेंत :

१. आयरीन कार्दोज (मागदू) : दुसरें इनाम.

२. जुजेफीन कार्दोज (लिंदा) : पयलें इनाम.

३. सावियो रोड्रीक्स् (व्हिल) : प्रमाणपत्र.

४. ग्लाडीस रोड्रीक्स् (जिन) : प्रमाणपत्र.

गावपांत :

१. व्हायलेट आल्मेदा : दुसरो इनाम.

२. जुजेफीन कार्दोज : प्रमाणपत्र.

कांतार

कांतार शिक्षणाचो अेक भाग जावन आसा. शिक्षणांतलें कांतार कशें आसता ताची जाणीव मेळपाक, हांगा अेक कांतार दिता :

लोकशाय

I

लोकशाय म्हणचें सरकार, लोकांनीं घडून हाडलोलो,
लोकांनीं लोकांच खातीर, सरकार तो आसता घडलोलो,
लोकांचो सरकार तर जावंक जाय आसलो, लोकाक जाय तसो वाडलोलो,
लोकशाय अशेचो अर्थ जावन आसा तसो, दिसोना रे सरकार चललोलो.

कोरस: प्रजेच्या ह्या मतांनी थाइच आमदार जाता,
ताच्या मदत्या कांय जाणांक मंत्री करून सोडटा,
लोकशाय सरकार हो असो घडोन येता.

II

येलेक्शांवा वेळार मतां मागोंक येता रे,
म्होंवाळ आनी रसाळ उतरांनी भाशणां जाता रे,
बरें खांशेन, बऱ्याचे आशेन, गरीब लोक मतां दिता रे,
येलेक्शांव जातोच, निवडून येतोच, मागीर कोण खबर घेता रे ?

कोरस : आमदार, मंत्री आपणां म्हय, जर ही प्रजा नासली,
म्हयन्याक अेक फावट पूण येवन खबर घेंवक जाय आसली,
सांगतात रे ही लोकशाय कसली ?

III

आमच्या काळार शाळा, लोकशाय म्हणचे कल्याण जाला,
कितल्यो वर्सां देखनाय, गरीबाक कितें बरें केलां ?
जायतेंच भासायना, अुप्रांत करयना, लोकशायेन अजेंच चलून गेलां,
रस्त्याचेर काटे, हय काटेच काटे, दिसाना रे फुलां.

कोरस: जो पर्यांत गरीब लोकाक मोकळेपण मेळों ना,
ल्हान-थाकले व्हडल्याच्या चोपडयांतले सुटंच ना,
लोकशायेक हे अर्थ आमचोना.



समाज सेवा

रापोज : जिकलों ? आयकात. आयकात म्हज्या व्हडा मोगाच्या गांव-भावांनो आनी गांव-भयणांनो. (लोक ताळयो मारतात). हांव तुमचो व्हड उपकारी. जिव्याक त्या दळद्र्या चोराक आनी नागवण्याक. त्या आदवोगाद फोर्नीगाक तुमी मतां दिलींना म्हण.

फांचू : (हळूच) हु ऽऽऽ अरे दुसऱ्याक गाळी मारिनाका. आतां तूं आमदार मरे ? आतां तुवें रगाळ आनी मोवाळ उतरांनी उलोवंक जाय.

रापोज : अरे ? बरें तर. लोका, लोका माल्शी मिस्टेक जाली...

फांचू : (आपल्या कपाळार हात मारून) अरे तांका लोका, लोका म्हण नाका. मोगाळ भावांनो, मोगाळ भयणांनो अशें म्हण रे पापया.

रापोज : तशेंच करतां. म्हज्या मोगाळ गांव-भावांनो आनी भयणांनो हांव तुमचो व्हड उपकारी. ह्या वेंचणुकेन हांव जिखलों आनी हांव कोण पळे तें दाखल केलें.

फांचू : (बेजार जावन) अरे पापया. हांव जिखलों म्हणों नाकाय रे. तुमी मतां दिवन म्हाका जिखयलो, अशें म्हण रे मायबा.

रापोज : चूक जाली. खरेंच चूक जाली. हांव म्हणूंक सोदतां की तुमी तुमचीं भांगराळिक मतां दिलीं म्हण हांव जिखूंक पावलों.

फांचू : बरी गड. बरी गड. ताळयो, ताळयो (सगळो लोक ताळयो मारतात).

रापोज : तुमी जाणात... तुमी जाणात की ही वेंचणूक जिखता म्हणसर म्हाका पांच लाख रुपया खर्च पडले... (फांचू ताच्या तोंडार हात दवरून ताचें उलोवप बंद करता आनी ताच्या कानांत किते सांगता. रापोज हय म्हणून आपली तकली हालयता.) करतशीं. करतशीं. तुमी समजशात हांवें पांच लाख रुपया मोडल्यात म्हण. नेट ! त्या आदवोगाद फोर्नीगान पांच लाख रुपया मोडले. पुण त... त... त... बायला

जिकोंक पावलोना. ताका म्हणून गोंयी नी हांव येता वर्सा भितर म्हज्या मतदारसंघातल्या अेका-अेका गांवान पाच-पांच लाख रुपया खर्चून अुदरगत करतलों म्हण. गांवची अुदरगत करतलों...

फांचू : व्हेरी गुड, व्हेरी गुड...

लोक : रापोजबाब झिंदाबाद, रापोजबाब झिंदाबाद...

रापोज : आनी इतलेंच न्हय, हांव सदाच तुमचे सेवेक हाजीर आसतलों. म्हजें दार तुमकां खंयच्याय वेळार अुगतें आसतलें. खंयच्याय वागतार. हांव तुमच्या बरेपणा खातीर म्हजो जीव पर्यान दिवक... (फांचू ताच्या तोंडाक घट धरुन फुडें अुलोवपाचो बंद करता). आरे किते जालें? म्हजें तोंड कित्याक बंद केलें?

फांचू : आरे जीव दिवपाच्यो खबरी करीनाका पापया.

रापोज : नाका? जयहिंद! (सगळो लोक ताळयो मारता, झिंदाबाद म्हणतात. काळोख जाता)

पयलो भाग

(रापोजच्या घराचो देखाव. अुंच मोलाच्यो वस्तू, जशेपरी मेज, गादी, फोन आदी आसता. काय फुडाऱ्यांचे फोटू वण्टीर आसतात. रापोज आनी फांचू अुलयतात).

रापोज : आरे फांचू, ही वेंचणूक जिखता म्हणगर कितलो खर्च जालो तो पळेलाय तुवें ?

फांचू : पळय म्हणटाय ? राव पळेतां तर. (आपली डायरी भायर काडटा आनी डायरीचेर पळेवन हिशोब करता). आरे बापरे !

रापोज : फांचू, कितें जालें रे ?

फांचू : सुमार पांच लाख रुपया जातात.

रापोज : पांच लाख ? (येवजन) नो प्रोब्लेम. गांवचें बरेंपण करतलो जाल्यार दुडू मोडकच जाय. समाज सेवा करतलो जाल्यार त्याग करकच जाय. (मात्सो गंभीर जाता). पुण फांचू, हें कशें घडलें रे ?

फांचू : कितें कशें घडलें म्हणटाय ?

रापोज : आरे पांच लाख रुपया मोडपाक, इतले दुडू आयले पुण खंयचे ?

फांचू : त नकळो, ना रेमड गर्दो, फॅक्टरी चालक मोदता नी ?

रापोज : हां... समजलों.

फांचू : ताणें अेक लाख रुपया हाडून दिले.

रापोज : मागीर ?

फांचू : ना फायव्ह स्टार हॉटेल बांदूक मादता ना कोण रे ?

रापोज : मिस्टर शर्मा. ताणें कितले दुडू दिले ?

फांचू : ताणें तुजेचकडें हाडून दिल्लें न्हय ? हांव जाणा कितलें ते !

रापोज : अगदीच आयकलो. ताणें दोन लाख रुपया दिल्ले. पुण अेक सांग रे, तो रंगा वाणावलीकार...

फांचू : वा हागा व्हडला गुस्लार्ची फॅक्टरी बान्दूंक गादना पळे तो मरे ?

रापोज : हय रे पापया, ताणे दिले पुण कितले ?

फांचू : ना मारको चानटा अशा गामटा. ताणें फकत पत्रास हजार रुपया दिल्यात.

रापोज : जाले, इतल्यान सोंपलें ?

फांचू : सोंपोंक ना. लिस्त जायतें व्हडलें आसा. गज माइनींग लिमिटेड, मिनेर्वा बिच रिजॉर्ट, प्रायवेट बस ऑनर्स असोसिएशन. हांचे कितलेशेच लोक येवन-येवन तुजे लागीं पयलो दाट कवरा दिवन वेताले. तें हांव जाणा. त्या कवरांनीं कितले दुडू आसले ते मात हांव नकळो.

रापोज : अ S S S ओगी राव. बरें आसा. समाज सेवा, सोशल सर्विस करतलो जाल्यार दुडू अेकटाक्चे पडटात आनी मोडच्येय पडटात.

फांचू : आरे रापोज, मात्सो असो यो (नाका कुशीक व्हरता).

रापोज : कितें जालें ?

फांचू : आतां तूं आदले भासेन सादो मनीस न्हय.

रापोज : जाणा तें हांव.

फांचू : आतां तूं आमदार. आदले भासेन कोणायकडें पेचे पेचे करुन उलोवपाक जायना. पोजीसांव काडूंक जाय. थोडेंच उलोंक जाय आनी गरज तेंच उलोंक जाय.

रापोज : आरे तो म्हाका सगळी खबर आसा. आयक, तुवें आता म्हजेकडें उलोवपाची रीत शिकोंक जाय.

फांचू : (तोंड कोडू करून) किते म्हण्टलेंय ?

रापोज : आजून म्हणूंक ना. आतां म्हणटां. रापोज म्हण किते हटकीनाय ? रीत ना ? हांव आमदार मरे ? तुवें आतां म्हाका सर म्हणून अशें करूंक जाय, समजल्लेंय ? (फांचू ओगीच रावता). आनी हें पळे. आतां हांव आमदार म्हणटच हे कदेलीर फकत हांव बसतलों, हांव उठतलों. हे कदेलीर आनीक कोणूच बसचोना.

फांचू : हें भाशण तूं म्हाका सांगताय ? आरे रापोज, हें तूं फांचूक सांगताय ? आरे रापोज...

रापोज : (रागीश्ट जावन) फांचू !...

फांचू : किते ?

रापोज : रापोज न्हय !

फांचू : यस सर ! (फांचू ताका सलाम मारता. दाराची कांपीण वाजता).

रापोज : भायर कोण आयला तो पळे. (फांचू दाराशीं वचून धांवून परत येता).

फांचू : रापोज !

रापोज : किते म्हण्टलेंय ?

फांचू : (तोंडांत बोट घालता) सर ?

रापोज : आतां मारको उलयल्लय.

फांचू : सर, तो रेमंड सर्दो आयला. वेंचणुकेक एक लाख रुपया दिल्लोलो पळे तो.

रापोज : चल, ताका भितर आपय.

फांचू : बरें रापोज.

रापोज : तरूय पुण रापोज ?

फांचू : ओ ! मिस्टेक इज रोंग. बरें सर. (रेमंडाक आपोवंक वेता आनी रापोज आपलो जेस मारको करता) गिन्यार

गर्दो कम् इन, कम् इन (रेमंड भितर येता. रापोज आनी रेमंड अेकमेकाक हात दितात).

रेमंड : काँग्रचुलेशन मिस्टर रापोज.

रापोज : थँक यू. बसोंक घे. (रेमंड बसता) सांग, पियोंक कितें घेतलो ?

रेमंड : मातूय वेळ ना. रागार जायनाका. दुसरे फावट घेतां. पूण आतां म्हाका तुजेकडें कितें अुलोवंक जाय आसलें.

रापोज : ऑफ्कर्स, ऑफ्कर्स. अुलय...

रेमंड : (नदर भोंवडावन फांच्रू आसा तो पळेता). पुण म्हाका तुजेकडें अेकसुरो अुलोवंक जाय आसलें.

रापोज : हागा फांच्रू आसा म्हण तू अशें म्हणटा आसतलो. फांच्रू म्हजेर न दरर-नकल जायनाका. हें पळे, तो आनी हांव दोग मनीस पुण अेकूच कशे. ताका सांगलें आनी म्हाका सांगलें तें अेकुच. तो करता तें हांव करतां आनी हांव करतां तें तो करता. म्हणवे आमी दोगूय अेकुच.

रेमंड : (घनघागोंदळाक सापडल्या भाशेन) रापोजबाब, हांव समजूक ना, तूं कितें म्हणटाय पळे तें.

फांचू : तूं क्रिस्तांव न्हय ? तूं आमची दोतोन्न सारकी नकळो म्हण हांगा दाखल जाता.

रेमंड : ना, ना, ना... तशें म्हणूनाका. हांव आमची दोतोन्न सारकी जाणा.

फांचू : म्हणटच न जाणाय मगे की आमच्या धर्मान बाप, पूत्र आनी स्पीरीत सांत हे तेग जाण, पूण अेकूच देव म्हण ?

रेमंड : हय तर ! तें हांव जाणाच.

फांचू : तेच भाशेन रापोजबाब आनी फांचूबाब हे दोग जाण, पुण अेकूच मनीस. तें आसूं; सांग तुजो कसलो सेग्रद पळे तो.

रेमंड : आयक रापोजबाब, हें सांगतां पळे तें काम आयजूच जावक

जाय.

रापोज : तुजें काम आमाक आयना म्हण आता ? नाग किते आला ? (संगीत वाजता. रेमंड सिनालां करुन ताका आपलें काम किते ते सांगता. संगीत सोंपता). डोण्ट व्होरी. तू हुसक्या मारता वच. फाच अेक नाग. आमच्या पुलीस स्टेशनाचेर सगळो मेळोन कितलो लोक आसा रे? सगळो स्टाफ कितलो रे ?

फांचू : अेक इन्स्पेक्टर. तीन सब-इन्स्पेक्टर. सात वा आठ हवालदार आनी पन्नीस कान्स्टेबल. (हिशोब करता) तीन आनी धा, चाळीस... आनी पाच... सर, सगळे मेळोन चाळीस ते पंचेचाळीस आसतले.

रापोज : अशें कर. आयज रात्री धा वरांचेर, पुलीस स्टेशनांतल्या सगळ्या स्टाफाक अेक कडक पार्टी आरांज्वार कर. पियेप, खावप वगैरे सगळें. पार्टी म्हज्या घरान करूंक जाय. वच आनी इन्स्पेक्टर [illegible] सांग की सगळ्या स्टाफाक घेवन. अेकल्यान [illegible] पार्टीक येवपाक जाय म्हणून.

फांचू : [illegible] सर. हुन...

रेमंड : थँक् यू, व्हेरी मच्, मिस्टर रापोज.

रापोज : थँक् यू, व्हेरी मच्.

फांचू : [illegible] डोण्ट मेन्शन.

रेमंड : नो प्रोब्लेम... ([illegible] आनी [illegible] दिता आनी वेता).

रापोज : आमकां निवडून हाडल्यात ते कित्याक ? रेमंड सारक्या सज्जनाची आनी सेवा करना जाल्यार कोणाची करतले ?

फांचू : [illegible] (घंटी वाजता) आता आनीक कोण आयलो ? ([illegible] वेता आनी [illegible] येता)

—

रापोज : आरे कितें जालें ? तूं कित्याक भियेल्लो ? (फांचू जागीच रावता). आरे आतां भियेवपाचो वेळ गेलो. हांव आमदार मरे. सांग कितें जालां ?

फांचू : (घाबरलेल्या ताळ्यान) सर, घाब्रु आयला...

रापोज (तोंडार भिरांत निरशेता) कोण ? घाब्रू ? घांब्रू म्हणल्यार घाबरोंक जाता ? फांचू, ताका भितर आपय.

घाब्रु : (आपोंवच्या आदींच भितर येवन) आपोंवच्या आदींच हांव भितर आयलों... हा ऽ हा ऽ हा ऽ !... (गडग्यान हांसता).

रापोज : कॉंग्रेचुलेशन्स्... (रापोजाक हात दिता).

फांचू : सर, तो आयला तुका कॉंग्रेचुलेट करपाक, आनी तूं ताका कॉंग्रेचुलेशन्स् म्हणटाय ?

घाब्रु : नो प्रोब्लेम. बस, बस तूं. (रापोज बसता).

फांचू : सर, तुवें ताका बस म्हण सांगूक जाय आसलें, पुण तो तुका बस म्हण सांगता.

रापोज : मिस्टेक इज रोंग. आरे घाब्रु, बस मरे. तुवें आनीक उबो रावपाचो रे ? आरे, तूं म्हणटल्यार सगळो घटाय मरे. बस (घाब्रु बसता).

फांचू : सर, तूं म्हाका सांगताल्लय की हे कदेलीर फकत तूंच बसतल्लय म्हण, पुण आतां घाब्रु...

घाब्रु : (मोठ्या ताळ्यान) रापोज, हो फांचू कितें म्हणटा रे ?

रापोज : (अुनावळीन) ना, ना, ना... तो कांयच म्हणना. बस तूं. घाब्रु, तुका कितें थंड पियोंक हाडूं ?

घाब्रु : ना, नाका... जाणाय मरे रापोज, तूं ही वेंचणूक फकत म्हाका लागून जिखलो.

रापोज : हूं... हूं...

घाब्रु : हूं... हूं... म्हणून जायना. हांव तुका प्रोव्हार करून दाखयतां. अेक सांग, आमच्या मतदार संघात सगळे मतदार कितले रे ?

रापोज : फांचू, सगळे मतदार कितले रे ?

फांचू : बावीस हजार, सर.

रापोज : बावीस हजार.

घाब्रु : आरे रापोज ह्या बावीस हजारांतलीं तुका कितलीं मतां पडल्यांत रे ?

रापोज : फांचू, सगळीं मेळोन म्हाका कितलीं मतां पडल्यांत रे ?

फांचू : पांच हजार सशें तीस आनी तीन.

घाब्रु : आनी तुज्या आड रावल्लोलो ताका कितलीं मतां पडल्यांत ?

रापोज : फांचू, ताका कितलीं मतां पडल्यांत रे ?

फांचू : अेक हजार दोनशें पंदरा.

घाब्रु : तुका पांच हजार सशें तीस आनी तीन आनी ताका अेक हजार दोनशें पंदरा. म्हणटच तुमचीं दोगांयचीं मतां कितलीं जालीं रे ?

फांचू : हावें कांत केला तें. राव सांगतां हां ? (आपली डायरी हाडून उगडून पळेता आनी सांगता) सगळीं मतां स हजार आठशें चाळीस आनी आठ.

घाब्रु : सगळीं घातल्यांत तीं मतां धरल्या सात हजार. आनी आमच्या मतदार संघांतलीं सगळीं मतां कितलीं म्हटलीं ?

फांचू : बावीस हजार.

घाब्रु : सगळीं मतां बावीस हजार. घातल्यांत तीं मतां सुमार सात हजार म्हणटच कितल्या लोकांनी मतां घाल्लूंक ना रे ?

फांचू : राव हां सांगता. (आपली डायरी उगडून तीचेर 'पळेता). सर, सुमार पंदरा हजार लोकांनी मतां घाल्लूंक ना.

घाब्रु : पंधरा हजार लोकांनी मतां घाल्लूंक ना. जाणाय कित्याक तें ?

फांचू : घाल्लूंक ना. कित्याक ? घाल्लूंक ना. ना, घाल्लूंक ना.

घाब्रु : (रागान) कित्याक घाल्लूंक ना रे ?

रापोज : तुका लागोन.

घाब्रु : हय, म्हाकाच लागोन. जाणाय तूं, त्या लोकाक हांवें कितें सांगलां तें ?

रापोज : कितें सांगलेंय ?

घाब्रु : तुमी मतां घाल्ंक येशात जाल्यार, फक्त रापोजबाबाकूच मत घाल्ंक जाय. रापोजबाबाक मत घालपाचें ना जाल्यार घरांतल्लीं भायरुच सरोनाकात. अेक-अेकल्याचे दोंके मोडटलों. हेच भिरांतीक लागुन पंधरा हजार लोकांनीं मतां घाल्ंक ना·

रापोज : हय, तें हांव जाणाच.

घाब्रु : ह्या पंधरा हजार लोकांनीं मतां घातलेलीं जाल्यार, जाणाय तूं, तुजें कितें जावपाचें तें ?

रापोज : फांचू, कितें जावपाचें रे ?

फांचू : खळें जावपाचें.

घाब्रु : करेक्ट. रापोज, तुजे सारकें खळें जावपाचें.

रापोज : हय मिस्ता.

घाब्रु : हय मिस्ता न्हय, जावपाचेंच. हांवच आसल्लो म्हणून तूं जिखलो. (भायर सावन अुल्यत-अुल्यत कोत्रीन गावडीन भितर सरता).

कोत्रीन : आरे चल, तुका कोण मेजीना ? तुगे मनीस पेद्रेर जाल नुरे, आत तू गु खा. थूत तुजे जातीकू, म्हाक शापोत सांगोता ? वासीमोर ! ...

फांचू : आगो कोत्रीन, कित्याक बोब मारताय गो ?

कोत्रीन : आरे फांचू, हे-तो बेबोड झुजू, रापोजबाबाक केमो गांय घालताय रे ? त्या झुजू मनीस पेद्रेर जाल नुरे ? आमगेल रापोजबाबा जीकील नुरे ? रापोजबाबाक गांय, तो चोरी, नागोवणें आनी कित-कित म्हणटालो, आयकसर आयकलें मागीर थारोता ? म्हज कोडलें. हांव ओग रावलां ? दिल बरें पुर्गाद. (रापोजबाबाक पळेवन) आरे रापोजबाबा मरे.

कोंगुरलासांव रापोजबाबा. तू जींकील नु ?

रापोज : आगो कोत्रीन, तुमच्या सगळया लोकान म्हाकाच मतां घातलीं न्हय गो, म्हणटच हांव जिखलों. हांव येतोलों तुमच्या लोकाक मेळपाक.

कोत्रीन : येवंक जाय. आमगे लोक तुका पोळोन् ऐकदम खुश जातोलो. (घात्रुक पळेवन) आरे बाब, हो कोण रे ?

फांचू : आगो तो आमच्या गांवचो दादा. घात्रु म्हणटा पळे तो.

कोत्रीन : (घात्रुक पळेत रावता) घात्रु ? हां... आरे फांचू तो मरे तेसो दिसोता.

घात्रु : तेसो दिसोता ? कसो दिसता गो ?

कोत्रीन : (लजोन) तेसो दिसोता.

घात्रु : तेसो दिसोता ? तेसो दिसोता ? आगो कसो दिसता ?

कोत्रीन : सांगोचें ?

घात्रु : आगो सांग. कसो दिसता ?

कोत्रीन : तुवेन ते गोंड फिल्लीम पोयल्य रे ? तातुन तो गोव्वर सिंग म्हणोन आसा. त सारको तो गोव्वर सिंग कसो दिसोता.

घात्रु : शट अप् !

कोत्रीन : शाटाप ? शाटाप तुगे बाप. म्हाक शाटाप म्हणाता. हे तो म्हाक वोळखाता ? हांव तेगें काल्साव काडून तेगो इज्जत करपी. (फांचू कोत्रीनाक समजायता आनी दुसरे वाटेन रापोज घात्रुक समजायता).

फांचू : आगो कोत्रीन, मात्सें दुवान अस्य गो. आगो जगडी नाका गो. मात्सो आगो राग पळता. आगो, आतां आदले बागेन हांगा वोव मारुंक जायना गो. आतां रापोज बाब आमदार जालो नुगो ?

कोत्रीन : आमदार नोका वामदार. ते म्हाक लागाना (रापोजा कुशीक येता) आरे रापोजबाब, तुवें आमच्या लोकाक सांगील मरे

की तू जिकल्यारी आमग्या गावात मिळटा रस्तो करतोलो म्हण. आत तू जिकीलो. रस्तो रोकडो कोत मुरे?

रापोज : रस्तोच न्हय, हांव तुमकां उदकाची पायप लायन पासून हाडून दितां.

कोत्रीन : उदकाची पायप लायनय हाडटा? फार्म जातलें. रापोजबाब, आमगे मुरें जायतो लोक बेकार आसाय. तो रस्ता आमग्या गावांत करपा आन मुरे? ता रस्तो आमग्या लोकांनी आर करून केल जाल्यार बऱ्या पडपा नुरे? आमग्या लोकाक मिरवीस जातली आनी दुसऱ्या अर्दान रस्तोय जावपाचो. रापोजबाब, तुक कसो दिसोता?

रापोज : आगो कोत्रीन, तुजो त्या नाका जाल्या राटीनीं पडोनाकात. तुमका रस्तोच जाय मगो?

कोत्रीन : जाय तोरी? रस्त्याक लागों आमग्या लोकान तुक मोतां घाल मुरे?

रापोज : हांव तुमकां रस्तो सांकडान करून दितां. तुमी तें म्हजेर सोडात.

कोत्रीन : आमग्या लोकाक थंय आर मेळतोलो?

रापोज : तें मागीर पळोवया आगो, म्हजो मेवणो पी. डब्ल्यू. डी.–चो कोंत्रादटर आसा. तुमच्या रस्त्याचें कोंत्राद हांव म्हज्या मेवण्याक दितां आनी तो रस्तो रोकडोच करून दितां.

कोत्रीन : अेक म्हयन्या भितर जातोल रे?

फंचू : अेक म्हयनो किल्याक? वीस ते पंचवीस दिसां भितर तुमचो रस्तो तयार!

कोत्रीन : पुण आमग्या लोकाक आर?

रापोज : आगो कोत्रीन, वावराचें मागीर पळोवचें. पयलो तुमकां रस्तो दितां म्हणचें दितां.

कोत्रीन : तेश जाल्यार तुक चड आनी चड देव बरें करुं रापोजबाब. हांव आत वयता. (वचूक करता. फाटीं वळून पळेता). आरे गोब्रर सिग, तुक म्हुज राग येइल रे? (सगळयांचें मुखामळ हांसतें. काळोख जाता).

दुसरो भाग

(आदल्लेंच देखाव. रापोज आनी फांचू अस्तत आसता. दारार्ची कांपोण वाजता. कोण आयल्लां ना पळेवंक फांचू दाराशी वेता आनी धांवत परत येता.)

फांचू : सर, सर लिली आयल्यां.

रापोज : कोण ? लिली आयल्या ? (खोशी जावन) म्हजी धुव आयल्या ? (मुटकेन आनी वेग घेवन लिली सदरेंत भितर सरता).

लिली : कोंग्रेचुलेशन्स डॅड ! (रापोजाक वेंग मारता).

रापोज : थॅंक् यू, माय चाईल्ड. थॅंक यू.

लिली : डॅडी, [illegible] जिकल्या म्हण. पुण हॉस्टेलांत म्हजें पोजीमांव मारकें वाडलें.

रापोज : म्हजे धुवेचें पोजीमांव वाडांना जाल्यार कोणाचें वाडटलें ? पुण तें आसूं. एक सांग, तुजी एक्जाम कशी जाली ?

लिली : [illegible] एक्जाम [illegible] जाली. हांव फस्ट क्लासींत पास जाल्लीं.

रापोज : फस्ट क्लासीन ? (खोशी जावन) फांचू ?

फांचू किते सर ?

रापोज : [illegible] आमचें लिली फस्ट क्लासींत पास जाल्या [illegible].

फांचू : फस्ट क्लासीन ?

रापोज चल, सदरेंत भितर वच आनी [illegible] हाड.

फांचू लिली बाय कोंग्रेचुलेशन्स.

लिली : थॅंक् यू.

रापोज : आरें फांचू, तूं गडसडीत हाडटाय वा ना ?

फांचू : हाडटां सर. (भितर वेता).

लिली : डेडी, तुजें नांव पत्रांचेर अेकदम गाजता. तूं तुज्या मनदारसंघांत भरपूर वावर करताय म्हण बोबाळ पडला. कीप इट अप् डॅड, कीप इट अप् (रापोज हांसता. फांचू केक घेवन भायर येता).

फांचू : सर, केक.

रापोज : लिली, तू फस्ट क्लासीन पास जाल्ले म्हण, आमी-फुडेंच तोंड गोड करूंया. (तीं केक खातात).

फांचू : सर, आतां तोंड गोड करूंया तें बरें आसा. पुण लिली बाय फस्ट क्लासीन पास जाल्लेना जाल्यार मागीर कितें ?

रापोज : फांचू, शट अप् !

फांचू : ओ. के. सर.

लिली : आरे फांचू अंकल, तूं केन्नाच्यान रे डॅडीक सर-सर म्हणूंक लागलो ?

रापोज : लिली, आतां जायतें सुदार जालां. आतां आदले भासेन वागचें ना. आतां हांव आमदार. म्हणटून तुवेंय आतां म्हजें लागीं आदले भासेन वागोंक जायना.

लिली : कितें ? डेडी हें तूं कितें उलयताय ?

फांचू : सर, हो तुजो ध्रुव हो कायदो तिका लावपाचो न्हय.

रापोज : अशें ? हा ऽ हा ऽ हा ऽ ... (हांसता) लिली हावें तुका बेस्टें म्हणललें. हो कायदो तुका लागोना.

लिली : कायदो ? कसलो कायदो ?

फांचू : लिली बाय, हो कायदो न्हय, ती अेक रुल.

रापोज : ध्रुव म्हजे. तू ते माड पळोवया. हांव तुजो डेडी, तू म्हजी ध्रुव... (फोन वाजता). आरे फांचू पळय रे तो फोन कोणाचो तो. (फांचू फोन घेवंक वेता. लिली आनी रापोज

अुलयत आसात).

फांचू : हॅलो ? हॅलो ? कोण अुलयता ? हे... समजना, तूं किते म्हणटाय तें समजना. कोण ? कुरु ? ह्या घरांत कुरु म्हणून कोणूच ना. रॉग नंबर... किते ? लिली ? राव हां... (फोन तोंडाकूसरांतल्यान काडून) लिली व्हाय. हो कोण तुका सोदता.

लिली : म्हाका सोदता ? (धांवत फोनाकुसरां येता आनी फोन आपूण घेता). कोण ? येस. (चोरी जाता). आतांच भितर सरता थंय आसां. (वाक्य वाटांनी पळेवन. फांचू लिपचोरयां आयकता. लिली लज्जेवान अुलयता). आरे हांगा म्हजो डेडी आसा. हाव तुका सांजे साडेपांच वरांचेर मेळटां. ओ. के... यस... अदर यूजीअल प्लेस. बाय... (फोन सकल दवरता).

रापोज : लिली, फोन कोणाचो ?

लिली : (घाबरुन) म्हज्या फ्रेंडाचो.

रापोज : फ्रेंडाक म्हण जाणा गो हांव. ता बोय फ्रेंडाचो वा गर्ल फ्रेंडाचो गो ?

लिली : (लज्जेवन) डेडी... (भितर धांवता).

रापोज : फांचू, हे प्रकरण कितें रे बाबा ?

फांचू : कॉलेजीकाद. फोनाचेर जो गजाल जाल्या ती अर्दीक कॉलेजीकाद. सर. म्हाका दिसता त्या प्रमाण, तुजे धुवेक दुयेंस जाला.

रापोज : दुयेंस जाला ? म्हजे धुवेक दुयेंस जाला ? कसलें ?

फांचू : मलेरीया न्हय. फिलेरीया न्हय. लवेरीया म्हणटात पळे तें

रापोज : जाव. आता तूं अेक गरजेचें काम करुंक जाय

फांचू कसलें काम सर ?

रापोज लिलीक कळनासतना तिचो पाठ करपाक जाय. ती खंय वेता, कोणाक मेळटा आनी किते करता ती सगळी सारकी

खबर जाय समजल्य ?

फांचू : यस सर. (दाराशीं वचून भायर पळेवन) सर, कोत्रीन अेक व्हडलें पुरमांव घेवन येता.

रापोज : पुरमांव घेवन येता ? येवंदी ताका. (कोत्रीन येता).

कोत्रीन : आरे येयात तुमी भितरीं. कोणाक निचयाक जाय ? आरे रापोजबाब, आमगे मूर्नास मुरे.

फांचू : येयात, येयात, भितर येयात (पांडू आनी कोत्रीनाची धुव आमी भितर सरतात).

कोत्रीन : रापोजबाब, तुका चोड आनी चाड देव बोरें करूं. आमगे सगळो लोक अेकदम खुशाल. दामगो मारोग जाल्लो नवे ? लोक सारको खुशाल.

पांडू : आमदार महाशय, तुमचे अुपकार आठवंक म्हूण आमी आयल्यात. तुमी आमच्या गावांत रस्तो करून बेस बरें केलें.

एमी : सर, थंक् यू व्हेरी मच्. पिपल आर व्हेरी हॅप्पी. (रापोज आमीक पळेत रावता).

फांचू : (रापोजाच्या कानांत सांगता) सर, इतलो वेळ अेका आनव्या चेडवाक पळेत रावनाका. (रापोज भिडूक जाता).

रापोज : (हांसच्या सुवामळान) बरें.. बरें... आगो कोत्रीन, अेक. सांग, हो कोण ? ताका हावें वळखूंक ना.

कोत्रीन : वळखोंक ना ? आरे तो आमगे पांडू शेट मुरे. आमगे शेजारी. तुगे सप्पोटर मुरे तो.

रापोज : पांडूबाब कसो आसाय ?

पांडू : अेकदम बरो. आनी तूं आमदार जाल्याक अदीक बरो.

रापोज : आनी कोत्रीन, हें कोण गो ?

कोत्रीन : तें मुगे चेडूं मुरे.

रापोज : तुजें चेडूं ? तुजें चेडूं ? आनी इतलें बरें इंग्लीश अुलयता ?

एमी : व्हाय नोट ?

कोत्रीन : [illegible] तुमात [illegible] [illegible] दिसाल्लाव ? आगे बाय, मुगे थूवेन मेट्रीक केल मुगे.

रापोज : [illegible] केल्ला ? (एमीचे फाटीर, नकळेन, केंसांचेर अपुरबायेन [illegible] [illegible] मारता). [illegible] [illegible] मेट्रीक केल्ला ? व्हेरी व्हेरी गुड...

फांचू (रापोजाच्या कानांत [illegible] सांगता) सर, अेका [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] (रापोज आपलो हात रोकडोच काडटा).

रापोज : बाय, तुजें नांव कितें ?

एमी : एर्मा.

रापोज : एर्मा ? अेकदम बरें नांव (एमी [illegible] [illegible] [illegible]) नवेंच नांव, अेकदम सुंदर नांव...

फांचू : सर, तुजो... (रापोज हात फाटीं काडटा).

कोत्रीन : रापोजबाय, आनी मुगे, [illegible] [illegible] नांव आमाल्दीन. [illegible] [illegible] आमाल्दीन [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] म्हणल्यान [illegible] मेट्रीक पास [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible]. [illegible] म्हणचा लागल मुगे.

फांचू : आगा कात्रीन. [illegible] [illegible] [illegible] [illegible]. [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] म्हणटात ? [illegible], [illegible] म्हणटात [illegible] [illegible] [illegible] म्हणटा ? [illegible], फेर्मी म्हणटात फेर्मा म्हणटच आमाल्दीनाचें [illegible] [illegible] एर्मा जाल्ना ?

पांडू : [illegible] [illegible] [illegible] आमचे लोकांत आता [illegible] [illegible]. मोडर्न संवसार न्हय हो ? आधुनीक संवसार हो.

फांचू : आगा कात्रीन. [illegible] तुजेंय नांव [illegible] [illegible] [illegible] ? [illegible] [illegible] तुजें नांव कात्रीन आसा [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] ?

कोत्रीन : (भरगांटून) मुगे नांवय [illegible] करच्या जातात ?

फांचू : [illegible] [illegible] ? कात्रीन [illegible] [illegible] [illegible] कर.

कात्रीन : किं म्हणटाय ? कोटी ? (सगळीं हांसतात).

एमी : कट्टी न्हय मम्मी; कोटी.

कात्रीन : कोटी नाका कोटी. तें गोडाय चोयनां. आमी अेक अेका आराक आनी कोरताय दुमरेंच.

रापोज : कात्रीन वाय, तूं कसल्या वावराक आयलेलें ?

कात्रीन : [illegible] आमग्या गावांत रस्तो जाल नुरे ? आत तावेर अेक पुणी बस येवपा नाका ?

रापोज : जाय तर, बस येंवकूच जाय.

कात्रीन : त्याच खातीर हाव तुज्या फुडयान आयलं मुरे. हो आमगे पांडू शेट आसा नुरे ? तो थंय अेक बस घालपा सोदीना. सांग पांडूबाब, फुड तूं सांग.

पांडू : आमाय रापोजबाब, तुवें रस्ता बांदून आमच्या गांवच्या लोकाचो मोठो प्रश्न सोडयलो. आतां त्या रस्त्यार अेक तरी बस जाय. हाव चिंतालों थंय म्हजी अेक बस घालूंक.

रापोज : हां ?

पांडू : पळे रापोजबाब, म्हाका [illegible] थोडे दुडू आसात. बेंकीचो लोन घेवन म्हज्यान सगळे दुडू अेरडाय करूं येता. पुण म्हाका बस घालपाक परमिट जाय न्हय ? म्हाका परमिट मेळपाक तूं आदार कर म्हण मागूंक आयलोलों.

रापोज : पांडूबाब, तुजी येवजण अेकदम बरी आसा. फांचू हाचेर तुजें मत कितें ?

फांचू : (धांवन येता आनी रापोजाच्या कानांत कितें सांगता).

रापोज : आरे हय मरे. तुमचें काम जालें.

पांडू : जालें ? आमचें काम जालें ?

फांचू : जालें.

पांडू : (खोशेन भरून) म्हणल्यार म्हज्यान बस घालूं येता ?

कात्रीन : अरे पांडू, हाव तुका [illegible] रापोजबाबा फुडयान

गेल्यार काम जातोलेंच म्हण ?

रापोज : हय, तुमचें काम जालेंच.

पांडू : रापोजबाब तुका चड आनी चड देव बरें करूं. हांव बस विकत घेवपाचे तयारीक लागतां.

रापोज : आरे पांडू आयक. (पांडूक अेके कुशीक व्हरून) तुजे लागी आसलेले दुडू कित्याक ते बसी फाटल्यान घालताय? ती बस फायद्यानच चलतली म्हण कितें ग्यारंटी आसा? आरे तूं तुजे दुडू बेंकीन घाल. अेका लाखा फाटल्यान तुका वर्साच्या वर्सा तेरा हजार रुपया जूर मेळटलो. बसी फाटल्यान ते तुवें कश्ट करून अेकटायलेले दुडू व्हगडाय नाका.

पांडू : पुण रापोजबाब...

रापोज : पुण आनी बुण काय ना. हांव कितें सांगतां तें तुज्याच बर्‍याक सांगतां. तुमच्या लोकाक बस जाय न्हय? हांव बस दितां. तूं ते भानगडींत पडोनाका.

पांडू : पुण...

फांचू : आरे पांडूबाब, रापोज पद्रि कितें सांगता तें तुज्याच बर्‍याक सांगता. लाखांनी दुडू घालून फायदो जातलोच म्हण कोणे सांगूक जाता? आरे आमच्या रापोजबाबा बापुलसाब आसा. ताचेकडे स्वंय अेक बस आसा. ती बस तो तुमच्या रस्त्यार घालूक सोदता. घालींदी नाका. लुकसाणांत पडटा तर नाकाच पडूंदी.

पांडू : असें ? (तोंड काळें करून) जायत घडये.

रापोज : पांडू, तू हुसक्यांविण राव. तुमका बस मेळटलीच. कातीन, आनीक कितें आसा गो ?

कात्रीन : (माथें खरजून) रापोजबाब, हे आमगे गर्भा आस नहें? तेक अेक बोरीसी सिरवीस...

रापोज : कळ्ळें... कळ्ळें... ताका फुडें आनीक कांयच सांगपाचें ना. आरे फांचू, गर्भाचें कितें रुपया? आमच्या कोर्चानाचें घेट ते.

फांचू : दिसता बरें, म्हेसता बरें, हांसता बरें आनी उलयता बरें. सर, ताका आमी हांगासरुच्च आमच्या ऑफीसान सर्विसेक दवरंया. कितलो लोक येता, कितलो बावर आसा, आमी एमीक आमच्या ऑफीसान दवरल्यार बेस बरें जातलें. तें तुकाय उपकारतलें आनी गरज पडटा तेन्ना म्हाकाय उपकारतलें.

रापोज : एमी, तूं टायपींग जाणाय ?

एमी : नो सर.

रापोज : शॉर्टहेण्ड जाणाय ?

एमी : नो सर.

रापोज : तूं टेलेफोन ऑपेरेटींग जाणाय ?

एमी : नो सर.

रापोज : नो प्रोब्लेम. तूं इंटरव्हिव पास. कोत्रीन, एमीक फाल्या-च्यानूच म्हज्या ऑफीसान सर्विसेक धाड.

फांचू : एमी, यू डोंट व्होरी. तुका टायपींग शिकूंक जाय ? हांव शिकयतां. तुका शॉर्टहेण्ड्च न्हय, लोंगहेण्ड पासून हांव शिकयतां. टेलेफोन ऑपेरेटींग नकळो ? हांव शिकयतां. फाल्याच्यान तूं ऑफीसाक यो आनी उप्रांत टायपींग, शॉर्टहेण्ड, लोंगहेण्ड आनी ऑपेरेशन सगळें सुरु.

एमी : सर, थँक् यू व्हेरी मच्.

कोत्रीन : रापोजबाब, तुका चोड आनी चोड देव बोरें करूं.

रापोज : नो प्रोब्लेम. देव बरें करूं म्हणपाची पासून गरज ना. गरीब-धाकट्यांची सेवा करप हें आमचें कर्तव्य जावन आसा. कितें म्हणटाय रे फांचू ?

फांचू : यस सर ! (कोत्रीन, एमी खोशेन, पांडू दुखान. फांचू खोशेन हांसता. काळोख जाता).

तिसरो भाग

(रापोजच्या घराचो देखावो. लिली आसता, तें आपल्या घड्याळार वेळ पळेता).

लिली : (आस्लेच भितर) सकाळचीं सदांच फोनाचेर मेळचीं म्हण सांगतालो, पुण खबरुच ना. हांवूच नकळो फेलीक्साक कितें जालां पळे तें. कायच समजना ना म्हाका कित्याक फोन करीना पळे तो. (फोन वाजता आनी लिली खोशी जाता). फेलीक्साचोच फोन जावंक जाय. (फोनाशी धांवन वेता आनी घेता). हॅलो ? येस ! दॅटस् रायट. कोण जाय म्हटल्य ? (तोंड काळें करुन) रापोज ? वन मिनीट. (फोन सकल दवरता आनी चिन्ता). ह्या फोनाक लागोन हांवें डेडीक भितर सावन आपोवन हाडलो जाल्यार, आनी डेडी हांगा आसताना फेलीक्साचो फोन आयलो जाल्यार, मगळो घोटाळो जातलो. (चिन्ता) हय, तशेंच केल्यार बरें. (फोन परत उखलता आनी उलयता). हॅलो ? आय एम सॉरी. रापोज इज गोन आवट. एका वरान तो पर्यन येतोलो म्हण सांगलां. तूं एका वरान पर्यंन फोन करशी ? ओ. के., बरें (फोन दवरता). आयज जर म्हाका फेलीक्साचो फोन आयलोना जाल्यार हांव जेवल ताच्या घरा वेतलीं. (फोन वाजता. लिली फोनाशीं वचून फोन घेता). हॅलो ? येस ! स्पीकींग... (खोशी जावन) कोण फेलीक्स ? फेलीक्स, तूं खंय आसा ? कितले दिस जाले... फोन कित्याक करुंक जावंक नासलो ?... तशें जाल्यार मेळोंक कित्याक येवंक ना ? हय, म्हाका दिसलें की न म्हाका विसरुंक सादनाय म्हण... इज इट ?... (लव्-लर काळाख जाता आनी एका अर्दान

अजनाइ पतन लिलीचेर पडटा फोनाशीं भत्रें आसून, आनी दुसऱ्या अर्दान फेलीक्साचेर पडटा, तोवूय फोन करता आसून).

फेलीक्स: लिली, प्लीज अंण्डरस्टंड मी. हांव खरोच तुजो मोग करतां. लिली, आय लव यू. पुण...

लिली : पुण ? पुण आनीक कित्याक ? कितें जालां ? टेल मी क्लियरली.

फेलीक्स: लिली, मी. तू एका गिरेस्ताची धूव. तुजो डेडी एक व्हड पदवेदार मनीस. आनी हांव...?

लिली : फेलीक्स, हांवें तुका शंभर फावटीं सांगलां की गरीब आनी गिरेस्त म्हाका लागना म्हण.

फेलीक्स: लिली, हें तूं भुलयताय ? पुण तुजो डेडी ?

लिली : म्हज्या डेडीक कितें जालां ?

फेलीक्स: लिली, तुजो डेडी आयज आमदार आसा. फाल्यां घडये तो मंत्री जातलो. तुज्या डेडीकडे म्हणचे तुजेकडे दुडू आसात, भाटां आसात आनी वेसां आसात. असलो व्हड मनीस एकलेच धुवेक म्हज्या असल्या गरीबाकडे काजार करीत ? दिसना.

लिली : फेलीक्स, हें तूं...

फेलीक्स: लिली एक म्हणणी आसा. हातुर्न पळेवन आपले पांय मोडूंक जाय खंय. म्हजी परीस्थिती जाणा आसताना आनी तुज्या पायचें व्हडपण जाणा आसतना तुजो मोग करप पिशेपण जावंचें ना ?

लिली : फेलीक्स, तू म्हज्या डेडीक वळखून नकळो, म्हजो डेडी एक समाज सेवक जावन आसा. ही इज अे सोशल वर्कर. ताका जात-कात, धर्म, गरीब आनी गिरेस्त असलें कांयच लागना. हे सगळे भेदभाव नाश करुन, हो समाज नितळ करुंक म्हजो डेडी वावुरता. त्या खातीर तूं...

फेलीक्स : लिली, तूं गांगाराय ती सगळें बरें आसा. जायते फावट झगझगता तितलेंय भांगर आसोना न्हय ?

लिली : जायते फावट आसोना जाल्यार, थोडे फावट पुण आसता न्हय ? फेलीक्स, तांतूनलोच म्हजो डेडी जावन आसा.

फेलीक्स : पुण लिली, तुज्या डेडीन तुजें आयकलें ना जाल्यार ?

लिली : डेडीन म्हजें आयकलें ना जाल्यार... (संगीत वाजता आनी कांतार म्हणटा).

घर सोडून येतोलीं,
फक्त तुजींच जातोलीं,
तुज्या मोगा खातीर,
जीव पर्यात दितोलीं.

फेलीक्स : अुलयता तूं भुरगेपण,
दाखयता तूं पिशेपण,
फळेवन म्हजें गरीबपण,
म्हजें लागीं तुका काजार करचोना कोण.

लिली : हो म्हज्या सुखा,
तूंच जाय म्हाका,

फेलीक्स: रावतां हांव तुका,
हो म्हज्या सुखा.

लिली : बरे गुण तुजी व्हडवीकाय,
सत आनी नीत तुजी धादोसकाय,
हिच तुजी व्हड गिरेस्तकाय,
हिच गिरेस्तकाय म्हाका जाय.

(लव-लव फेलीक्साचेर अुजवाड वेता आनी फक्त लिलीचेरूच अजवाड अुरता. अुप्रांत सगळ्याक अजवाड जाता आनी लिली त्याच तालार अुतरां गुणगुणायत आसताना रापोज भायर येता लिलीकच पळेत अुरता.)

रापोज : लिली ? (लिली पावरता) लिली, तुका कितें जालां ?

लिली : कांय ना डेडी. कांयच जावंक ना.

रापोज : कांयच जावंक ना •म्हणटा ती फट. हांव सांगूं कितें जालां तें ?

लिली : सांग पळोंवया ?

रापोज : म्हजी ध्रुव आपल्या बांय-फ्रेंडाकडें अुलोवन अेकदम खोशी जाल्या.

लिली : (डेडी... लजता आनी भितर वेता).

रापोज : म्हजे धुवेचें काळीज जिखपी हो भुरगो कोण ? हें जाणा जावप गरजेचें आसा. (कापीण वाजना) कम इन. (एमी भितर सरता) कोण एमी ?

एमी : गुड मोर्नींग सर.

रापोज : गुड मोर्नींग एमी. सांग, तुजी सर्विस कशी चलना ?

एमी : सर, हांगा कामूच ना. कोण-कोण येता तांकां सात बस-अुठ, चाव-कोफी दी, इतलेंच.

रापोज : डोंण्ट व्होरीं. बी हॅप्पी. आयक, हांव आता टूराक वचपाचो आसा. तूं जाणाय टूर खंय तो ?

एमी : नकळो सर.

रापोज : आयक, म्हजो टुर बेंगलोर, बॉम्बे, मद्रास आनी दिल्ली.

एमी : व्हेरी गुड सर.

रापोज : ह्या टुराक म्हजे वांगडा वचपाक म्हाका अेक प्रायवेट सेक्रेटरी जाय. म्हजी प्रायवेट सेक्रेटरी म्हण हांव म्हजे वांगडा कोणांक व्हरतलों तें जाणाय तूं ?

एमी : नकळो सर.

रापोज : हांव कोणांक व्हरतलोंसो दिसता तुका ?

एमी : फांचु सराक सर ?

रापोज : नो, नो, नो. म्हजी प्रायवेट सेक्रेटरी कशें म्हजे बरोबर बेंगलोर, बॉम्बे मद्रास आनी दिल्ली हांव तुका व्हरतलों.

एमी : (सोंसी नाचत) कोण सर ? (रापोजाच्या फुडयान वचून ताच्या पोल्याक किस दिता). थँक् यू सर, थँक् यू व्हेरी मच्. (रापोज आपल्या पोल्याक पोसेत रावता).

रापोज : पुण एमी तुजी मांय आडखळ हाडचीना मगो ?

एमी : सर, म्हजे मांयचें तूं म्हजेर सोड.

रापोज : तशें जाल्यार एकदम बरें जालें. तूं म्हजें बरोबर म्हजें पी. ए. कशें, आनी आमी दोगांय बेंगलोर, बॉम्बे, मद्रास आनी दिल्ली. व्हेरी गुड, व्हेरी गुड. (एमी खोशी जाता). एमी हांव आतां मात्सो चिफ् मिनीस्टराक मेळोन येतां. फांच् येयसर तूं मात्सी ऑफीसान नदर दवर.

एमी : नो प्रोब्लेम सर.

रापोज : य स्मार्ट गर्ल. ओ. के. बाय... ओ. के. बाय... ओ. के. बाय... (तीं दोगांय एकामेकाक ओ. के. बाय करतात आनी एकामेकाक लजतात. रापोज वेता).

एमी : व्हॉट अ गुड लक्. हांव बेंगलोर वेतलीं ? दिल्ली वेतली ? मद्रास वेतली ? बॉम्बे वेतलीं ? आनी नेवूंय जाल्यार म्हज्या सरावांगडा ? (हांव मोगाचीं कांतारां म्हणत-म्हणत भितर सरता).

एमी : गुड मॉर्नींग सर. (फांच् आपल्या मोगाचे कांतार चालूच दवरता). सर, गुड मॉर्नींग (फांच् कांतार करीत आसता. लिली ताका हात लायता) सर, गुड मोर्नींग.

फांचू : एमी, डोंण्ट बी सिली.

एमी : कितें जालें सर ? म्हजें तुका वायट दिसलें सर ?

फांचू : नां, ना, नां. वायट कांयच ना. सकाळीं फुडें ऑफिसान आपल्या सराक कसो वेलकम करचो, हें तू नकळो ?

एमी : सोरी सर. प्लीज सर. सांग सर, सकाळीं फुडें कसो वेलकम करचो ?

फांचू मांगीन कशें जातलें ? जांवचेंना. हांवें तुका तें दाखोवचें

पडटलें.

एमी : प्लिज सर, दाखय सर.

फांचू : दाखोंव ? बरें, समज तूं फांचू सर म्हण आनी हांव तूं म्हण. म्हणचे तूं फांचू आनी हांव एमी. चल तूं आतां भायर-सावन भितर यो. (एमी भायर वेता) धीस इज द फर्स्ट लेसन.

एमी : सर, हांव भितर येवं ?

फांचू : यो. (एमी भितर यताना) सर, गूड मोर्नींग. (एमी फुडयान वेता आनी ताच्या पोल्याचो किस घेता, तेन्नाच घाब्रु भितर सरता आनी फांचू आनी एमीक पळेता).

घाब्रु : आरे फांचू, तुमकां कितें जालां ?

फांचू : (घाबरता आनी कडकडटा) कांयच्च जावंक ना. जालां ? कितें जालां ? एमी, कितें जालां गो ?

एमी : आरे घाब्रु, आयज म्हजो बड्डे. तो म्हाका बड्डेचो विश करतालो मरे.

घाब्रु : एमी, आयज तुजो बड्डे ? मॅनी हॅप्पी रिटर्न्स ऑफ द डे. (एमीक हात दिता आनी किस घेता.)

फांचू : घाब्रु, तुका आतां कितें जालें रे ? एमी यू आर फन्टास्टीक.

घाब्रु : आरे फांचू, रापोज ना ?

एमी : ना. रापोजबाव चीफ मिनीस्टराक मेळोंक गेला.

घाब्रु : तशें जाल्यार हांव दुसरीं कामां करुन येतां.

फांचू : हय घाब्रु, आयच्या काळार वेळ व्हगडावंक फावोना. चल वच, तुजीं कामां कर आनी यो.

घाब्रु : बरें आसा. (वेता).

फांचू : एमी, तुवें म्हाका वाटायलो. तुवें तुजो बड्डे म्हणून सांगूंक ना जाल्यार, हो घाब्रु एकाचे दोन करुन आख्या गांवाक गांगत सुटतोलो आसलो, कित्याक तो ऑल इंडीया रेडिओ.

एमी : पाद्र, तू डोण्ट व्होरी (फांचूक लागीं सरून ताचे लागीं लाग मारता, तितल्लो फांचू मुरगट्टा). तूं म्हजो सर, म्हणटच तूं जें कितें सांगताय तें हांव करतलीं.

फांचू : खरेंच ?

एमी : हय.

फांचू : तशें जाल्यार आयक. हांगा यो (तें येता). थंय वच (तें वेता). हे ते कदेलीर बस (तें बसता). आतां उठ (तें उठता). म्हजेशीं धांवून यो (तें धांवून येता). म्हजे माणयेर बस (तें बसता). एमी, यू आर चिल्ली, यू आर माय डोली, डोली, डोली... (कापीण वाजता) हो आनीक कोण दळदीरी हांगा पावलो काय म्हणटां.

एमी : (दार उगडून पळेवन) कोण ? रीटा आनी आंकल ? येयात भितर येयात. (रीटा आनी जुवांव आंकल भितर सरतात).

जुवांव : काय रीटा, आमी रापोजबाबागेर पावलीं ?

रीटा : हय पाय. जाणाय पाय, हांगासर आमचें एमी आसा.

जुवांव : एमी ? कोण गो तें एमी ?

रीटा : पाय, तें आमच्या शेजारचें, कोत्रीनाचें चेडूं आमाल्दीन.

जुवांव : हां, आमाल्दीन हांगा आसा ? ताका तुमी एमी म्हणटात ?

एमी : हय आंकल. अेक सांग आंकल, तुमी हांगा कित्याक आयल्यात ?

फांचू : एमी हीं कोण ?

एमी : सर, हे रीटा आनी हो ताचो पाय जुवांव आंकल.

फांचू : हीं आनी ह्याच वेळार कित्याक आयल्यीं काय म्हणटां.

जुवांव : बाबा, तुवें कितें म्हणलेंय रे ?

फांचू : (घाबरून) हांवें कितें म्हणलां ? हांवें म्हणलां तुमी ह्याच वेळार येवन बरें केलें म्हण.

जुवांव : तुका चड आनी चड देव बरें करूं.

एमी : रीटा, तुमी कित्याक म्हूण आयल्यांत ?

रीटा : आमी रापोजबाबाक मेळोंक आयल्यांत.

जुवांव : एमीबाय रापोजबाब ना ?

एमी : आंकल, तो जाल्यार तुमी मातशी वगचीं पडटलीं. रापोज सर भायर सरल्लो आसा. तो थोडयाच वेळान येतलो. बसात. (तीं बसतात)

फांचू : एमी ?

एमी : यस सर ?

फांचू : कम हियर !

एमी : (धांवत फांचूशीं वचून) कितें जालें सर ?

फांचू : आगो, रापोज सर ना जाल्यार, फांचू सर आसा म्हूण सांगूंक जायना ?

एमी : मिस्टेक जाली सर. (धांवत रीटा आनी जुवांव फुडयान वचून) आंकल आनी रीटा, रापोज सर ना खरो, पुण आमचो फांचू सर आसा. तुमच्यान ताचेकडें उलोंव येता.

जुवांव : वाय रीटा, फांचू सराक सांगूया ?

रीटा : नाय. आमी आयल्यांत रापोज सराक मेळपाक. तोंच येसर रावोंया.

जुवांव : एमीबाय, आमी आयल्यांच म्हूणटच रापोज सर येसर रावतांव.

एमी : बरें तर.

फांचू : एमी ?

एमी : यस सर ? (फांचूशीं वेता)

फांचू : आगो, ताका सांग की फांचू सर लोकाचीं कामां रोकडेंच करता म्हूण. रापोज सराकय फास्ट करता म्हूण. आगो धाड तांकां म्हजेशीं.

एमी : बरें सर. (धांवत रीटा आनी जुवांव फुडयान वचून)

रीटा जाणाय मगो, आमचो फांचू सर तुमचें काम रोकडेंच करतलो. तुमी ताका कित्याक मेळोनात ?

रीटा : ना एमी, आमकां रापोज बाबाकूच मेळोंक जाय.

फांचू : (रागान) अय्या ! हांव, फांचू सर एट्टा व्हडलो आमलातो म्हाका कोण रेस्पेत दिना ? हीं कितें समजतात ? हांव कच्चो मनीस म्हण ? तुमी म्हाका वळखांन नकळो. (सगळींच अजाप जातात. फांचू बडबडत रावता. रापोज भितर सरता).

रापोज : आरे फांचू (फांचू ओगीच जाता). आरे कितें जालां ? (फांचू मगळोच घाबरता) आरे फांचू, तुजें जालां पूण कितें ?

फांचू : सर, हांव म्हणटालों कीं आतांचो लोक तुका फावो तसो रेस्पेत दिवक नकळो म्हण. (एमी हांसता.) आमचो लोक तुका रेस्पेत दिना म्हण हांव मात्सो तापल्लोलों.

रापोज : लोक म्हाका रेस्पेत दिना म्हण तूं तापलोलो ?

एमी : हय सर, आमचो फांचू सर आयज मात्सोच बेजार कसो जाल्लो. आनी सेवच्या वेळार म्हाका सांगतालो कीं हो लोक तुका रेस्पेत दिना म्हण.

रापोज : हां ; कळळें म्हाका. तें आसू. अेक सांग, हीं कोण ?

एमी : सर, हो जुवांव आनी आनी हे ताचें भेण रीटा. तीं तुकाच मेळोंक आयल्यांत.

रीटा : गुड मोर्नींग सर.

रापोज : गुड मोर्नींग.

जुवांव : रापोजबाबा, हांव जुवांव, ह्या एमीचो शेजारी. ही म्हजी भुव रीटा. मायव आमी अेकदम गरीब. हांव कुड्डो जाल्या कारणान म्हजे व्हागरच्यान कसलेंच काम जायना. चाग काडून म्हजी धवेन मेट्रीक पास केली, टायपीग शिकली आनी जायतें कूर्स केले. पूण सर्विस म्हटल्यार मेळोना जाली. पूण

आखरेक एक सर्विस मेळ्ळी. हांव खोशी जालों, आमचेर सुशाल्कायेचे दिस येतले म्हण आशेल्लों. पूण ... (दुखी जाता).

रापोज : मागीर कितें जालें ? तू ओगीच कित्याक रावलो ?

जुवांव : (रडकुळचा ताळ्यान) सायब, आमी गरीब जाल्या कारणान हे दुडवांकार लोक आमकां गरीबांक बावलीं कशीं खेळोवंक सोदतात. तो दळदरी, जाणे म्हजे धुवेक आपल्या ऑफीसान सर्विसेक दवरलेल्लो, तो म्हजे धुवेचो फायदो घेवंक सोदूंक लागलो. सायब, आमी गरीब जावन, पूण आमकां आमचो अब्रू चड महत्वाचो आसा, देखून म्हजे धुवेन ती सर्विसूच सोडली.

रापोज : व्हेरी बॅड, धीस इज व्हेरी बॅड.

फांचू : सर, असल्या मनशाक फाशीन मारपाक जाय.

एमी : हय सर, हाचेर तुवें कितें पूण उपाय घेवंकूच जाय.

रीटा : सर, आतां म्हाका दादल्या फुडयान सर्विस करची दिसना. एक दादलो म्हज्या दोळ्यांक एक राकास कसो दिसता. त्या खातीर हांव आनीक दादल्याच्या ऑफीसान सर्विस करूंक सोदीना.

रापोज : डोण्ट व्होर्री बेबी. सांग, तूं कितें करूंक सोदताय ?

रीटा : हांव एक धाकटुलें बिजनेस करूंक सोदतां.

जुवांव : सायब, हें बिजनेस करपाक म्हाका तुजो आदार जाय.

रापोज : जेरूल, जेरूल. सांग, तूं कसलें बिजनेस करूंक सोदताय ?

रीटा : सर, आमच्या गांवान हजारांनी लोक आसात, पूण एक पर्यान फेर प्रायस शॉप ना. आमच्या लोकाक दुसऱ्या गांवांत वचून गोंव, तांदूळ, साखर आनी दुसऱ्यो वस्तू हाडच्यो पडटात. त्या खातीर हांव चिन्तालीं आमच्या गांवांत एक फेर प्रायस शॉप उगडपाक.

रापोज : (रीटाचे फाटीर हात मारून) व्हेरी गुड, व्हेरी गुड.

रीटा : सर, तुज्या आदारान हांवें फेर प्रायस शॉप उगडलें जाल्यार

त म्हाकाय बऱ्याक पडलें आनी गांवच्या लोकांकय बऱ्याक पडटलें. लोकांक रेशन लागीं मेळटलें.

रापोज : तुका बऱ्याक पडलें आनी लोकांक रेशन लागीं मेळटलें, तें बरें आसा. पुण म्हजें कितें ?

एमो : सर, आमच्या गांवांत गांवांनीच फेर प्रायस शॉपची गरज आसा.

रापोज : फांचू ?

फांचू : (धांवत रापोजाच्या फुडल्यान वचून) येस सर !

रापोज : ह्या फेर प्रायस शॉपा विशीं कितें करूंया ? (संगीत वाजता आनी फांचू रापोजाच्या कानांत कितें सांगता. संगीत सोंपता) व्हेरी गुड, व्हेरी गुड.

फांचू : सर, धीस इज फांचू द ग्रेट.

रापोज : तें आसा तशें. हांव तुमच्या तुमच्या गांवांत फेर प्रायस शॉप रोकडेंच दितां.

जुवांव : सायब, तुका चड आनी चड देव बरें करूं.

रीटा : हांव अकाउंट्स [illegible] सर. थँक्यू व्हेरी मच्.

रापोज : आयक. आज दिसा थावन हांव तुमका फेर प्रायस शॉप घालून दितां.

जुवांव : सायब, खरेंच तूं देव मनीस

रापोज : हें फेर प्रायस शॉप [illegible] चलयतली. आनी तातूंत तुजे धुवेक रीटाक काम करूंदी.

रीटा : सर, तुवें कितें म्हणलेंय ?

रापोज : आरे फांचू, ताका म्हज्या समजणा [illegible] पडोवया ?

फांचू : आगा बाय आयक. फेर प्रायस शॉप घालून तुका फायदोच जातोलो म्हण कितें खात्री आसा ? आगो लुसकण जाय जाल्यार आनी लुसकण जाता जाल्यार ताचें भेवणेकूच जांवदी. [illegible] मा तिका लुसकाणांत. ते तातूंत गुमसाने [illegible]

सर, तुजें पाप तें. [illegible] बरें आगो कोणाकूय बरें. लुसकाण ताचे मेवणेकूच येवंशी. हा ऽ हा ऽ हा... (हांसता).

रीटा : पूण सर, हांव चिंतालीं तें फेर प्रायम शॉप [illegible]...

रापोज : आगो बाय, तूं आजून भुरगें आसाय. फेर प्रायम शॉप घालूंक पयले सुवातेर हजारांनी दुडू जाय. लुसकाण जालें जाल्यार ? हांव तुका सांगतां की तूं हे भानगडेंत पडोनाका.

जुवांव : बाय रीटा, सायब सांगता तेंच जाल्यार बरें आसा. सायब तुका देव बरें करूं.

रापोज : जुवांव, रीटा, डोण्ट व्होरी... बी हॅप्पी. हांव तुमकां आदार दिना जाल्यार, आनीक कोणाक दितलों ? तुमचें बरेंपण [illegible] जाल्यार कोणाचें चिंतल्लों ? एमी, तूं कितें म्हणटाय ?

एमी : येस सर. तूं म्हणटा तेंच हांवूय म्हणटां. (लिली आनी फेलीक्स येता. रीटा, जुवांव आनी फांचू कितें उलयतात).

लिली : डेडी... डेडी... ?

रापोज : कोण ? म्हजी धुव लिली ? सांग, हो कोण ?

लिली : डेडी, मीट माय फ्रेंड फेलीक्स. फेलीक्स, हो म्हजो मोगाळ डेडी.

फेलीक्स: नायस मिटींग यू आंकल. कसो आसाय तूं ?

रापोज : हांव आसा बरो.

लिली : डेडी, होच तो भुरगो, जाचेलागीं हांव सदांच फोनाचेर उलयतालीं. (रापोज चिंतेस्त कसो जाता).

रापोज : हां, तूं तर तो भुरगो जावन आसाय. अेक सांग, तुजी फामील ?

फेलीक्स: आंकल म्हाका फामील ना.

रापोज : तुजी मांय ?

फेलीक्स: म्हजी मांय हांव भुरगोच आसताना मेली.

रापोज : तुजो पाय ?

फेलीक्स: (नकलो हालोवन ना म्हण सांगता) ना, पाय ना.

रापोज : तुका पायूय ना आनी मायूय ना ?

फेलीक्स: ना.

रापोज : म्हणटच तुजो आगा पुण कोण ?

फेलीक्स: म्हजो कोणूच ना.

रापोज : फेलीक्स, मात्सो असो यो. (फेलीक्साक कुशीक व्हरता). अेक सांग, तुजी जात ...?

फेलीक्स: आंकल, तुवें कितें म्हणलेंय ?

रापोज : तुजी जात कोण ?

म्हजी जात, मनीस जात.

रापोज : हो गोड !... (रागान) फांचू... फांचू ?

फांचू : (धांवत फुडच्यान वचन) सर, कितें जालें ? (घात्रु भितर सरता).

घात्रु : गुड मोर्नींग सर.

रापोज : कोण ? घात्रु ? घात्रु कितें जालां ?

घात्रु : आयज हांगा व्हडली पार्टी आसा कितें ?

रापोज : पार्टी ? कित्याक ?

घात्रु : पार्टी कित्याक काय म्हणून विचारताय ? तुजें प्रायवेट सेक्रेटरी एर्मीचो आयज वड्डें आनी पार्टी ना ? (रापोज एर्मीक पळेता आनी फाच आपले नकलेर हात मारता).

रापोज : फांचू ?

फांचू : यस सर ?

रापोज : आयज एर्माचो वड्डें आनी तुवें म्हाका सांगंक ना ?

घात्रु : कितें ? तुका सांगूक ना ? फाच सकाळीं एर्माक विश करताना हांव पावलों म्हण म्हाका कळलें.

रापोज : फांचून एमीक विश केलें ? फांचू ?

फांचू : कितें सर ?

रापोज : विश करताना इंग्लेजीन कितें म्हणूंक जाय ? वेगीं सांग.

फांचू : (रापोजाच्या कानालागीं तोंड व्हरुन लुवान सांगता) मॅनी हॅप्पी रिटर्न्स ऑफ द डे.

रापोज : थॅंक यू. एमी... (एमी फुडच्यान वचून) मॅनी रिटन्स डे ऑफ हॅप्पी... (एमीक हात दिता अुरलेलीं सगळीं तांकांच पळेत अुरतात. काळोख जाता).

चौथो भाग

(अेका वाड्याचो देखावो. अेका अर्दान कोत्रीनाचें घर आनी दुसऱ्या अर्दान जुवांवचें घर. अेक पेड आसल्लें झाड. अेके कुशीक अेक पोरस् आनी अेक उदकाचो सार्वजनीक नळ. अेक विजलेचो खांबो आनी ताका रस्त्याचेर उजवाड घालपाक विजलेचो दिवो. अेक खुर्साम आनी जायते लोक अेकठांय जावन खुरसाचो नेम करतात. निमणें गायन म्हणतात. कोत्रीन, रापोज, एमी, लिली, फेलीक्स, फ्रांन्च, जुवांव, रीटा, झुजु आदी आसतात).

मिलाग्रोज् सांता क्रुज,
रोगाय, जेजूस पुर नोस,
रोगाय, जेजूस पुर नोस.

(सगळे निमणें मागणें करतात) : देव बरी रात आमकां समेस्तांक दी सायबा. आसल्ल्यांक भलायकी आनी मेल्ल्यांक सर्गीचें राज. तुजे कुपेचें देगाव आमचेर समेस्तांचेर घाल सायबा. (थोडे अेकामेकाक "बोआ नोयत" म्हणटात. थोडे खुर्साचो असाव घेतात. थोडे अेकामेकाकडे उलयतात. भायल्यान फुगट्यांचो आवाज जाता).

कोत्रीन : रापोज बाब, मान्नो बसोन घे. आगो एमी, कदेली हाड मगो. (एमी कदेली हाडूंक वेता.)

रापोज : आगो कोत्रीन, तं म्हज्या पासत वेगळेंच वयर-सकल जायनाका. त तुज्या दुसऱ्या सयऱ्याक पळय (एमी कदेली घेवन येता)

एमी : सर, प्लीज सीट. लिली बस.

रापोज : थँक् यू एमी (कदेलीर बसता).

एमी : लिली, तूं उबेंच रावतलें? बस नू?

लिली : ओ. के. आय शाल सीट. थँकस् (बसता).

कोत्रीन : आगो एमी, दोनूच कदेली हाडल्याय ? फांचू मायत्र आसा मगो.

एमी : सॉर्री सर. व्हेरी सॉर्री सर. (आनीक अेक कदेल हाडूंक धांवता).

फांचू : आगो कोत्रीन, तूं सुमेगान राव गो. आमचे पासून वेगटेच गडबड नाका पळेतां.

कोत्रीन : आरे झुजु, चल मरे मात्से चणे वांट.

झुजु : हांव चणे वांटूं ? रीटा, चल तूं मात्से चणे वांट पळेतां ? तुका मानायटांत रेशन दिवपाची सवय आसा मगो ?

जुवांव : चल बाय, मात्से चणे वांट.

रीटा : बरें बाय. आरे झुजु तूं सोरो वांट्टाय मरे ?

झुजु : हय सर, मंगा वांटपाचें म्हजें काम्च. (रीटा चणे वांट्टा आनी झुजु सोरो वांट्टा).

लिलो : फांचू, तूं मात्सो डेडीकडे अुलय (उठता).

फांचू : तूं खंय वेताय तर ?

लिलो : आरे हांव खंय वचोना (वचूंक करता).

रापोज : लिली तूं खंय वेताय ?

लिली : खंय ना डेडी, हांगाच. (फेलीक्सा फुडयान वेता आनी खोशेन अेकामेकाकडें अुलयतात. जुवांव रापोजाफुडयान वेता.)

जुवांव : रापोजबाब, कसो आसाय ?

रापोज : हांव अेकदम बरो आसां. तुमी बरे आसल्यार हांव बरो. किते म्हणटाय रे फांचू ?

फांचू : हय सर. अेका आमदाराचें बरेपण म्हणल्यार ताचो लोक.

जुवांव : रापोजबाब, आमचो सगळो लोक अेकदम बरो आसा.

रापोज : म्हणजेच हांवूय बरो आसां (दोगूय अुलयत रावतात).

लिली : फेलीक्स, तूं पयस-पयस रावताय म्हणून हांव लागीं आयल्यां

(फेलीक्स हांसता) चल फेलीक्स, तूं म्हज्या डेझी फुडयान यो आनी ताच्या फुडयान बस. ताचे लागीं गोड-गोड खबरो कर...

फेलीक्स: लिली, मान्शें तुवान अुलय. कोणय आयकन जाल्यार धांदल जावंक खरी.

लिली : धांदल ? कित्याक जातली ?

फेलीक्स: लिली आयक. तूं सांगताय म्हण हांव अेक दिस तुज्या डेझी लागीं अुलयलों. बरोच वेळ दिस्कशन केलें. पुण म्हाका अशें दिसलें की म्हजे विचार आनी ताचे विचार अेकामेकाक कशेच मेळना. आमच्यो दोगांच्योय वाटयो सारक्यो विरोधी आसात.

लिली : फेलीक्स, अेका अुडावयान तुजे लागीं म्हज्या डेझीक वळखोंक जावचीना. तुवें ताचे लागीं पर्थून पर्थून भासाभास करूंक जाय. तुजे विचार, ताचे विचार अेकामेकान समजुन घेवपाचे प्रयत्न करूंक जाय.

फेलीक्स: लिली, सांगतां म्हण रागार जायनाका. तुवें तुज्या डेझीक फाटल्या पांच वर्सांक वळखोंक ना. पुण हांवें तुज्या डेझीक अेकेच भेटेन वळखली.

लिली : फेलीक्स, कित्याक म्हण तूं म्हज्या डेझीक दुबावान पळेताय ?

फेलीक्स: लिली, तो म्हजो दुबाव न्हय. तें खरेंपण. जाणाय न लिली, की झगझगता तितलेंय भांगर आसोना म्हण ? (दोगाय अुलयत आसतात).

कोत्रीन: आरे सगळ्याक सारकें मेळ मुरे ? गीटा बाय, चल गो चणे सगळ्यांक आंट मगो ?

गीटा : बरें कोत्रीन आंण्टी. तें हांव पळेतां.

कोत्रीन: आरे झुजु, सोरो सगळ्यांक दिल मुरे ?

झुजु : आगो कोत्रीन, तूं त्या खार्नार वयर-खाल्ता जायनाका. सोऱ्याचें म्हजेर सोड गो. (कोत्रीन सगळ्यांकडे वचून खावंक-पियेवंक

मेळलें जाल्यार खबर घेता).

पांडू : (पांडूचो सोरो मात्सो चड जाल्लो आसता). आरे झुजु, म्हाका आनीक अेक कोप दी रे.

झुज : आरे, तुका कितलीं कोपां दिलीं मरे. आनीकूय जाय ?

पांडू : आरे झुजु, तूं कितें म्हणटाय ? आरे हांव केन्ना तुमचे लादायर्नीक येतां ? चेट् ! कोत्रीन म्हजें सारकें शेजान्न म्हण आयलां. समजलाय ? वाल आनीक अेक कोप.

झुज : घे. (पांडूच्या कोपान सोरो घालता). मार तुका जाय पळे तो. हांवूय इल्लें शेकोयतां. (आपल्याकूय कोपान सोरो घालता). ना जाल्यार हांव फक्त सोरो वांटपाकूच उरोत. (दोगूय सोरो पियेतात).

झुजु : पांडू आयक. कोणाक सांगू नाका.

पांडू : चेट ! हांव सांगतां ?

झुजु : हो सारको सेग्रेद आसा.

पांडू : जाणा रे. सांग पुण कितें तें ?

झुजु : आयक. सगळो लोक कितें म्हणटात जाणाय तूं ?

पांडू : नकळो. कितें म्हणटात ?

झुजु : हा ऽ हा ऽ हा !... नकळो तूं ?

पांडू : आरे कोणाक कितें म्हणटात ?

झुजु : आरे कोत्रीनाच्या चेडवाक.

पांडू : कोत्रीनाच्या चेडवाक ? कितें जालां ?

झुजु : आरे कोत्रीनाचे चेडूं एमी, ताका वळखताय मरे ?

पांडू : वळखताय म्हण विचारताय ? तें आमचें शेजान्न मरे.

झुजु : हय ताकाच. एमीक त्या कोत्रीनाच्या चेडवाक सगळो गांवचो लोक रापोजाचें सटेल म्हणटात.

पांडू : सटेल ? सटेल ? आरे झुजु, हें सटेल म्हणचे कितें रे ?

झुजु : हू ! आगो राय. येत्रेद गो. तणाकृन सांगु नाका (लकत–लकत दुसरेकडें वेता).

पांडू : मटेल ? (चिन्ता) हे मटेल म्हणचे किते ? (चिंतीन आसता).

रापोज : आगो कोत्रीन आमी आतां वेतांव.

कोत्रीन: मायब दोनूच मिनीट. फेलीक्स, झुजु, पाडू आरे सगळे भितर्गीन येयात रे. लागी येयात रे (सगळे लागी येतात).

झुज : किते जालें गो रापोन ? सगळ्याक आपयतात तें ?

कोत्रीन: आरे आमी रापोजराव वयता म्हणांता त्या खातीर आपयतां.

पांडू : आरे फांचू ?

फांचू : किते रे पांडू शेट ? बरो मारे कसो आसतास मरे ?

पांडू : फांचू मात्सो असां यो. (दोगूय कुशीक वेतात).

फांचू : कितें जालें रे पांडू शेट ?

पांडू : (कार्टा-फुडें पळेवन) विचारतां म्हूण रागार जाल्लो मरे ?

फांचू : रागार ? चेट ! मांग कितें जालां ?

पांडू : (लज्जान) फांचू एक सांग, मटेल म्हणचें किते रे फांचू ?

फांचू : मटेल ? मटेल ?... (चिंतूक पडटा) मटेल ? हें आनीक कितें रे पांडू ?

पांडू : आरे फांचू कोणाक सांगू नाका हां ?

फांचू : कोणाक सागोना रे. कितें तें ?

पांडू : (पर्दुन फाटल्या–फुडल्यान पळेवन) आरे फांचू. आमाय तू लोक कितें म्हणटात तें ?

फांचू : लोक कितें म्हणटात रे पांडु ?

पांडू : आरे तू त्या कार्तानाच्या भेडवाक पर्मार करतलाय मरे ?

फांचू : हय तर. तें आनीक विचारुंक जाय ?

पांडू : आरे सगळो लोक [illegible] कितें म्हणटात जाणाय ?

फांचू : नकळो. कितें म्हणटात ?

पांडू : सगळो लोक कितें म्हणटात जाणाय ? कोतीनाचें चेडूं एमी, रापोजाचें सटेल खंय...

फांचू : सटेल ? (तकली खरपीता आनी चिंतूंक पडटा). आरे पांडू, हें सटेल म्हणल्यार कितें रे ?

पांडू : शूः ओगीच राव. कोणाक सांगोनाका. (पांडू फुडें वेता).

फांचू : आरे तूं भल्लाय. पूण हें सटेल कितें ? सटेल... (चिंतूंक पडटा).

कोत्रीन : आतां हांव आमच्या [illegible] मागोनां ताणें आमकां दोन उतरां सांगोचीं.

फांचू : सर, कातोर रे भाजी...

एमी : सर, आमच्या लोकाक तुजीं दोन उतरां सांग आनी खोशी कर.

रापोज : बरें तर. तुजें [illegible] येता ? पयलें सुवातेर हांव [illegible] म्हणटां, कित्याक ताणें म्हाका [illegible] आफयलो म्हण. दुसरे सुवातेर हांव सगळ्या लोकाक [illegible] दिसवासतां, कित्याक तुमी म्हाका [illegible] दिलो म्हण आनी तुमचो आदार आसलो म्हण हांव तुमचीं सगळीं कामां करूंक पावलो म्हणून. तुमी जाणात की तुमचीं सगळीं कामां हांवें केल्यांत म्हण. अेकय काम [illegible] ना. त्या खातीर आतां पळे [illegible] आता, तांतूंन तुमी म्हाकाच मत घालचें म्हण हांव तुमचे लागीं मागतां. तुमचें मत फकत म्हाकाच दियात. देव बरें करूं. (लोक ताळयो पेट्टात).

पांडू : ह्या राजकारणाक शेन आनी [illegible] ना. [illegible] तेच भासेन. म्हाका मतां दियात ? शी, शी, शी...

इजू : आरे पांडू, अशीं कित्याक उलयता रे ?

जुवांव : फेलीक्स बाबू, फेलीक्स बाबू तूंय दोन उतरां उलय गे ?

फेलीक्स: हांव ? उलोंव ?

कोत्रीन : फेलीक्स तूं उलोयच. रापोज बाब, हो फेलीक्स मुगे आमग्या गावांत व्हडलो हिरो.

झुजु : सारको अमिताब बच्चन कसो.

कोत्रीन : रापोज बाब, हो फेलीक्स आमग्या लोकाक केन्नाय आदार दिता. फेलीक्स उलय तूं.

लिली : कमोन फेलीक्स.

फेलीक्स: बरें आमा. तुमी उलय म्हणटात जाल्यार हांव उलयतां. खरेपणी कोत्रीन मावशेच्या नेर्माक हें उलवप सोभाना. पुण जेन्ना आमच्या आमदारान सगळीं कामां केल्यांत म्हण उलोव केला, त्या खातीर हांव आमच्या मानादीक आमदाराक सांगूक सादता का लोक तुर्शी ना. लोक दुखी जाल्यात [illegible] पेन्शन लोकाक मेळना. ब्लेकान नांव [illegible] आसा. लोक [illegible] आसा की [illegible] सोभाना. आनीक दोन वर्सां [illegible] आसा. आनी [illegible] आसतना, सरकार आनीक [illegible] परमीट दिता. लोक [illegible] की [illegible] सगळे रस्ते डांबरांचे केले म्हण. पुण आतां दुखी जाले. [illegible] पयलीं ते सगळे रस्ते पावसाळ्यान व्हांवान गेले. त्या खातीर हांव ह्या लोकां वतीन तुमकां विनंती करतां की हीं सगळीं कामां नवें करचीं आनी लोकाक सगळ्या धादोशी करचो. देव बरें करूं. (ताळ्यांचो [illegible] घणघण जाता. रापोज आपलो घाम पुसता. सगळे येवन फेलीक्साक हात दितात).

झुजु : आगा कोत्रीन, आयचो दिस सारको बेस्ट हां ? जशी पगी मादाली [illegible] आनी [illegible] मिवम जातीच [illegible] तेच परी [illegible] आनी [illegible] जाल्या आनी

सारकी तकलेक चडल्या रे पुना.

कोत्रीन : सगळचांक तुमकां देव बरें करुं...

झुज : आगो सावुदीचें कांतार अस्लां मगो ? हांव म्हणटां मगो सावुदीचें कांतार.

पांडू : आगे झुजु, सावुदीचें कांतार मागके ते भासेन जावंदी. (झुजु कांतार म्हणटा).

I

मनशान सदांच संवसारांतु
फाटफुडो पळोवन चलचें रे,
व्हडलो जाला म्हण विसरचो न्हय,
गरीब धाकटचांक मेळचें रे,
अुतरां म्हजीं माले कशे,
भेजो आसा ताणीं नियाळचें रे,
वेपें हें हांव अुडयतां तें,
फीट जाता ताणे तकलेक घालचें रे.

कोरस

गरीब लोक मतां दितां,
गिरेस्त लोक आमदार जाता,
आमदार जावन स्कॉट पिता,
गरीब बाबडे फेणीच घेता.

II

येलेयसांव दिसांनी अुमेदवारु,
दीस–रात तुमगेर बसता रे,
लाळे–पोळे कायबरे लायता,
तो पळेवंक तुजोच दिसता रे,
इंतेर, तेस्रू कांयच सोडीना,
सदांच तुमगेर आसता रे,
येलेयसांव जातोच चुरचुरे तुजे,
तो हडकूंक पामून लजता रे.

कोरस

गांव हो गरीबांनी भरला,
सरकार गिरेस्तांनी धरला,
दिमान दिस गिरेस्त वयर चडला,
गरीब बापडो खालाच पडला.

झुजु : व्हिवा, व्हिवा ! (सगळे लोक व्हिवा म्हणटात आनी ताळयो मारतात. रापोज सारको बेजार जाता).

रापोज : (रागान) कांतोत. आता वेनांव. लिली, फांचू चल आमी या.

लिली : ओ. के. आमी आमी वेनांव. फेलीसम मा यू. वाय ? (वचूंक करतात).

फांचू : सर ? (रापोज रावता).

रापोज : कितें जालें रे फांचू ?

फांचू : हरशी सदांच तू म्हाका विचारताय. हांव आयज तुका एक विचारुं ?

रापोज : किते विचारुंक सोदताय ? सगळ्यांक विचार. आगे हागा आनीक रावपाचें आसा ?

फांचू : सर, सटेल म्हणचे कितें ?

रापोज : सटेल ? सटेल ? (चिंतूंक पडटा). आगा लिली, सटेल म्हणचे कितें ?

लिली : सटेल ? (चिंतूंक पडटा) हांव नकळो डेडी.

फांचू : सर, तुका नकळो ? लिलीक नकळो ? आनी हांवय नकळो

रापोज : आरे, जालां पुण कितें ?

फांचू : सर, कोणाकूच सांगू नाका हां ? सेग्रेद तो.

रापोज : आरे, कसलो सेग्रेद रे ? म्हजो वेळ पिड्रेर करीनाका.

फांचू : सर, सगळो लोक कितें म्हणटात जाणांय ?

रापोज : कितें म्हणटात ?

फांचू : लोक म्हणटात, तें कांतीनाचें चेडू एमी रापोजाचें सटेल !

रापोज : शट् अप् ! कितें ? एमी म्हज्जें सटेल ? शट् अप् ! (सगळे थटाकतात आनी रापोजाकूच पळेवंक अुरतात. काळोख जाता).

पांचवो भाग

(चौथ्या भागांतलो देखावो. जुवांव, कोत्रीन आनी झुजु आसता).

कोत्रीन : जाणा मुरे जुवांव, म्हाका जाल्यार हें मात बरें दिसना. आमगे रापोज बाबाचें नांव बेस्टेंच पिट्टुर कोत मुरे.

जुवांव : आगो कोत्रीन, रापोज बाबान आमचे मगळे रस्ते दामराव केले मुगो ?

कोत्रीन : केल तर? रोकडेच केलेय.

झुजु : रोकडेच केले ते बरें जालें. अेक माग, आतां किते जालां त्या रस्त्यांचें ?

कोत्रीन : त्या रस्त्यांचे किते जालें रे ? फोंडकल पाडू मुरे ?

झुजु : फोंडकुलांच न्हय. थोडे सुवातेर रस्तेच ना, दुरें गेल्यवसांव येंवच्या आदींच मगळे रस्ते कोंमळोन गेले.

जुवांव : ह्याच खातीर लोक म्हणटात की सरकारान हे मगळे रस्ते सारके करपाक सुमार पन्नास लाख रुपया मोडलेत खंय. इतलेय लाख रापोजाच्या भरण्यान पेटले खंय. ता रस्त्यांचो कान्त्राक्टर मगा ? पोचपांतान रस्ते केले आनी अेक दुडू बोलसान घातले, म्हण लोक अुलयतात.

कोत्रीन : जुवांव, तूं हे खरें सागोत रे ?

जुवांव : आगो कोत्रीन, देखतच हे रस्ते फाटल्या पावसान कोंमळोन गेले मगो.

कोत्रीन : हाव आजून तुमचें मानून घेयना ना. आरे पावस येवल्ल म्हण रस्ते कोंमाळले. बरें आतां. पावस नासतोना माडावो पुल केसो मोडील रे ? सांग मुरे.

जुवांव : आगो कोर्तीन, आमचें अशेंच चल्लां. आयच्या आमदारांचें आनी मंत्र्यांचें धिलोण तेंच. कसलेंय काम करपाक सरकार अमकाच दुडू दिता. त्या दुडवांतलो अर्दो दुडू कामाक मोडप आनी उरिल्लो अर्दो दुडू आपल्या बोल्सांनी भरप. म्हणटच रस्ते आनी पुल कशे तगतले ?

कोत्रीन : हें तुमचें म्हाक कायच समजना. (पांडूशेट येता.)

पांडू : आरे जुवांव, हांव आनीक कसोच आंगो रावपाचो ना. आरे हो आमचो आमदार आमकां कसोच वयर सरूंक दिना मरे.

जुवांव : तुजें आनीक कितें जालें रे पांडू ?

पांडू : येवदी फेल्लीसाक, मात्शो येवंदी. हांव दाखयतां त्या रापोज आमदाराक.

कोत्रीन : आरे पांडू, तुजें कितें जालें रे ? आरे तूं गाग्को लोन्वोण केसो तापोल मुरे ?

झुजू : आरे पांडू, तुजें जालां पुण कितें रे ?

पांडू : आरे, सगळ्यांन पयलीं हांव ह्या गावांत बस घालपाक आसलों. हय मगो कोर्तीन ?

कोत्रीन: हय रे पांडू शेट. आमीच गेल्ले मुरे रापोज बाबाक सांगूंक ?

पांडू : रापोजान कितें काय म्हणल्यार, तो बस घालपाक म्हाका दिलोना, पुण आपल्या बापुल भावाक परमीट दिलें तो बस घालपाक.

जुवांव : हय, हांव जाणा ती खबर.

पांडू : ह्या गांवाक आनी अेक बस जाय म्हण फेलीक्स बाबान खटपट केली. आनी दुसरी बस घालपाक म्हाका परमीट मेळपाचें आसलें...

झुजू : मेळपाचें आसलें ? अुप्रांत कितें जालें ?

पांडू : त्या दळर्दान्या रापोज आमदारान आडायलें मरे.

जुवांव : आडायतलोच तो. तुवें आनीक अेक बस घातल्यार ताच्या बापुल भावाचें प्रोफीट थोडें जातलें नुरे ?

भुजु : जुवांव आंकल, हें तुजें मात सारखें.

कोत्रीन: पुण म्हाक जाल्यार हें सत दिसोना रे.

पांडू : आगो कोत्रीन, हें तुका मन दिसचेंव ना. तुजें चेडूं ताचें मटेल न्हय गो ?

कोत्रीन: (रागान) पांडू किन म्हण्ट रे तूं ?

भुजु : आगो कोत्रीन, अेक सांग. तुवें किनें आयकलां ?

कोत्रीन: तेंवा रचार्गीता मरे ? मुग्या वेडयाक किन म्हण्ट रे तूं ?

भुज : आगो तो म्हण्टा की तुजें चेड शेवटाक पासून ताच्या ऑफीसान सर्विसेक आसल्यार पुरो म्हण.

कोत्रीन: शेवटाक पासून ? पुण कित्याक ?

भुज : आगो, तुजें चेडूं ताच्या ऑफिसान आसल्यार तो किनें भानगडी करता त्यो आमकां कळटल्यो न्हंगो ? त्या खातीर शेवटाक पासून तें सर्विसेक आसल्यार पुरो.

कोत्रीन: हां, तेश म्हण्ट रे ? तेश जाल्यार बरें आसा. (बेजार जावन रीटा येता).

जुवांव : बाय, आयलेंय तूं ?

रीटा : आयलीं पाय.

कोत्रीन: रीटा, तुका आयज किन जाल गो ? तं आनेंत रे ?

रीटा : कार्थान आंण्टी, आयज म्हजी नकली सारकी बेजार झाली.

जुवांव : नकली बेजार झाली ? कित्याक ?

रीटा : आयज कितल्योच गरीब लोक रेशन ना म्हण परतून गेल्यो. गंव, तांदूळ, साखर, पेट्रोल आनी तेल गडांवान भरपूर आसा. पुण लोकाक दिनात. भायल्या – भायर लोकान विकतात. हें पळेवन अकली बेजार जानल्यो वा ना ?

पांडू : हो म्हाका दुबाव आसल्लोन. हाव्य म्हणटा दान दिसानीस रेशन कशें कावार जाता काय म्हण.

रीटा : [illegible] गांवांत आमच्यागर्ली मेवणी आल्या कारणान [illegible] [illegible]. [illegible] आनी अंगीच पर्यून वेता रेजन घेनास्ताना.

झुज : हावय म्हणटां. [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] कशी घेतली काय म्हणून. आतां कळळें.

पांडू : आरे जुवांव, आमकां अेक सोसायटी पावना ? आमकां आनीक अेक सोसायटी नाका आनली ?

जुवांव : जेरुल आमका आनीक अेक सोसायटी जाय, पुण...

रीटा : [illegible] हे फेर प्रा[illegible] [illegible] [illegible] [illegible] आनली. म्हाका घालूंक दिलां ? ना. रापोज आमदारान आपले मेवणेक घालूंक [illegible] आनी [illegible] [illegible] [illegible] कर म्हण [illegible]. कितें करुं या ?... (वेता).

जुवांव : आगो बाय सत्ते फुडें शाणपण चलोना. ओगी राव. देव आसा.

झुज : [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] रीटाक सोसायटी घालूंक कित्याक दिलीना ती ?

कोत्रीन : कित्याक रे झुजु ?

पांडू : आगो रीटाक सोसायटी दिली जाल्यार [illegible] [illegible] कशें मेळटलें आसलें ?

झुजु : सारकें अुलयलय तूं (घाब्रु येता).

घाब्रु : आरे कसली मिटींग चल्ल्या रे हांगा ?

झुजु : (घाबरून) आरे [illegible] [illegible] हो आनी [illegible] हांगा आयला पुण कित्याक ?

घाब्रु : [illegible] [illegible]. [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] रापोज बाबाचेर कोंत्र-सो जाला म्हण. हे खरें गो ?

कोत्रीन : चल रे गब्बोर सिग. आमगे लोक रापोज बाबाचेर कोंत्र जाताय ? चेट ?

घात्रु : ना मगो ? खरेंच ना मगो ? आगा [illegible], [illegible]. (कार्तीनाक [illegible] व्हरता). अेक [illegible]. [illegible] त्या [illegible] ह्या गांवचा सगळो लोक आमच्या रापोज बाबाकूच मतां दिनलो मगो ?

कोर्तीन : [illegible] सिग. तें आर्मीक सांगपाक जाय ?

घात्रु : बरें तर, तूं चल. (कार्तीन वेता). अरे झुजु, [illegible] हांगा यो.

झज : (धांवून) कितें जालें सायब ?

घात्रु : कायच जावंक ना. आतां फुडें जावपाचें आसा.

झजु : बरें सायब.

घात्रु : तूं म्हाका वळखताय मरे ?

झज : वळखनाय म्हणून [illegible] ? तुजो बापाय आनी माजो बापाय [illegible] घट [illegible]. माजो पाय आनी तुजा पाय [illegible] आर्मीग आसले. म्हणटच हाव आनी तूं बरे फ्रेंड जाले न्हय ?

घात्रु : बरें, बरें. हावें आयकला का तूं रापोज बाबा वयर वायट खबरो लोकाक सांगताय म्हण.

झज : ([illegible]) हाव ? रापोजाबयर वायट खबरो ? छट ! रापोजा [illegible] मतीन आर्मीक ना [illegible] सांगता, [illegible] सांगता, तुज्या पायच्यान सांगतां, की ह्या गावांतलीं सगळीं मतां रापोजाकूच.

घात्रु : सत मरे ?

झज : [illegible].

घात्रु : [illegible]. पुण अरपाटें ह्या [illegible] अेक-अेकल्यांचें दोंक मोडल्यां समजल्य ?

झज : समजलों सायब.

घात्रु : चल वच आनी त्या पांद्रक आफयतां म्हण सांग.

झुजु : बरें सायब. (पांडू फुडयान वेता). आरे पांडू तो घाब्रु तुका आफयता.

पांडू : म्हाका आफयता ? कोण ?

झुजु : आरे तो घाब्रु दादा तुका आफयता रे.

पांडू : तो घाब्रु म्हाका आफयता ? किद्याक ?

झुजु : किद्याक तें हांव नकळो. आरे वच पापया, तो आफयता तुका.

पांडू : आरे चल वच आनी ताका सांग हांव येना म्हण.

घाब्रु : झुजु ! (झुजु धावत ताचेशीं वेता).

झुजु : सायब, पांडू सांगता आपुण येना म्हण.

घाब्रु : अच्चा ! येना म्हण सांगता ? ([illegible]) [illegible] ताका घाब्रु आफयता म्हण.

झुजु : (कडकडून) सांगलें सायब, तरुय तो आयकना.

घाब्रु : वच आनी निमणें [illegible] आफयता म्हण. [illegible] आनी झुजु धांवत पांडू फुडयान वेता).

झुजु : आरे पांडू, घाब्रुन [illegible] तुका निमणें फावट सांग म्हणून तो तुका आफयता [illegible]. चल वच [illegible] ताच्या फुडयान.

पांडू : कोण आफयता, घाब्रु ?

झुजु : हय रे पापया.

पांडू : वच आनी त्या [illegible] घाब्रुच्या [illegible] पासून येना म्हण. चल वच. (झुजु भियेत आनी लाचारपणान चलता).

घाब्रु : झुजु ! (झुजु धांवन घाब्रु फुडयान वेता).

[illegible] : सायब, पांडू सांगता की तुज्या पायन पासून आफयल्यार येना म्हण.

घाब्रु : कितें (रागांत जावन पांडू फुडयान वेता आनी ताच्या

कोंटाक धरून तातो भोंडीन-भोंडीन हाडटा). आरे तुका कान आसात ?

पांडू : कान आसात काय म्हण विचारताय ? हे आसात ते किते ? कान न्हय ?

घात्रु : हांवें तुका आफोवक जाडलो तें तुवें आयकूंक ना ?

पांडू : आयकूंक ना ? कोण सांगता ? हांव बेड्डो न्हय.

घात्रु : तर कित्याक येवंक ना ?

पांडू : कित्याक येंवचो ?

घात्रु : पांडू, तूं चड अकल्नाय. आतां आयक बरें सांगतां. आतांक म्हणून तूं म्हजे वाटी [illegible] वरतीन. हांव [illegible] बत्तीसय दांत काडून हातान दितलों.

पांडू : म्हजे दांत काडून तूं हातान दितलो ? आनी म्हजे दांत किते मेणाचे ? दांत पळोवया... (घात्रुच्या आंगार वेता).

घात्रु : (रागान) हाय, हाय, हाय... किते, तूं म्हाका तेंकलय ?

पांडू : तेकोंक ना. तुका हालयलो.

घात्रु : तुका तर हांव बद शिकयता आतां हांव त्याच पायचा चेडो न्हय (तिडकीन भायर वेता).

पांडू : आरे चल, तुज्या अमले हांवें खुब पळयल्यात.

जुवांव : आरे पांडू, त्या घात्रुचें जालां पुण किते ?

कोत्रीन : आरे पांडू, तो इतु कित्याक तापोल रे ?

पांडू : आगा, हो [illegible] हांव ताका भियेता ? (एमी येता).

एमी : आकळ, फेलीक्स आयलो ?

जुवांव : ना बाय, किते जालां ?

एमी : जुजु, फेलीक्स येवंक ना रे ?

सज : हांवें जाल्यार पळेवंक ना.

कोत्रीन : आगो एमी, किन जाल गो ?

एमी : समर्थी, आज फेलीक्स रापोज सगाक मेळुक आयलोलो.

पांडू : आगो एमी, जाली तांची मिटींग ?

एमी : हय, तांची मिटींग जाली. अुलयतां–अुलयतां दोगय अेकामेकाचेर तापले.

जुवांव : झगडीं वा जावंक ना मगो, एमी बाय ?

एमी : झगडीं जावंक ना आंकल. पुण रापोज सर म्हणों लागलो कीं फेलीक्स कितलो आसा ना आपूण पळेतलो म्हण.

झुजु : आनी फेलीक्स ओगीच रावलो ?

पांडू : आगे चल, फेलीक्स आनी ओगो रावता ? एमी अप्रांत फेलीक्सान कितें म्हटलें ?

एमी : फेलीक्स म्हणों लागलो कीं आपूण सताक आनी नितीक अुजतलों आनी रापोज सगाच्या विखाळच्या करण्यां सगळ्यांक दाखल करतलों. आनी रागान घरांतलो भायर सरून गेलो.

पांडू : बरें सांगलें, अेंकदम बरें सांगलें.

जुवांव : अशें जालें ? तशें जाल्यार आमी आतां चतूर रावचें पडलें.

कोत्रीन : आगो एमी, तूं किन सांगोत गो ? आमगे रापोज जाव कितू बोर मनीस मगो ?

पांडू : आगो कोत्रीन, तूं माल्शें आगी राव पळेतां. तूं मगो कांयच नकळो. माल्शें तुजें तोंड बंद कर. आगे झुजु, तूं किनें रे, तुजो जाबूच ना शी ?

झुजु : आगे किनें सांगू ? त्या घाबरून आपली मूठ म्हज्या तोंडाक नेंकयली आनी म्हजी जाबूच बंद जाली. (रडटा. फेलीक्स येता. सगळे फेलीक्सा फुडयान धांवतात).

कोत्रीन : फेलीक्स बाब, कित जाल रे ?

जुवांव : फेलीक्स, तुजें आनी रापोजाचें झगडें जालें ?

पांडू : फेलीक्स बाब, तुवें ताका कडक जबाब दिवन बेस बरें केलें.

सगळे : सांग फेलीक्स बाब, कितें जालां ?

फेलीक्स : सुशेगान आसात. जाल्या तें बरेंच जालां. गांवच्या लोकांक आशिल्ल्या प्रमाण, गांव वचून गाबोज आमदाराक मेळ्ळों. आनी आमचे सगळे प्रश्न आनीक तशेच सामासास केले. पुण...

जुवांव : पुण कितें जाले ? सांग फेलीक्स.

फेलीक्स: गाबोज ह्या गांवान दुसरो बम घालपाक तयार ना.

पांडू : हांव तें जाणाच आसलों.

फेलीक्स: येलेयमांव जातीच घडये ना आमका दुसरो बम घालीत. पुण तीवद बम ताचो बापूल भावूच घालतलो.

पांडू : कळ्ळें. दुसऱ्यान बम घालताल्यार ताच्या बापूल भावाचीं खळे जायत म्हण तो भियेता.

फेलीक्स: उल्लेन म्हय, ह्या गावांत आनीक अेक दुसरें फेर प्रायस शॉप दिवपाक तो बिल्कूल कबूल ना.

जुवांव : आसाच ना. आनीक अेक फेर प्रायस शॉप आसल्यार तांचे मनशेक फायदो जाता ना थोडो जावंक म्हय ?

फेलीक्स: आनी हें कोणाच्यान गेल्ले रस्तो जे मात ना आसा गाबोजेन करता खंय.

कोत्रीन : म्हाक कोळ्ळेलेंच. आमगे गाबोज बाब हे रस्ते मारके करतोल म्हण.

फेलीक्स: पुण त्या रस्त्याचो कोणाक कांयच तुका वा तुमच्या लोकांक मेळपा ना. ताचो मवणाच कोंवाद येतलो. पर्शन अगलेच पचपचीत रस्ते करतलो. पुण आपल्या कुन्यादाक मात येलेयमांवाक बरे दुडु अेकठांय करतलो.

पांडू : फेलीक्स बाब, हें तुजें अस्मल सत.

फेलीक्स: आनी जाणात तुमी तागें म्हाका त्या फुडें कितें सांगलें तें ?

सगळे : कितें सांगलें ?

फेलीक्स म्हज्या खांदार हात घातलो. म्हाका बरें लाळे-पाळे लायले आनी म्हणों लागलो : फेलीक्स, तूं गांवच्या लोकाक समजाय तूं आपल्या बयर लोकाक बरें तेंच सांग. आपुण गांवच्या बऱ्या खातीर, समाजाचे सेवे खातीर वावुरता म्हण सांग. लोकाचीं मनां जीख आनी येता त्या येलेयसांवाक सगळीं मतां आपल्याक फावो कर म्हण. आनी हावें अशें केल्यार रापोज आमदार म्हाका दोन लाख रुपया दिवंक कबूल आसा.

जुवांव : कितें म्हणलेंय ?

फेलीक्स: हांव येलेयसांवाक रापोजा पासत वावुरल्यार तो म्हाका दोन लाख रुपया दिवंक कबूल जालो.

सगळे : कितें ? दोन लाख ? ! (सगळीं एका-मेकाक पळेवंक उरतात. काळोख जाता).

सवो भाग

(पांचव्या भागांतलो देखावो. रेमंड, फांच आनी फेलीक्स आसता).

फांचू : फेलीक्स, हो जावन आसा रेमंड गोदिं. रेमंड, हो फेलीक्स.

फेलीक्स: नायस् मिटींग य मिस्टर रेमंड. (अेकामेकाक हात दिताद)

रेमंड : तुका मेळूंक हांव अेकदम खोशी.

फेलीक्स: रेमंड, तूं म्हाका कित्याक म्हण मेळूंक सोदी ?

रेमंड : फेलीक्स, हांवें तुजें नांव खुब फावट आयकलां हालींच्या दिसांनी तुजें नांव सगळ्याकूच गाजता. ह्या मतदारसंघात तूं फेलीक्सनावाक अशा [illegible] तूं अेकदम फामाद जाल्याय.

फांचू : खरेंच फेलीक्स, रेमंड सांगता तें मारकें सत.

फेलीक्स: रेमंड, म्हजो अेकूच उद्देश आनी तो म्हळ्यार लोकांची सेवा. लोकांच्या मागण्याकूच लागून हांव अुमेदवार म्हण अुबो रावलां. हांव [illegible] अेकदां त [illegible] मर्जी जालो. अेक [illegible] मनांत [illegible] [illegible] [illegible]. [illegible] पुण [illegible] [illegible]. [illegible] [illegible] आनी [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] नाकाम्हं [illegible] [illegible]. हांवें तांचें मागणें आयकलें आनी अुमेदवार म्हण अुबो रावलों.

फांचू : रेमंड, तू जाणाय [illegible] कीं फेलीक्स आमच्या लिली [illegible] काजार जावपाचो आसा म्हण ?

रेमंड : (अजाप जावन) किनें ? फेलीक्स लिली लागीं काजार जावपाचो आसा ? म्हणजे [illegible] फेलीक्साचो मागणाय जावपाचो आसा ?

फांचू : हय, तांतून मातूय दुबाव ना.

रेमंड : म्हणच हे येलेयसांव जावूय आनी सागूपाय ऐका-मेका आड झगडटात तर ?

फेलीक्स: रेमंड, सांगता म्हण रागार जायनाका. पर्संनल मॅटर्स् आनी पब्लीक इश्यूस् ह्यो दोन वेग-वेगळ्यो वस्तू जावन आसात. ह्यो ऐका-मेकाक जोडप हें चुकीचें. दिल्ली म्हजे लागीं बाजार जावंक मोडता, कित्याक ताका दिसलां गरीब पासून जालो जाल्यार, हांव प्रामाणीक मनीस जावन आसा. आनी हांव रापोजा आड येलेयसांव झगडूक फुडें सरलां, कित्याक म्हाका दिसता की रापोज अनीत करता, भ्रश्टाचार करता, समाज सेवेच्या नांवान आपली स्वताची सेवा करता.

रेमंड : फेलीक्स, तें सगळें बरें आसा। हांव आयल्लों ऐका कामाक आनी आमी दुसरेंच उलोवंक लागले.

फेलीक्स: कसल्या कामाक आयल्लो तूं रेमंड ?

रेमंड : हांव आयलां तुज्या बऱ्याची खबर करपाक. हांव आयलां तुका वयर काडपाक.

फेलीक्स: बऱ्याची खबर ? वयर काडपाक ? हांव समजूंक ना.

फांचू : रेमंड ताका सारकें सांग पळोवया.

रेमंड : फेलीक्स, हांव आयल्या प्रमाण तूं ऐक गरीब भुरगो. तुका रावपाक पासून तुजें स्वताचें घर ना.

फेलीक्स: हें तुवें सत तेंच आयकलां.

रेमंड : त्या खातीर हांवें चितलां तें हें (आपली ब्रीफकेस उगडटा आनी गिफ्ट डीड पेपर्स काडटा आनी फेलीक्साकडें दिता). तें हे पेपर्स आनी वाचून पळे. (फेलीक्स तें घेता आनी वाचता).

फेलीक्स: किदें, गिफ्ट डीड ? (रेमंडाक वयर-सकल पळेता) देड हजार स्क्वेर मिटर जमीन ? आनां तुवें ती म्हज्या नांवार

केल्यार ?

रेमंड : हय. अे प्लॉट वन थावजंड फायव् हण्ड्रेड स्क्वेर मिटर्स, आय हॅव गिफ्टेड यू.

फेलीक्स: पुण कित्याक ?

फांचू : फेलीक्स बाब, येस्टॉस अस्वस्थ जायनाका. फुडें पळे किते आसा तें.

रेमंड : तें इतल्यानूच जावंक ना. ही ब्रीफकेसूच तुजी हाडल्या. तातून चार लाख रुपया आसात. त्या प्लॉटाचेर तुवें घर बांदपाक हे चार लाख रुपया तुका. घे.

फांचू : फेलीक्स बाब, पळेले मरे तुवें, आमच्यान तुज्या खातीर किते पासून करुं येता तें ?

फेलीक्स: पुण हें सगळें तुमी करतात तें कित्याक ?

रेमंड : फेलीक्स, आमची तुका अेकूच विनंती आसा.

फेलीक्स: कसली विनंती ?

रेमंड : ह्या येंव्यमाद्वांतल्यान फाटी सर. तुजी अुमेदवारी तूं फाटी घे आनी अशें केल्यार, इलेक्शन हय, आनी तुका राजा कशे करतल्यांव.

फेलीक्स: म्हणजे देड हजार स्क्वेर मिटर प्लॉट आनी चार लाख रुपया म्हाका दितात हांव येंव्यमाद्वांतल्यान फाटी सरपाक ?

फांचू : हय, तूं मारकें समजलय.

फेलीक्स: म्हणजे, हांव फाटी सरतान रापाज आपशींच ऑपोजिशन नास्ताना निवडून येतलो.

रेमंड : एक्जटली.

फेलीक्स: (रागीश्ट जावन) रेमंड, स्टाप इट. आनी आयक. हो पेपर आनी ही ब्रीफकेस घे (ब्रीफकेस आनी पेपर्स रेमंडा लागीं दिता). हो प्लॉट म्हाका नाका. हे चार लाख रुपया म्हाका नाका. हांव म्हज्या लोकांक, जाणीं म्हजेर सगळो विस्वास दवरला,

ह्या फ्लेटांक लागन आनी ह्या चार लाग्न घरांनि आनीक लागन. हांव म्हज्या लोकाचो विश्वासघात करचोना. केन्नाच करचे ना. गेट. फांत् प्लीज गो अव्हय. (संगीत वाजता काळोख जाता. परतून उजवाड जावन माचयेर एमी, कोत्रीन जुवांव, झुजु, रीटा आनी पांडु आसता).

जुवांव : आरे आयज दोन मिटींगो आसान खंय मरे ? अेकेच मुवानेर ?

झुजु : हय खंय. अगडीं जायना जाल्यार पुरो. पयली मिटींग रापोज बाबाची आनी उप्रांत आमच्या फेलीक्समाबी खंय.

एमी : कितेंय जांव, आमी आमच्या फेलीक्साकुच मतां दिवंक जाय. मम्मी तू कितें म्हणटाय ?

कोत्रीन : हांव आनीक किन म्हणो ? फेलीक्स आमचो पुत मगो. तेक वयर काडच्याक जायच.

रीटा : जाणात तुमी, सगळो लोक पळे फेरर प्रायस शॉपान रेशन व्हरुंक येता, तितलेय मागतात की ते सगळे आपलीं मतां फक्त फेलक्साकूच दितले म्हण.

जुवांव : जांव सायबा, तशेंच घडल्यार पुरो म्हण देवालागीं मागता.

पांडू : आरे तुमी जाणात, आतां कितें चलता तें ?

कोत्रीन : कित चलता रे पांडू ?

पांडू : आगो रापोजाचे मनीस खंय लोकाक दुडू वांटतात, माडयो वाटनात, भुरग्यांक बोल दितात आपल्याक मतां मेळोवपाक.

झुजु : आनी इतलेच न्हय, तो घाब्रु खंय सगळ्यांक धमकी दिता, मतां रापोजाक दिनांत जाल्यार घरां हलपायतलों म्हण.

कोत्रीन : तशें जाल्यार कित करपाचें ? (घाब्रू येता).

घाब्रु : आगो कोत्रीन, कितें चल्लां गो हांगा ?

कोत्रीन : कित जाल रे गब्बोर सिंग ?

घाब्रु : हांगा यो गो तें.

कोत्रीन : तूं कोणा दसायत रे ? (घाब्रू फुडयान येता).

घाबु : [illegible] लोक रापोजाक मतां घाल्ल्यां मगो ?

कोत्रीन: तें आनीक मांगपा जाय ? आमगे सगळीं मतां रापोज बाबाकूच.

एमी : मांय हें तूं...

कोत्रीन: आगो एमी, हिंग यो पळोवया (एमी येता). आरे गब्रोर मिग हीं म्हजी धुव, जाण मरे तूं ?

घाबु : जाणा गो. पुण तुमचीं सगळीं मतां...

कोत्रीन: आरे, हाव [illegible] तुर्ता भिताय ? ते म[illegible] सोडी.

घाबु : हे पळे, धा हजार रुपया रापोज बाबान धाडल्यात. हे तुजे लागीं दी म्हण सांगलां. आनी कोण मतां घालूंक सोदीना ताका ते वांट म्हण सांगल्यां. पुण सगळीं मतां [illegible] बाबाकूच पडूंक जाय.

कोत्रीन: दी ते म्हजे लागीं. (घाबु कोत्रीनाक दुडू दिता). आत [illegible]. हीं मतां सुरे ? हाव [illegible] चाल तं.

घाबु : आर्मी जाणाच तू [illegible]. (वता)

एमी : मांय हें तुवें कितें केल्लेंय ? (सगळीं लागीं येतात).

रीटा : आण्टी, हें तुजें कर्तुप आमकां मातुय बरें लागूंक ना.

जुवांव : कोत्रीन, हाव [illegible]

राज : शी, शी... तशें जाल्यार हांवूय दुडू घेतलों.

पांडू : [illegible] त्या कोत्रीनाचें. आता तूंय [illegible].

कोत्रीन: तुमगो [illegible] ? [illegible]. [illegible] मत [illegible] हजार रुपया घेवंक नाय. पुण मत आपल्याक जाय ताकाच दिवपाचें.

एमी : अशें ? म्हणचे तुजें मत फेलीक्साकूच दितली ?

कोत्रीन: हय तरी. आत येस कराय. हे पैसे घेयात आनी आमच्या

फेलीक्स बाबाली मिटींग फुडेंदार. चलात, चलात... समजोल मुरे ?

पांडू : कोत्रीन, तूं मात ताका सारकें रेड [illegible] पेलनें (संगीत वाजता, काळोख जाता. अुजवाड जावन अेके कुर्शाक फांचू आनी रापोज दिसता. वेंचणूक सभा घडोवन हाडटा तसलें वातावरण)

फांचू : आता तुमका सुवार आपले विचार मांडटलो तुमचो आनी आमचो उमेदवार रापोजबाब. (लोक ताळयो मारतात).

रापोज : म्हज्या मोगाळ भावा–भयणानो, दुसरे फावट हांव येलेयसांवाक अुबो रावलों. फाटल्या येलेयसांवाक तुमी म्हाका खुब मतानी निवडून दिलां. हे फावटी तुमी म्हाका सणसणीत जैत दितल्यात म्हण सगळ्यांक भावता. तुमी म्हजे सभार हाडलेलीं कामां हांवे अेक पासून करीनास्ताना दवरूंक ना. तुमचे रस्ते, अेक पासून रस्तो डामरांचो नासलो, हांवें तुमचे सगळे रस्ते डामरायले. तुमच्या गांवांत अेक पासून बस नासली, लोकाक चलोन वेचें पडटालें, हांवें तुमकां बस दिली. आयज लोक बाजारान चलोन वचांना. तुमच्या गावांत अेक पासून फेर प्रायस शॉप नासले, हांवे ह्या गावांत फेर प्रायस शॉप दिलें, तुमच्या गावान बिजली नासली, तुमकां हांवें बिजली दिली. तुमकां अुदक नासले, तेंवुय हांवे दिले. तुमचें अेक पासून मागणें हांवें पुर्ण करीनास्ताना दवरुंक ना. त्या खातीर म्हाका खात्री आसा का तुमी म्हाका भौमतान निवडून हाडटल्यात म्हण. जय हिंद ! (लोक ताळयो मारतात, लिली येता).

लिली : डॅडी, तू जेवल जिखलो. तुजें भाषण आयकून म्हाका कळलें, तुवें लोकांची खुब सेवा केल्याय म्हण. लोक तुका जेवल निवडून हाडटलो. (लिली अुलयता आसताना अुजवाड थोडो जाता, आनी दुसरे वाटेन अुजवाड वाडटा. थंय फेलीक्स आनी झुजु आसता).

झुजू : आतां आमचो उमेदवार फेलीक्साचार तुमकां आपले विचार सांगतलो.

फेलीक्स: म्हज्या मोगाळ इष्टांनो. तुमच्या मागण्याक लागून आयज हांव हे येल्यमांव अगडटा. हांव एक गरीब मनीस, तुमकां खबर आसा. म्हजे लागीं दुडू नात तुमकां वांटूंक. म्हजे लागीं मारीयो नात तुमकां दिवंक, पूण म्हजे लागीं प्रामाणीकपण आसा. आनी तुमीं दिल्लो मोग आसा. हाचेरच पातयेवन हांव हे येल्यमाव जिखतलों म्हण खात्रेन सांगता. तुमी म्हाका निवडून हाडलो जाल्यार हांवच तुमचे सगळे रस्ते, कोंगळांत गेल्ले रस्ते पर्यंत डामरायतलों. आनी हें डामर घालपाचें काम ह्याच गांवांतल्या बायगडयांक दितलों. म्हज्या मेवण्याक दिवचोना. (ताळयाचो आवाज). हांव निवडून आयल्यार एक बस आसा तेंय दोन वा तीन वर्सां चालतलो. ह्या बसा घालपाक गांवच्याच लोकांक संधी दितलों. म्हज्या मेवण्याक बस घालपाक दिवचोना. ह्या गांवांत खूब लोक आसात आनी फेर प्रायस शॉप आसा तातूंन रेशन लोकांक मेळाना. हांव आनीक एक फेर प्रायस शॉप घालून दावरतलों आनी गांवांतल्या बेकार तरनाट्यांक तें चलोवंक दितलों, म्हजे मेवणेक न्हय. रस्ते केले, बसी घातल्यो म्हण समाज सेवा जायना, समाज सेवेच्या नांवान आपल्याच घुडयांत भरपण करप, ही समाज सेवेची खरी जावन आसा. जो मनीस आपलो फायदो विसरून लोकांच्या बऱ्याक वावुर करता, ताकाच की समाज सेवा म्हणटात. त्या खातीर हांव मागता की खरी समाज सेवा आमच्या गांवांत भितर सरूंक तुमचीं मतां फकत म्हाकाच दियात. देव बरें करूं (ताळयांचो घणघण जाता. माचीयेर सगळ्याक अजवाड जाता).

लिली : हें हांव किते आयकतां? रय, फेलीक्स अल्पना तें खरें जावन आसा. जे-जे गुवांतेर लोकांचीं देखीन कामां केल्यांत तीं सगळीं आमच्या मयऱ्यांनीच केल्यांत. फेलीक्स, तूं

सांगतालय तें म्हाका आनां वरून आयलें... (लिलीक विचार येतात).

पयलो : लिली, तो तुजो डेडी, तुवें ताकाच आदार दिवंक जाय, ताकाच निवडून काडूंक जाय.

दुसरो : लिली, ना तुजो डेडी जाल्यार कितें जालें ? ताणें समाज सेवेच्या नावान लोकाक फटयला. तो फटींग.

पयलो : लिली, तूं चूकताय. तुजो डेडी तुजें रगत जावन आसा. ताका आदार दिवप तुजें कर्तव्य जावन आसा.

दुसरो : लिली, तुवें तुज्या डेडीक आदार दिल्यार तूं अनीतीक आदार दितलें, भ्रस्टाचाराक आदार दितलें धोंगीपणाक आदार दितलें. त्या खातीर...

लिली : (व्याकूल) ना, ना, ना... हांव तशें करचीना, करचीना म्हणचे करचीना.

रापोज : लिली तुका कितें जालां ?

लिली : डेडी, आय यम् सोर्री. डेडी, तूं तुजी अुमेदवारी फाटीं घे, ना तर तूं हें येलेयगांव हारतलो आनी फेलीक्स हें येलेयगांव जिखतलो. डेडी, हांव हात जोडुन तुजे लागीं मागतां, तुजी अुमेदवारी तूं फाटीं घे.

रापोज : लिली तुका कितें पिशें लागलां ?

लिली : हय डेडी, खरेंच म्हाका पिशें लागलां; मनाचें पिशें, प्रामाणीक पणाचें पिशें, निज समाज सेवेचें पिशें. डेडी म्हाका दुख भोगता सांगूंक की म्हजें मत पासून हांव फेलीक्साक दितलीं.

रापोज : कितें ? तूं तुजें मत फेलीक्साक दितलें ? (सगळे लोक फेलीक्सा फुडयान वेतात आनी फक्त घाब्रु रापोजा फुडयान रावता).

लिली : हय डेडी, कित्याक समाज सेवेच्या नांवान तुवें फक्त तुज्या

पार्टीची सेवा केली, कामाची [illegible]. ([illegible] फेलीक्सशी वचूक चलता).

सगळे . फेलीक्स बाप झिंदाबाद!... (सगळे अंधेरीत हात वगैरे काढीत नारे गाजवता. काळोख जाता).

शेवट

समाज सेवा

तियात्रांतली पात्रां

१. **रापोज** : ६० / ७० वर्सांचो राजकर्णी फुडारी. अशिक्षीत पूण चतुर.

२. **लिली** : १८ / २० वर्सांची रापोजाची धुव. सत अुलवपी.

३. **कोत्रीन** : ३५ / ४० वर्सांची गावडीन. चड अुलवपी आनी कोणाचीच पर्वा करपी न्हय.

४. **फांचू** : ६० / ६५ वर्सांचो, रापोजाचो गुटाचो इश्ट.

५. **एमी** : १६ / १८ वर्सांची कोत्रीनाची धुव.

६. **जुवांव** : ४५ / ५० वर्सांचो, गरीब आनी कुड्डो दादलो.

७. **रीटा** : १६ / १८ वर्सांची जुवांवची धुव.

८. **फेलीक्स** : २० / २२ वर्सांचो नग्नाटो. मन आनी निती खातीर झुजपी.

९. **रेमंड** : ५० / ५५ वर्सांचो धंदेकार. गिरेस्त आनी दुडवांनी आपलीं कामां करुन घेवपी.

१०. **ब्रूज** : ३० / ३५ वर्सांचो बेकार आनी सोरो पियेवन दिस काडपी.

११. **पांडू** : ५० / ५५ वर्सांचो अेक शेट.

१२. **घात्रू** : २५ / ३० वर्सांचो गावांतलो अेक गुंड.

समाज सेवा

ह्या तियात्राच्या पयल्याच प्रयोगान भाग घेतलेले कलाकार

	पात्र		कलाकाराचें नांव
१.	रापोज	:	अँन्टोनी कारवालो.
२.	लिली	:	जुजेफीन कार्दोज.
३.	कोत्रीन	:	आयरीन कार्दोज.
४.	फांचू	:	जी. आय. कारवालो.
५.	एमी	:	कारमिन बारबोजा.
६.	जुवांव	:	वोली डिमलो.
७.	रीटा	:	ग्लॉडीस रोड्रीक्स.
८.	फेलीक्स	:	माविर्यो रोड्रीक्स.
९.	रेमंड	:	मनोहर रेडकार.
१०.	झुजु	:	श्रीधर मांद्रेकार.
११.	पांडू	:	प्रकाश बांदोडकार.
१२.	घाबु	:	पिटर बारबोजा.
माचये मांडावळ		:	तिमोती डायस.
बिजले मांडावळ		:	दिगंबर मिंगबाळ.
संगित		:	आग्नेलो डायस.
दिग्दर्शपी		:	नोमाज्ञिन कार्दोज.

समाज सेवा

ह्या तियात्राक कला अकादमीचीं इनामां फावो जाल्यांत तीं अशीं आसात.

१. तियात्र दाखोवपांत : दुसरो इनाम.

२. भुमिकेंत

अ) ॲन्टोनी कारवालो : दुसरो इनाम.

ब) आयरीन कार्दोज : पयलो इनाम.

क) जुजेफिन कार्दोज : दुसरो इनाम.

३. गावपांत

अ) व्हायलेट आल्मेदा : पयलो इनाम.

ब) जुजेफिन कार्दोज : दुसरो इनाम.

४. दिग्दर्शन

अ) तोमाझीन कार्दोज : दुसरो इनाम.

५. लेखन

अ) तोमाझीन कार्दोज : पयलो इनाम.

६. बिजले मांडावळ

अ) दिगंबर सिंगबाळ : पयलो इनाम.

कांतार

तियात्रांतलें कांतार म्हटल्यार "वलावन, डुयेट, त्रियो आदी जावन आसा. डुयेट कशें आसता ताचो हो एक नमुनो :

I

धुव	:	डेडी ओ डेडी, मनशाक कोणे हाडला ?
पाय	:	मनशाक गो देवान मातयेचो करुन धाडला.
धुव	:	यद्दो हो संवसार जनवरांनी कसो भरला ?
पाय	:	धुवे, म्हजे धुवे, हो संवसार देवान घडला.

कोरस

पाय	:	कायबरें रचलें देवान मनशाचें आंग,
		जनवरां, झाडां, ओरोव, रचलें जेवंक-खावंक.
धुव	:	तर देवाक कोणें रचलां सांग.

II

धुव		डेडी, ओ डेडी, कोंबी तांतयां घालता,
पाय	.	ती तांतया खावन जाल्यार घटायेन मर्नास फुलता.
धुव	:	हय रे ते खरें, पुण तांतयांनी पिला मेळटा,
		कोंबी वा तांती, कोण पयलो तें कशें कळटा ?

कोरस

पाय	:	आगो, कोंबयो जून जातोच तांतीयान येता,
धव	:	पुण तांतयां सत्राणेक दवरल्यार पिला जाता,
		हाचो लाब म्हाका कोण दिता ?

III

धव	:	डेडी ओ डेडी, आमचो बाबा बरोच रडटा,
पाय	:	धुवे, ना बाबा, तूं खेळयना म्हणून [illegible] करता.
धुव	:	डेडी, म्हाका साग रे, तुमी बाबा खयचे हाडटा ?
पाय	:	धुवे, म्हजे धुवे, बाबा साळीयेर मावन इंटीयेन पडटा.

कोरस

धुव	:	ना डेडी, तूं म्हाका फट मारता व्हड,
		आमच्या घरांत अेक्रूय साळी ना भितर,
		जाल्यार हांव कशीं जाल्यां तर ?





Printed at New Age Printers, Panjim